चित्रांतलें वादळ

ज्योती कुंकळकार

27

चित्रांतलें वादळ

अपुरबाय प्रकाशन

चित्रांतलें वादळ

(कथा)

ज्योती कुंकळकार

अपुरबाय प्रकाशन

CHITRANTALEM VADOLL
Short Stories by
JYOTI KUNKOLIENKAR

प्रकाशन क्र. ५३

© अवधूत नरसिंह शे. कुंकळकार
डी-१, गौरी को-ऑपरेटीव्ह
हावसींग सोसायटी
जुवारवाडो, तिवरें, माशेल, गोंय.

पयली उजवाडावणी :
फेब्रुवारी १९९३

उजवाडावपी :
हेमा पुंडलीक नायक
अपुरबाय प्रकाशन
वळवय, फोंडें, गोंय ४०३ ४०१

छापपी :
हिरू नारायण नायक
अपुरबाय प्रिंटर्स
वळवय, फोंडें, गोंय ४०३ ४०१

मुखचित्र :
श्रीधर कामत बांबोळकार

मोल :
४५/- रुपया

हें पुस्तक 'गोवा कोंकणी अकादेमी'च्या 'पयलो चंवर' अनुदान येवजणेखाला छापलां.

आपूण पारंपारिक
स्त्री-बंधनांत
घुस्पून पडून
म्हाका आधुनिक
विचारांची वाट दाखोवपी
आनी
अर्थ-अपुरबायेंत
म्हजी दुसरी आवय
सोबपी
म्हजी मांय
श्रीमती ललिताबाय
नरसिंह शे. कुंकळकार
हिका अर्पण.....

– ज्योती

कथांची पयली उजवाडावणी

सावळी	'सुनापरान्त'	३/५/१९९२
प्रतिमाभंग	'जाग'	दिवाळी अंक १९९२
सुखवास	'सुनापरान्त'	१९/७/१९९२
मायेची कसरत	'कोंकण टायम्स'	दिवाळी अंक १९९२
विरलीं कुपां	'राष्ट्रमत'	१६/२/१९९२
सांगाती	'राष्ट्रमत'	मे १९९२
आवयची सोयरीक	'सुनापरान्त'	२६/७/१९९२
चित्रांतलें वादळ	'सुनापरान्त'	नोव्हेंबर १९९२
काळीजवंत	'कुळागर'	मे-जून १९९२
काळजाचो घोटेर	'कुळागर'	दिवाळी अंक १९९२

मनांतलें

हांव लेखिका जातलें अशें हांवें केन्ना चितूंक नासलें. तातूंत हांव कोंकणी कथा बरोवन कथासंग्रह प्रगट करपाक शकतलें अशें तर सपनांत लेगीत येवजूंक नासलें.

धव्याचेर काळें करपाची कसरत मराठींतल्यान सुरू केल्ली. तातूंत कथांचो आस्वाव चड आसलो. कोंकणी कथेचो मात हांवें खुबूच धसको घेतिल्लो. कोंकणी कथा म्हळ्यार कोंकणी जिवीतांतलें नीजपण आनी कथेंत तें तशेंच उतरपाक जाय अशी म्हजी समजीकाय आसली. म्हजें भुरगेपण वो म्हजे अणभव ह्या जिवीतापासून वेगळे आसले. म्हज्या वाट्याक आयिल्लें तें मध्यमवर्गी जिवीत आनी शाराचें वातावरण.

पूण जेन्ना हांवें म्हजेच एके मराठी कथेचें पटकथा रूपांतर करून 'मुक्ता' नांवाची एक टेलिफिलम पणजी दूरदर्शनावयल्यान कोंकणीतल्यान सादर केली तेन्ना मनांत विचार आयलो, कोंकणीतल्यान फिल्म जाता जाल्यार म्हजेकडल्यान कथा कित्याक बरोवन जांव नये ?

आनी ह्या वेळार म्हाका नामनेचे साहित्यिक श्री पुंडलीकबाब नायक हांणी मार्गदर्शन केलें. तांणी सांगलें, 'तुवें जें कितें अणभवलां तें कथांतल्यान प्रामाणिकपणान मांड. बरयता तें जिवीत कोंकणीच आसूंक जाय असो आग्रो नाका.'

म्हाका तें पटलें. आत्मविश्वास वाडलो आनी हांव बरोवपाक लागलें. भरभर, अधाशीपणानशें बरोवपाक लागलें. हांवें बरयिल्ल्यो कथा 'सुनापरान्त', 'राष्ट्रमत', 'कुळागर', 'जाग' ह्या सारक्या नामनेच्या नेमाळ्यांनी उजवाडाक आयल्यो. वाचप्यांनी प्रत्यक्ष मेळिल्लेकडेन वो पत्रां बरोवन अभिप्राय कळयले. तातूंत सामान्य वाचपी तशेंच नांवाजते लेखक आनी समिक्षकूय आसले.

कोंकणी अकादेमी सारक्या संस्थांनी घडोवन हाडिल्ल्या कथाशिबिरांच्या व्यासपिठार ज्येष्ठ आनी नवोदीत बरोवप्यांमदीं म्हज्या कथांचें वाचन आनी चर्चा जाली.

अशे तरेचें उपाट उत्तेजन म्हाका लाबलें आनी त्याच वेळार गोवा कोंकणी अकादेमीची 'पयलो चंवर' येवजण जाहीर जाली. कथांचें हातबरप घेवन हांव अपुरबाय प्रकानाच्यो हेमाबाय नायक हांचेलागीं गेलें. तांणी आस्थेन आपणाल्या प्रकाशनाचे वतीन पुस्तक उजवाडावपाची जापसालदारकी स्वीकारली.

कोंकणीचे मानदंड भौ. उदयबाब भेंब्रे हांचो कामाचो व्याप खबर आसुनूय तांचेलागीं प्रस्तावनेची मागणी केली आनी उदयबाबान वेळांत वेळ काडून म्हाका प्रस्तावना दिली. म्हजेखातीर ही खोशयेची आनी अभिमानाची गजाल.

मुखपृष्ठ सजोवपी श्री. श्रीधर कामत बांबोळकार आनी अपुरबाय प्रिंटर्सचे धनी श्री. हिरू नायक हांगेले खाशेले उपकार.

म्हजें हें पुस्तक म्हळ्यार सगळ्यांच्या कश्टांचें फळ.

– **ज्योती कुंकळकार**

चंवर येत रावचे ....
परमळ वाडत वचचो

एक नवें पुस्तक उजवाडा येता तेन्ना साहित्याचें मळ उतरांच्या एका नव्या कलाकाराक येवकार दिता. हो कलाकार सातत्यान साहित्य केळयता आनी साहित्यकार म्हण फुडें सरता आनी तें साहित्य लोकांक मानवता तेन्ना तो वा ती नामनेक पावता. साहित्य-संवसारांतली ही चाल मतींत धरून दर एका नव्या पुस्तकाक आनी उदेत्या साहित्यकाराक उमेदीन येवकार मेळूंक जाय.

कोंकणी साहित्यांतलो वसंत ऋतू सुरू जाल्लोच आसा. ह्या वसंतांत ज्योती कुंकळकार हांचे प्रतिभेक आयिल्लो साहित्यीक चंवर ''चित्रांतलें वादळ'' ह्या नांवान रसिकांमुखार येता. हो चंवर कोंकणी कथेच्या पोरसांतलो परमळ वाडयतलो हाची खात्री धरूं येता.

कथा हो कोंकणी साहित्यांतलो एक गिरेस्त प्रकार म्हणूंक येता. आज मेरेन कितलेशाच साहित्यकारांनी कथेचें पोरसूं सोबीत-सुंदर केलां. अणभवाचे – विविधतायेचे रंग आनी विशयांचें वेगळेपण हांणी तें कथा साहित्य समृद्ध केलां. तांतूंत दादल्यांचे भौशीक मळावयले अणभव आसात तशेच बायलांच्या अंतर्मनांतले उमाळे आसात. नागरी जिणेंतलो घुस्पागोंदळ आसा तसोच गांवगिऱ्या जिवितांतलो माणसुकेचो मोंयपास आसा. संवसारीक आवांठाचे विशय आसात तशेच थळावे जिणेचे अस्सल नमुनेय आसात. हें दायज गांठीक मारून नवी कथा फुडें सरता. ज्योती कुंकळकार हांची कथा आनीक एक खाशेलेपण घेवन येता.

साहित्याचो रस घेतना साहित्यकार दादलो काय बायल हो विचार करपाची गरज नासता. पूण ज्या भारतीय समाजांत आमी वावुरतात त्या भारतीय

समाजांत जी जीण बायलांच्या वांट्याक आयल्या आनी आयजूय येता ती जीण मतींत घेवन बायलांनी निर्मिल्ल्या साहित्याकडेन एके खाशेले नदरेन पळयलें जाल्यार ती चूक जावं नये. ही नदर तोखणायेची आसल्यारूय ती अतिताय दिसुं नये. रांदची कूड हें बायलेचें विश्व अशें जो समाज सरसकटपणान धरून चलता त्या समाजांत संवसार-प्रपंचांतली लागणूक पाळुनूय बायलो जेन्ना साहित्याची वा कलेची वा हेर कसल्याय मळाची सेवा करतात तेन्ना ते सेवे फाटल्यान जे गुण आसतात ते असादारण आसतात. बायलांचें अणभवविश्व उपाट भरिल्लें आसुनूय भारतीय साहित्यकारांमदीं तांचो आंकडो दादल्यां परस उणो आसा ताचें कारण हेंच. साहित्याचो रस घेतना न्हय; पूण त्या साहित्याचे निर्मणे फाटलो उमाळो समजून घेतना आमचे समाजीक जिणेंतली ही असमानताय समजून घेवपाची गरज आसा.

ह्या संदर्भांत कोंकणी कथेचो विचार केल्यार शीला कोळंबकार, मीना काकोडकार, हेमा नायक, जयमाला दणायत, जयंती नायक हांकां खूब मोटें श्रेय पावता. कोंकणी कथा तांणी खूब आंगांनी फुलयल्या आनी ते उदेशीं भारतीय कथेचे उदरगतीक पालव दिला.

ज्योती कुंकळकार हांच्यो कथा वाचतकूच तें दायज फुडें चालू दवरपाची तांक झळकता. साहित्याचे हे सेवेभायर तांच्या व्यक्तिमत्वाक आनिकूय तासां आसात. भौ करून कलेच्या मळावयलो तांचो वावर तांचें अणभवविश्व वाडोवन कथेंत अदीक रंग भरपाक खूब उपेगी जावं येता. थोडे चंवर करपतात. दादल्यांच्या संबंदान हें घडटा. ज्योती कुंकळकार हांच्या संबंदान तशें घडपाक कारण ना, तशें घडूंक फावना. पयल्या चंवराची अर्थ-अपुर्बाय वेगळीच आसता हें खरें आसलें तरी तितल्यान समाधान मानूंक जायना. हो आरंभ – फकत आरंभ. सैमांत झाडांक, वालींक, रूखांक चंवर येवंक वेळ-काळाचें बंधन आसता. साहित्याचे निर्मणेक तो नेम लागना. देखून साहित्य-प्रतिभेचे असले चंवर दर ऋतूंत येवचे. नव्या चंवराक अणभवाचे खोलायेचो रंग आपशींच येतलो, साहित्य-गुणांचो परमळ नकळटना पयस पावतलो.

मडगांव, उदय भेंब्रे
२६.१.१९९३

मांडावळ

१.	सावळी	११
२.	प्रतिमाभंग	१७
३.	रोमा	२७
४.	सुखवास	३६
५.	मायेची कसरत	४७
६.	विरलीं कुपां	५१
७.	सांगाती	६१
८.	आवयची सोयरीक	६५
९.	चित्रांतलें वादळ	७५
१०.	काळीजवंत	८०
११.	काळजाचो घोंटेर	९०

१

सावळी

अकस्मात फाटसून म्हज्या गळ्यांत हाताचो विळखो पडलो. खिणभर हांव चक्रावन गेलें. हातांचो विळखो निखिलाचो, म्हज्या पुताचो आसलो. पूण त्या विळख्यान म्हाका निखिलाच्या बापायची – सुधीराची याद करून दिली.

"आई, आयज वचपाचें न्हय?" निखिलान तोंड म्हज्या कानाकडेन हाडून विचारलें.

"खंय रे? खंय वचपाचें?" हांवें लटीक वैतागान कशें म्हळें.

"अशें कितें करता आई? दर वर्सा रिजल्ट जाल्या बरोबर दुसऱ्याच दिसा आमी वाचपाचीं पुस्तकां हाडूंक वतात न्हय गे. काल म्हजो रिजल्ट जालो ना?"

"खरेंच मरे. पूण आजून म्हजीं घरांतलीं कामांच सोपूंकनात पळय" हांवें म्हळें.

ताका हांव कशें सांगतलें, आयज सोमार म्हणून! अमेरिकेच्यान सुधीराचें पत्र काल मेरेन पावूंक ना. आयज येतलेंच. भायर सरप म्हळ्यार पोस्टमन येवचे पयलीं वचचें पडलें. मागीर तें पत्र रूसून बसचें ना म्हज्या मेजाचेर?

"अशें कितें करता आई?" रडवो सूर लायलो ताणें.

"वच गे सूनबाय, पुताचें मन मोडूं नाका." कोनशाक बशिल्ले मांयन चाती वळटां-वळटां म्हाका सांगलें.

"बरें बाबा या". हांवें निखिलाक उतर दिलें. म्हजे हात सडसडीत चपात्यो लाटपाक लागले. पूण मन मातशें निर्शेलें. दर वर्सा पुस्तकां विकतीं हाडपाक वचपाचो क्रम कशें काय विसरलें हांव! म्हजें मन चुटपुटलें. भूतकाळांतल्यो बारीक सारीक गजालीय परत-परत याद जावपाक लागल्यो.

राजा-राणयेच्या- काणयांनी गुल्ल जावन वचपी इल्लोसो निखिल म्हज्या दोळयांमुखार आयलो. मातशें शॉपिंगाक गेलें जाल्यार नवीं-नवीं पुस्तकां विकतीं घेवपाचो ताचो हट्ट. पुस्तक.... पुस्तक... आनी पुस्तक.... बापूय आनी पूत दोगूय सारकेच. एकेच माळेचे मणी. सुधीर पुस्तकां घेवपाक गेलो म्हणजे हाची रड, आपल्याकूय घे म्हणून.

"तुजे बाबा पुस्तकांतल्यान पयलीं भायर सरूं दी मागीर तुका पुस्तकां घेवया". अशें म्हणत केन्ना केन्ना हांव धेंगशेतालें.

"दिव्या, बापायचो राग भुरग्याचेर कित्याक काडटा गो?" सुधीर मिस्कीलपणान म्हाका म्हणटालो.

उपरांत सुधीरान एक उपाय सोदून काडलो आनी निखिलाक समजायलो.

"हें पळय राजा, दर वर्सा परिक्षेचो रिजल्ट लागतकच दुसऱ्याच दिसा पुस्तकांच्या दुकानाचेर वचपाचें आनी तुका जाय तितलीं पुस्तकां घेवपाचीं. अशीं अर्दी-मर्दी घेवपाचीं नात. अशें केल्यार तुजे आवयचीं तापोवणीं म्हाकाय खावपाक नाका आनी तुकाय नाका."

निखिलान बापायलें म्हणणे मोटे खोशयेन मान्य केल्लें आनी माकडावरी उडयो मारीत भायर गेल्लो. हांव मात बापायचें आनी पुताचें नाटक पळयत उरिल्लें. सुधीर म्हज्या फाटल्यान येवन ताणें म्हज्या गळयांत आपले हात केन्ना घाले तें म्हाका कळ्ळेंच ना.

"दिव्या, आमी ह्याच पुस्तकांनी लागीं आयिल्लीं न्हय?" ताणें आपलो पोलो म्हज्या पोल्याचेर दवरिल्लो.

म्हजें मन आनीक फाटल्यान गेलें. बडोद्याची युनिव्हर्सिटी याद जाली. हांव आनी सुधीर सिनियर बी.ए.क आशिल्लीं तेन्ना अभ्यासावांगडा हेर पुस्तकां वाचपाचें दोगांकूय खूब पिशें. ते खातीर आमचो बरोचसो वेळ लायब्ररींत वतालो. थंयच आमची वळख जाली. इश्टागत जमली आनी प्रीतय फुल्ली.

जशें जशें हांव सुधीरच्या लागीं वचपाक लागलें तशी तशी म्हाका ताचे अर्थीक परिस्थितीची, ताचे असामान्य बुद्धीची, असीम महत्वाकांक्षेची कल्पना येवपाक लागली. तेप्रमाण हांवें म्हज्या वागपाचें धोरण दवरलें. बी.ए.चे परिक्षेंत सुधीरान फाटल्या धा वर्साचो रिकॉर्ड मोडलो आनी युनिव्हर्सिटींत तो पयलो आयलो. तो एम.ए. करपाक लागलो. हांवें मात बी.ए. जाल्या बरोबर चटकन बी.एड्. करून शिक्षकेचो पेशा पत्करलो. एम.ए.कय ताणें दोळे दिपकावपी यश मेळयलें. त्या उपरांत आमचें लग्न जालें.

पूण ताचें अभ्यासाचें पिशें चालूच आशिल्लें. एका नांवाजल्या कॉलेजांत ताणें

लेक्चरर म्हूण नोकरी धरली. एक व्यासंगी आनी कुशल प्रॉफेसर म्हणून नामना जोडली. म्हाका ताचो मोटो अभिमान दिसतालो. म्हजी मास्तरकी आनी संवसार दोनूय चालूच आशिल्लें. शेवटाक खूब वर्सां मनांत आशिल्लें सुधीराचें सपन खरें थारपाचो योग आयलो. ताका अमेरिकेंत नॉर्थ ईस्टर्न युनिव्हर्सिटींत ॲडमिशन मेळ्ळें आनी हांगासर भारतांत एज्युकेशन लिव्ह घेवन तो अमेरिकेक गेलो.

घडये आयज येवपाच्या सुधीराच्या पत्रावेल्यान ताची थिसीस केन्ना सोंपतली ताची स्पश्ट कल्पना म्हाका मेळटली.

हुनहुनीत चपातेचो म्हाका चुरको लागलो आनी हांव भानार आयलें. हालींसरा एक शीणसो, एक थकवोसो म्हाका जाणवतालो. म्हाका कळना आसलें, हो शीण शारिरीक काय मानसीक! मागीर दिसतालें, हो शीण शारिरीक आनी मानसीकय वी.

सुधीराच्या हावेसां बरोबर धांवतां धांवतां हांव सामकें थकून वतालें. ताचो हावेस पुराय करपाक आनी ताका सुशेग मेळपाखातीर, संवसाररथाचीं चक्रां हांवूच सांबाळटालें. संवसाराचो अर्थीक भार तर म्हजेरूच. संवसारांतल्या बारीक-सारीक अडचणीकडेन एकट्याकच झुजचें पडटालें आनी निखिलाकूय सांबाळटालें सामकें दोळ्यांत तेल घालून.

बरोच वेळ हांव तशेंच बसून रावलें. फाटले कांय दीस म्हाका संवसारांत दादल्याच्या आदाराची, सहवासाची गरजशी भासूंक लागिल्ली. सगळे निर्णय सुधीरान आपल्या मनाप्रमाण घेवचे आनी हांवें फकत ताच्याबरोबर सावळे सारकें रावचें असो एक नवोच ध्यास हालीं म्हाका लागिल्लो. आयच्या ताच्या पत्रावेल्यान तो केन्ना परत येतलो हाचोय अदमास बांदू येतालो.

हालीं म्हाका कितें जाल्लें कोण जाणा! सुधीर येतकच पळयतलो, अशें म्हणून घरांतलीं कितलींशींच कामां तशींच पडून दवरिल्लीं. घराक रंग दिवपाचो आशिल्लो. व्ही.सी.आर. घेवपाचो, रांदचे कुडींत थोडी सुदारणा करपाची आशिल्ली. एक ना दोन. आयजमेरेन घरांत बायलांचें राज्य आशिल्लें. मांय आनी हांव. सुधीर सगल्या गजालीं पासून अलिप्त उरिल्लो.

'पोस्टमन' ह्या आवाजान हांव भानार आयलें. सदांचोच निळो एरोग्रॅम पळोवन हांव विरगळून गेलें. नवे व्हंकलेचे उमळशिकेन हांवें तें पत्र फोडलें. केन्ना वाचूं अशें म्हज्या दोळ्यांक जाल्लें. पत्रावेल्यान झरझर धांवपी म्हजी नदर मदींच आडखळ्ळी. सुधीरान बरयिल्लें,

"पी.एच.डी. खातीर म्हाका जे गाईड आसात तांकां अकस्मात एका कॉन्फरन्साखातीर लंडनांत वचचें पडलें आनी म्हजें थिसिसचें काम लांबणेर पडलें. म्हाका परत येवपाक आनीक चार म्हयने कळाव जातलो.

म्हाका कळटा राणी, हांव तुजो अंत पळयतां, पूण आयजवेर म्हाका सांबाळून घेतलो तसोच घे आनी निमणी एकूच परवानगी हांसत-मुखान दी."

म्हज्या दोळ्यांत दुकां उबीं रावलीं. सुधीरान बरयिल्ले चार म्हयने चार युगां

सारखे दिसले.

"या मगे आई?" निखिलाच्या उल्यान म्हाका जाग आयली.

"हय, या रे. तयारी करतां हांव."

"तूं भायर सर. हांव फुडें वचून रिक्षा पळयतां." निखिल इतलें सांगून भायर सरलो.

हांवें यांत्रिकपणान सगळें आवरलें. सुधीराचें येवप चार म्हयने लांबलें. म्हण्टकच हो घराचो भार आनीक चार म्हयने एकटेन ओडपाचें वांट्याक आयिल्लें.

म्हाका वोगीच धाप लागिल्लेभाशेन दिसलें. तशेंच हांव भायर सरलें. मांयक सांगून घराभायर पावल घालें. मुखार पळय जाल्यार निखिल रिक्षा घेवन येता. ताणें रिक्षा थारायली आनी भरभर पावलां घालीत तो म्हजेवटेन येवपाक लागलो. म्हाका वोगीच वीस वर्सां पयलींच्या सुधीराची याद जाली. आमी दोगांय रिक्षांत बसलीं.

हांवें नकळटना ताचेकडेन पळयलें. आनी हांव एकदम अजापलें.

आरे! हाच्या तोंडावेली कवळीक खंय गेली! हांव मनांत विचार करूंक लागलें. ताच्या ओंठावयली काळी रेग म्हाका स्पश्ट दिसताली. म्हाका नव्यानूच याद जाल्ले भाशेन जाली. येता त्या वर्सा हो इकरावेक बसतलो. म्हज्यांतली आवय खंय तरी सुखावली. ताच्या कपड्यांकडेन लक्ष गेलें. ताणें लांब पँट आनी लांब हातांचो शर्ट घाल्लो. लांबूय बरोच जाल्लो.

नकळटना दर वर्साचो पुस्तक हाडपाचो सुवाळो म्हाका याद जालो. फाटल्या वर्सा लेगीत हांवें जावन रिक्षा केल्ली. हाताक धरून आदीं ताका बसयिल्लो आनी तो बसतकच ताचो हात धरून हांव बशिल्लें.

चिंततां-चिंततां आमची रिक्षा पुस्तकांच्या दुकानामुखार थांबली. आमी दुकानांत भितर सरलीं. खंयचीं पुस्तकां घेवचीं हाचो हांव विचार करतालें. इतल्यान निखिलान फटाफट चार-पांच सुंदर पुस्तकांचीं नांवां सांगलीं. निखिल झराझर पुस्तकां वेंचीत आशिल्लो. आतां ताका आदलेवरी भुतां-खेतांची आनी राजा-राणयेच्या पुस्तकांची आवड नाशिल्ली. तांकां ताणें हातूय लायलो ना. एक दोन विज्ञान कथांची पुस्तकां ताणें घेवपा खातीर कुशीक काडलीं. त्या विशयावयले ताचे खास अशे आवडीचे बरोवपी आसले.

मागीर ताणें बायलां संबंदीचीं पुस्तकां रचून दवरिल्ल्या रॅकाकडेन आपलीं पावलां वळयलीं. हांव ताका चत्रायेन पळयत ताचे फाटोफाट गेलें. खुबशीं पुस्तकां चाळून ताणें एक पुस्तक वेंचून काडलें. आनी म्हज्या हातांत दित म्हळें, "आई, ही तुका म्हजी भेट."

हांवें पुस्तकाचें नांव वाचून पुस्तक चाळलें. चाळीशी उपरांतच्या बायलांची मानसीक भलायकी हाची शास्त्रीय चिकित्सा करून बायलांक मार्गदर्शन करपी अशें तें पुस्तक आसलें. हांव तोखणायेन पुस्तक दोनूय हातांनी पोशेत रावलें. इतले म्हणसर ताणें दुसरें एक पुस्तक काडून म्हज्या हातांत दिलें आनी म्हळें,

"हें बाबा खातीर."

काडिल्ल्या पुस्तकाचें मोल तो चत्रायेन पळयतालो. काडिल्लीं पुस्तकां ताणें कावंटराचेर हाडून दवरलीं. दुकानदार बील बरोवपाक लागलो.

"आमकां डिस्कावंट दियात आं. दर वर्सा पुस्तकां व्हरतात आमी."

दुकानदाराक ताच्या वेव्हारीकपणाचें कवतून दिसलें. मिशयांनी हांसत ताणें डिस्कावंट दिल्ल्याचें मानेनूच सांगलें. बिलाचे पयशे निखिलानूच फारीक केले. हांव ओगीच रावलें.

आमी दोगांय दुकानांतल्यान भायर सरलीं. सदच्या हॉटेलांत गेलीं. ताचे आवडीचें आयस्क्रीम मागोवचें असो हांव विचार करतालें. इतल्यांत निखिलान हांसून ऑर्डर दिली.

"दोन प्लेट बटाटवडे". आनी म्हजेकडेन पळयत हांसत सांगपाक लागलो, "आई, कालूच उरिल्ले स्कॉलरशिपीचे पयशे आयले. तेखातीर हे फावटी पुस्तकांचे पयशे हांवेंच फारीक केले. आनी आतां उरिल्ल्या पयशांची बटाटवड्यांची पार्टी. आई, म्हाका खबर आसा, ह्या हॉटेलांतले बटाटवडे तुका खूब आवडटात. पूण हांव जाणां तुजेखातीर तूं केन्ना मागची ना. बाबा हांगा आसतना तूं मागयताली न्हय ?"

म्हाका भडभडून आयलें. हांव अजापान म्हज्या अकस्मात वाडिल्ल्या पुताकडेन पळयत रावलें.

'आरे, केदो व्हडलो जालो तूं! इतले दीस हें म्हज्या लक्षांत कशें आयलें ना!' पूण उतरं काळजांतूच विरलीं. सवकासायेन हांव रूच काडीत बटाटवडे खायत रावलें.

आमी स्टॉपार आयलीं. थंय बरीच गर्दी जाल्ली. गच्चच भरिल्ली बस आयली. निखिलान पयलीं म्हाका चडयलें. मागीर आपूण चडलो. म्हज्या भोंवतणी हाताचो कडेकोट करून उबो रवलो. म्हाका कोणाचो इल्लोय त्रास जावचो ना हाची ताणें खात्री करून घेतली. हांवें मान वयर केली. म्हज्या लक्षांत आयलें, म्हजी तकली हाच्या खांद्याक लागता.

अकस्मात मनावयलो भार खुबूच उणो जाल्लेभाशेन दिसलें. आमचो स्टॉप आयलो तशीं आमी देवलीं.

चलतां-चलतां निखिलान विचारलें, "आई, बाबा केन्ना येतलो गे ?"

"तांचो मुक्काम आनीक चार म्हयन्यांनी वाडलो."

"मागीर आई, म्हाका दिसता, आजयेक आमीच स्पेशालिस्टाक दाखयिल्ली बरी. बाबाची आनीक वाट पळोवची न्हय. आजूच डॉक्टराची अपॉयंटमेंट घेतां आनी हांवूच व्हरतां आजयेक. बाबाची स्कुटरूय सारखी स्टार्ट जायना. काल पळयली हांवें. तिवूय गॅरेजींत दितां."

"आरे, पूण तुका स्कूटर चलोवंक खंय येता ?" हांवें चटकन विचारलें.

"आगे, म्हाका येना जालें म्हणून कितें जालें ? मॅकानिकांक हांगा आपोवन

व्हरपाक लायतां. आनी घराकूय रंग दिवया. आतां तर सुटी आसा. बाबा येतकच सगळें घर कशें नवेंच.''

निखिल भराभर निर्णय घेत आशिल्लो. आनी म्हजें मन सुखावत आशिल्लें.

आरे हो व्हडलो जालो! हाच्या आदाराची खात्री. बाळगुपा इतलो व्हडलो जालो.

रातचें सैल मनान हांवें एरोग्राम फुडें ओडलो आनी सुधीराक मनापासून बरयलें.

''सुधीर, सवकासायेन थिसीस पूर्ण कर. चार म्हयने म्हळयार चड न्हय राजा. अशेंच वतले ......''

• •

२

प्रतिमाभंग

त्या दिसा सांजचें हांव वर्तमानपत्रांतलीं कात्रणां काडीत बशिल्लें. फाटल्या आयतारा 'मुक्ता नारी मंडळां'त म्हजें व्याख्यान जाल्लें. त्या उलोवपाचो वृत्तांत आनी वांगडा म्हजो फोटो वार्तापत्रांत आयिल्लो.

सदचे भाशेन आयताराचें व्याख्यान बरें जाल्लें. त्या उपरांत लोकांचें मेळप, अभिनंदन, तोखणाय. ती सुखदिणी याद आजुनय मनांत घोळत आशिल्ली. त्या विचारांत गुल्ल आसतनाच तें ल्हवूच म्हज्या मेजाकडेन केन्ना आयलें तें म्हाका कळ्ळेंच ना. ताणें ल्हव आवाजांत म्हाका जागयलें,

"मॅडम."

हांवें वयर पळयलें. एक गोरेंपान, ऊंच, शिडशिडीत, नाजूक बांद्याचें सोबीत चली हात जोडून म्हजे मुखार उबें आशिल्लें. ताचे सुंदर दोळे, ओडलायणो चेहरो म्हजे नदरेंत भरलो. ताणें घाल्लो गुलाबी चुडीदारूय ताका बेस बरो दावतालो. हांवें म्हजे मुखार आशिल्लें काम बेगीबेगीन आवरलें. म्हजो बोवाळ पळोवन तें हांसलें.

"हांव पयर व्याख्यानाक तुमकां मेळिल्लें. तुमची वळख करून घेतिल्ली. आनी तुमकां मेळपाक येवं? अशें विचारिल्लें."

"आगो, इतली वळख सांगपाची गरच ना. तुका रोखडेंच वळखलें हांव."

ताचे हात तशेच जोडिल्ले आशिल्ले.

"तुमचे तकलेंत हांव उरलें म्हळयार अजापूच. कारण तुमचे भोंवतणी कितली गर्दी आसता! सगळींच तुमचेकडेन उलोवपाक धडपडत आसतात. सगळयांकच तुमची वळख जाल्ली जाय."

हांव हांसलें. ताचे तोखणायेन नाय म्हळयार मात्शें सुखावलें.

"आगो, उबें कित्याक? बस न्ही? हें पळय, सगळींच जाणां म्हज्या लक्षांत उरनात. पूण तुजे सारकी सुंदर चुणचुणीत चली कोणाच्याय ध्यानांत उरपाचीच. तुजें नांव कितें?"

"असमा खान."

"बरें. म्हजेकडेन कसलें काम आशिल्लें? कसलो आदार बी जाय?" हांवें ताका विचारलें.

"तशें म्हजें कांयच काम ना आनी म्हाका आदारूय नाका. म्हाका फकत तुमची कितल्या दिसांपासून वळख करून घेवपाची आशिल्ली. हांव तुमचें एक वाचपी. हांव तुमकां खूब मानतां. तुमचें लेखन म्हाका आवडटाच. तुमचें बरोवप आनी सभेंत उलोवप ह्यो दोनूय गजाली प्रभावी जातात. खरें म्हळयार बरें बरोवपी मनशां बरीं उलयतातच अशें ना. पूण तुमकां सादलां तें. तेखातीर तुमचें व्यक्तीमत्व आकर्शक आसा. तुमचे खुब फुडारिल्ले विचार आयकतना आमचें भान उरना अशें म्हळयार अतिताय जावची ना. रूक्ष, कठीण आनी तितलेच किचकट विशय तुमी सामके सोपे आनी सुंदर पद्धतीन मांडटात हें तुमचें खाशेलें कसब."

ताच्या उतरांनी हांव खुबूच सुखावलें. हांवें ताका म्हळळें लेगीत --

"ए असमा, तूं खुबूच तोखणाय करपाक लागलां! म्हजे परस सर्वगुणसंपन्न अश्यो जायत्यो बायलो आसात आं."

तें हांसत मान हालयत म्हणपाक लागलें, "तुमी अशें म्हणप म्हळयार तुमचें मोटेपण. पयरूच जागृतीच्या अंकांत आयिल्लो तुमचो लेख म्हाका खूब आवडलो. तुमचे स्त्रीमुक्ती संबंदिचे विचार आनी ताचो खोलायेन केल्लो अभ्यास, भायल्या प्रगत देशांतल्यो देखी, आमच्या देशांतले चळवळीकडेन तिची तुळा..." एका दमांत तें उलयतालें.

"चळवळी बी मागीर केन्नाय पळोवंया. आतां म्हाका पुरो जालां. सकाळपासून बरोवप आनी मागीर भायलीं कामां. चला, मस्त बरो च्या घेवंया."

हांव च्या करपाक उठलें. म्हजे पयलींच तें उठून उबें जालें. "मॅडम, च्या तूं करतली?"

"म्हळयार? म्हाका हांवेंच केल्लो च्या आवडटा."

"हांव करूं? तुमकां नक्कीच म्हज्या हातचो च्या आवडटलो. म्हाका संवंय आसा च्या करपाचो. म्हज्या मामाचें च्याचें हॉटेल आसा. पयलीं थंय हांव थोडो वेळ काम करतालें."

"आनी आवय-बापूय?"

"हांव ल्हान आसतनाच गेलीं. मागीर मामान म्हाका हांगा हाडलें. हांगाच शाळेंत हांव शिकलें."

"आनी कॉलेज कशें केलें?"

"हांव हॉटेलांत थोडो वेळ काम करतालें. मामा म्हाका ताचे पयशे फारीक करी. त्याच पयशांनी हांवें कॉलेज शिक्षण पुराय केलें. आनी आतां एके कंपनींत काम करतां." ताणें सहजतायेन सांगलें. म्हाका ताचें खूब कवतूक दिसलें.

"वा, असल्यो चलयो म्हाका खूब आवडटात. स्वतंत्र विचारान वागपी, आपणाल्या पांयार उबें रावन आपलो फुडार घडोवपी. ना जाल्यार बाकिच्यो चलयो बावल्यो कश्यो रावपांत खोस मानतात."

"तो तांचो दोश न्ही मॅडम. आवय-बापायच्या पाख्याखाला त्यो चलयो वाडटात. स्वतंत्र विचारांचे संस्कार तांकां तांच्या घरांत मेळनात."

तोखणाय करिसारकेंच ताचें सांगप आसलें.

"असमा, हें मात खरें. आवय करता तेंच चलयेन करप. तिची कॉलेजांत वचपाची इत्सा व्हडली आसूं, ती आवय-आजयेचे फुडें वचना. असल्यो चलयो म्हाका आवडनात. तुजे सारक्यो स्वतंत्र विचारांच्यो आसपाक जाय."

"मॅडम, तुमचें उलोवप आयकून म्हज्या आंगार मूठभर मांस चडलें. अशें कोणूय आपले फाटल्यान उबें आसल्यार कितलो धीर मेळटा! कितली उमेद येता! मॅडम, फाटल्या 'चेतना' दिवाळी अंकांत सगळो होच विशय तुमचे कथेंत आयला. खरें सांगूं? ते कथेनूच म्हाका धीर दिलो. मनांत आत्मविश्वास आयलो. मॅडम, तुमचे उपकार निदान ह्या जल्मांत तरी विसरचें ना. तुमी तुमच्या बरोवपांतल्यान चलयांचीं मनां घडयतात. प्रचलीत रुढींक आनी रिती रिवाजांक धसको दिवन मुखार वचपाखातीर तांकां मार्ग दाखयतात. म्हजे सारके अनाथ दळिद्री चलयेक ताचो कितलो आदार म्हण सांगूं!"

म्हजो हात ताणें आपल्या हातांत घेतलो आनी ताचो उमो घेतलो. हांव भावनेच्या भारान थपथपून गेलें. हांवें ताचे फाटीवेल्यान हात भोंवडायलो.

"म्हज्या लिखाणांतल्यान कोणाक स्फूर्त मेळटा, कोणाक मार्गदर्शन मेळटा, जाल्यार तातूंत म्हाका चड खोस. हांव म्हाका धन्य समजन. आगो, आमकां च्या घेवपाक जाय. विसरलींच पळय."

तें सट करून भितर गेलें आनी गॅस पेटोवपाक लागलें. सामकें संवकळिचें जाल्ले भाशेन. हांवें म्हळें,

"खरेंच असमा, तूं सगळ्या गुणांनी भरलां. ज्याच्या घरा वतलें, थंय स्वर्ग निर्माण करतलें."

"पूण हांव अशें गरीब, अशें अनाथ...."

"समाजांत पुरोगामी विचारांची मनशां आसतात."

"मॅडम, म्हाका नुस्त्याच्यो जिनसांवार तरा करूंक येतात. तुमकां केन्नाय करून हाडूं? पूण म्हज्या हातचें तुमकां चलतलें? म्हजी आनी तुमची जात...."

"शी, शी. हांव जात मानीना. जातीपातिचे सामकें आड. नुस्तें खातात आमी. पूण तूं गो कित्याक इतले त्रास घेता?"

"मॅडम, फाटल्या वर्साच्या 'जागा'च्या खाशेल्या अंकांत ह्याच विशयावयली तुमची कथा वाचिल्ली. म्हाका खूब आवडिल्ली....."

"जाणां असमा, केन्ना न्हय, इतलीं म्हाका वाचप्यांचीं पत्रां आयलीं ती कथा वाचून. म्हजें स्पश्ट मत आसा – जात ही मनशान निर्माण केल्या. परमेश्वरान एकूच जात घडयल्या, ती मनीसजात."

"मॅडम, म्हाका तुमचो खूब अभिमान आनी विश्वास."

ताचो आवाज भरून आयलो. दोळ्यांत दुकांय दाटलीं. हांवें ताका म्हऱ्यांत ओडीत म्हळें, "तुका कसलीय अडचण आयल्या जाल्यार त्या वेळार म्हजेकडेन यो. हें घर तुजेंच अशें समज."

त्या दिसापुरतो ताणें म्हजो निरोप घेतलो. निरोप घेतना ताका सामकें भरून आयलें.

ते उपरांत पांच-स दिसांनी तें सकाळी फुडेंच उदेलें. हातांत मोगऱ्यांची बरी हळी आशिल्ली. म्हज्या मेजार दवरीत म्हणूंक लागलें,

"त्या दिसा हांव हांगचें गेलें खरें, पूण हांगा येवपाची ओड लागून गेली. केन्ना एकदां तुमकां मेळटा अशे जालें."

हांव हांसलें.

"मागीर रोखडेंच येवपाचें. तातूंत कितें?"

"पूण तुमी खूब कामांत आसतात न्ही? मॅडम, कालचो तुमचो वार्तापत्रांतलो लेख वाचलो. बायलांची उपेक्षा. समाजीक अन्याय, तांची अर्थीक कुचमण आनी तांचे संवसाराचे कश्ट म्हळ्यार थँकलेस जॉब! बालयमनशेन संवसाराखातीर मरचें, झरझर झरचें पूण तिचें कोणाकच कांयच पडून वचूंक ना. तुमी बरयल्लें सगळें सगळें खरें."

"असमां, पटपासारकेंच आसा सगळें. कारण सगळ्यांक अशेंच घडटा."

"खरें मॅडम, म्हजी मां आनी मावशेन दोगांयनी खूब सोसलें. त्यो दोगीय भावणीच्यो धुवो. तातूंतच सगळो जल्म गेलो. बरीं गायतालीं, बरीं नाचतालीं. पूण संवसारी बायलांची जीण जाय म्हण मां लग्न जाली. मांचें लव्ह मॅरेज. म्हजो बापूय मुसलमान. तो खूब भावार्थी आसलो. पूण दळिद्रान त्या दोगांयच्या आयुश्याची परवड जाली. मां शांतादुर्गेची खूब भक्त! पूण अब्बा वतकच तिची देवांवयली श्रद्धा लेगीत उणी जाली. जाती-धर्माच्या नांवान तिचेय खूब हाल जाले, अशें मामा सांगता. आनी तेच खातीर म्हाका तुमचें म्हणणें पटटा. जात-पात-धर्म सगळें मनशांनीच केलां. हें सगळें मोडपाक जाय मॅडम."

असमां आवयचे यादीन कळवळ्ळें. तेपरस अदीक जाती-कातिच्या प्रस्नाचेर न्हिन्नळळें.

"रुढिंचीं बंधनां आनी नश्ट्यो प्रथा सोंपपणी मोडप शक्य ना. तेखातीर एक

अप्रूप तांक आनी धीर मनशाक आसपाक जाय. खेरपणी तें एक झूज आसता. आपल्या तत्त्वांखातीर तेंय लडचें पडटा. तशें हांव लडलां. म्हणूनच तेविशींय हांव अधिकारान बरोवंक शकतां, उलोवंक शकतां.''

उलयतां उलयतां म्हज्या आवजांत निबरपणां आयिल्लीं.

''मॅडम, तुमकां अशें कितें भोगचें पडिल्लें? खेरेंच दिसना. जांकां अशे त्रास जातात तांचे मदीं एक अहंकार आसता. आनी वागपांत एक कोडवेपण. पूण तुमच्यांत अशें कांयच ना. तुमची जितलीं खंबीर, तत्त्वनिश्ठ तितलींच गोड, मायेस्त.''

हांव मोठ्या अभिमानान ताका सांगपाक लागलें,

''म्हजें घर खूब गिरेस्त आनी नांवाजतें. मांव दोतोर आशिल्लो. बरी प्रॅक्टीस चलताली. आनी मांय समाज सेविका! हांव आनी म्हजो घरकार एकाच कॉलेजांत शिकतालीं. सगळ्या कार्यावळींनीं हांव फुडें आसतालें. कॉलेजच्या वर्सुकी अंकाच्या संपादक मंडळांत हांव आसतालें. तातूंत म्हजी एक कथा आयिल्ली. म्हज्या घोवाक ती इतली मानवली! तांणी म्हाका सरळ मागणी घाली. पूण आमच्या लग्नाक तांच्या घरांतल्यान खूब विरोध आशिल्लो. हांव हुशार खरें पूण सामान्य घरांतलें. एका शाळामास्तराची धूव. आमी देशस्थ आनी ते कोकणस्थ! मोटमोठ्या घरंदाज घराण्यांतल्यो चलयो तांकां सांगून येताल्यो. आनी तांणी तर निर्णय घेतिल्लो. खूब वाद जालो. म्हजेखातीर तांणी घर सोडलें. मागीर आमी हांगासरूच संवसार थाटलो. म्हजेसारके समाज कार्यकर्ते बायलमनशेची ही अवस्ता!''

''पूण मॅडम, घर सोडटकच तुमकां त्रास जालोना?''

''जालो. पूण हांव व्यक्तीस्वातंत्र्य मानपी. त्या लोकांक हांवें चड म्हत्व दिलेंना. तांणी आमचेकडेन दुस्मानपण केलें पूण हांव खंबीर आशिल्लें. हांवें सगळें निभावन व्हेलें. आमी दोगांयनी शून्यांतल्यान म्हणटा तसो संवसार उबो केलो. पयशाखातीर खूब त्रास काडचे पडले. तातूंत चल्याक शिशिराक भायल्या देशांत धाडून शिकोवन हाडलो. हे खातीरच ताका हांगा बरी नोकरी मेळपाक पावली. आतां आमकां बरे दीस आयल्यात. हेवूय रिटायर जावपाकडेन पावल्यात.'' नकळटना हांव फाटल्या यादींनी घुस्पल्लें. हांव उलयत आशिल्लें आनी तें सगळें मन लावन आयकतालें.

''मॅडम, हें सगळें तुमी एके कथेंत घालां न्ही? दीर्घकथा ती.''

''आपल्या आयुश्यांतल्यो घटना, बरयतना अश्योच केन्ना केन्ना आपशींच वयर सरतात.''

''तुमचे विचार आनी तुमचें वागप हो म्हजो खरो गायड म्हणूंक फाव.''

ते उपरांत तें म्हजेकडेन सदांच येवंक लागलें. जितलें मोगान तितलेंच विश्वासान. म्हजीं ल्हान-व्हड कामां ताणें आपूण जावन आपणाकडेन घेतलीं. नोकरेवयल्यान घरा आयलें म्हणटकच सांजचें तें म्हजेकडेन येतालें. मासिकां आनी वार्तापत्रां हांतलीं म्हज्या लेखांची आनी कथांची कात्रणां काडप आनी फायलींत लावन दवरप हीं आतां ताचींच कामां जावन पडिल्लीं. हांव तर आतां ताचेरूच पातयेवन

रावतालें. केन्नाय कितेंय बाजारांतलें हाडपाक जाय जाल्यार तेंच वतालें. कांय फावटी जाल्यार म्हाका सांगनासतनाच आपूण जावन घरांत कितें ना, जावं उणे आसा तें सामान घेवन तें येतालें.

"मॅडम...., काल जिरें-लसूण सोंपिल्ली तें पळयलें आनी आज घेवन आयलें. हें पळोवपाक तुमकां वेळ खंय आसा? गरज पडटा तेन्ना अडचण जावपाची."

"मॅडम, कोथमीर बरी फ्रेश दिसली म्हणून हाडली. नाजाल्यार तितलेच खातीर तुमकां वचचें पडटलें आसलें."

एक दीस हांवें ताका म्हळें,

"आगो, तुका ह्या वयांत इतलो समज, इतलें शाणेपण खंयसून आयलें? मनशाची अडचण वळखप आनी ताका शाणेपणान मदत करप! खरें म्हळ्यार तुजे पिरायेच्यो चलयो अवखळ, लहरी आसतात."

तें म्हाका पळयतूच उरलें.

"मॅडम, म्हाका तशें जावन कशें जातलें? ल्हानपणांतूच म्हाका व्हडलें जावचें पडलें. म्हजे सारके दळिद्री, अनाथ चलयेक तें भाग्य खंयचें?"

उलयतां उलयतां ताचो आवाज भरून आयलो. हांव ओगी रावलें.

आतां असमां नेमान आमच्या घरा येतालें. साहित्याच्या वा भाशणा व्याख्यानाच्या निमतान कोणूय म्हाका मेळूंक येताले. तांचेकडेन हांव असमांची मोट्या कवतुकान वळख करून दितालें.

आमच्या घरांत हांव, म्हजो घरकार आनी चलो शिशिर अशीं तिगांच जाणां आसतालीं. म्हजो घोव आपल्या कामांत, तसो चलो शिशिर आपलोसो आपूण आसतालो. केन्नाय तांची गांठभेट असमांकडेन जाताली. पूण हांसून एकामेकांक हडकुपा पुरतीच तांची वळख उरिल्ली. हांव आनी असमां मात सामकीं लागीं आयिल्लीं. असमां म्हजें लेखनीक म्हणून हालीं हौशेन काम करतालें. ताचें अक्षरूय सुंदर वळणाचें! रेडिओ वा टी.व्ही.चेर टॉक जावं चर्चा आसत जाल्यार ते संबंदान ताकाच चड खबर आसताली. "मॅडम, तुमचो टॉक बेगीन बरोवन जावपाक जाय. रिकॉर्डींग आसा न्ही? तुमच्या कॉन्ट्रेक्टाचें ॲक्स्टेन्शन हांवच व्हरून दितां रेडिओचेर. पोस्टांतल्यान कळाव लागतलो."

"आगो, पूण तुका त्रास कित्याक?"

"तातूंत त्रास कसले? उरफाटें म्हाका तुमचेखातीर कितेंय करपाक मेळटा हातूंत केदी खोस!"

हालींसराक ताका म्हजेबगर आनी म्हाका ताचेबगर कशींच चैन पडनाशिल्ली. खरें म्हळ्यार ताच्या आदाराची म्हाका संवय जाल्ली. तें एक दोन दीस पावलेंना जाल्यार म्हजीं बारीकसारीक कामां तशींच पडून उरतालीं. "आगो, काल दोन पत्रां रजिस्टर करपाचीं आसलीं. ते भायर हे एके कथेची कॉपी काडपाची आसली. मागीर हांवेंच काडली. हात दुखले पळय. तूं आयलें ना."

तें मागीर येदेशें तोंड करून म्हणटालें, "मॅडम, सॉरी. तुमचें काम अर्जंट

आशिल्लें जाल्यार हांव काल ऑफिसांत ओव्हरटायम करचेंच नासलें."

"ओव्हरटायम?"

"आतां दिवाळी लागीं आयली न्ही? कंपनीत खूब काम आसता. दुसऱ्या दिसाचें काम थोडें आदल्याच दिसा करचें पडटा. तरी आसतना फाल्यां येतां हांव. तुमी त्रास घेवं नाकात."

"असमां, थंय तुजी जोड आसल्यार तूं येवं नाका."

"ना मॅडम. तुमचें थोडें काम हांवें करप, तातूंत तुमकां समाधान मेळप, हातूंतच म्हजो चड फायदो."

असमांची म्हजेर उपाट भक्ती आनी विश्वास. तितलेंच मोगाळ आनी म्होंवाळ उलोवणें. प्रसन्न व्यक्तिमत्त्व!

त्या दिसा हांव खुबूच भारावन गेलें.

"जाचेकडेन तूं लग्न जातलें तो आनी ताचें घर भाग्यवान आसतलीं. इतली सर्वगुणसंपन्न चली....."

असमां लजलें. पयलेच खेपे इतलें लजिल्लें ताका पळयलें. म्हणपाक लागलें, "पूण म्हजे सारके चलयेच्या लग्नांत कितलीं आडमेळीं. म्हज्या आयुश्यांत जाती-धर्माचो घुस्पागोंदळ. न्हवरेकार सगळे पारखून घेतात. पयसो-आडको, समाजीक पांवडो, जातपात, हाचेरूच लग्न थारता. मॅडम, तुमकां हें पट्टा?"

ताच्या प्रस्नान म्हाका अजापशें जालें. म्हजे विचार, वागणूक सगळें खबर आसून ताणें परतो परतो हो प्रस्न म्हाका कित्याक विचारचो तें म्हाका समजलें ना. तरी आसतना हांवें म्हळें,

"ना, हांव मनशाक मोल दितां. ताच्या गुणांक म्हत्व दितां. ताच्या जातधर्माक वा ताचे आस्पती परिस्थितीक न्हय."

आतांसर आमची दोगांयची बरीच इश्टागत जुळिल्ली.

.... आनी असोच एक दीस लग्नाचो विशय काडटां-काडटां म्हाका पळोवन असमां म्हणपाक लागलें,

"मॅडम, तुमकां एक विचारूं? तुमची मान्यताय जाय म्हाका. इतले दीस, तुमच्या सभावाचो थाव घेतलो."

उलयतां उलयतां तें थारलें.

"आगो, फाटींफुडें कित्याक जाता? विचार तुका कितें जाय तें."

"मॅडम, तुमी म्हाका तुमची सून करून घेशात?"

हो प्रस्न अपेक्षीत नाशिल्लो. रंगार आयिल्ल्या म्हज्या व्याख्यानांत अचकीत कोणें कितेंय मोखून मारचें तशें कितेंशें जालें म्हाका. ताच्या प्रस्नान हांव सामकें थरथरलें, गोंदळलेंच. तरी हांसत-हांसत ताका म्हळें, "म्हजीं फकाणां करता?"

"मॅडम, तुमचीं हांव फकाणां कशें करतलें? खऱ्यांनीच विचारतां."

हांव नर्व्हस जालें, अस्वस्थ जालें..... ह्या पोराच्या मनांत हें कितें आयलें? हो प्रस्न विचारपाचें हाका धाडस कशें जालें? मनांत आयलें, हाका सांगून

उडोवचें. तुका जाय तें माग, पूण हें मागूं नाका.''

पूण हांवें म्हजे म्हाकाच सांवरून धरलें.

''सून करून घेवपाक म्हज्या हातांत कितें आसा? हे बाबतींत हांवें चल्याक संपूर्ण मेकळीक दिल्या. ताणें आपली बायल थारावपाची आनी म्हाका सांगपाचें. हांव ताचे भानगडींत पडना. अर्थात जशें म्हजे बाबतींत तशेंच म्हज्या घोवाचे बाबतींतय. आमी दोगांयनी ताका स्वातंत्र्य दिलां.''

''मॅडम, तुमकां राग आयलो? तुमचो आवाज बदल्लो म्हण विचारतां.''

''ना गो. तुज्या मनांतलें तूं उलयलें. म्हाका राग येवंक ना. हे विशीं हांव शिशिराकडेन उलयतां. आजूच. तुका फाल्यां सांगतां.''

पूण तें जाग्यावयलें हाल्लें ना.

''मॅडम, तुमचो पूत म्हाका तुमचे मान्यतायेनूच जाय.''

आतां मात म्हाका राग आयलो.

''आगो, हो प्रस्न येताच खंय? हांव पयलीं म्हज्या चल्याक विचारतां. म्हज्या हातांत कांयच ना.''

''जाणां मॅडम? शिशिरान म्हाका लग्नाविशीं विचारलां. आज न्ही, एका वर्सा पयलीं.''

म्हाका हो एक जबर धसको आशिल्लो. शिशिर अशें कितें करीत अशी म्हजी अपेक्षा नासली. म्हजो आवाज मोव पडलो.

''म्हाका हें खबर ना.''

''खबर कशें आसतलें? हांवें ताच्या प्रस्नाची जाप आजून दिवंक ना. तुमचे संमतीक राविल्लें. ह्या घरांत शिशिराच्या बाबा परस तुमच्याच मताक चड मोल हें म्हाका खबर आसा.'' आनी तें मुखार सांगपाक लागलें,

''शिशिर अदीं मदीं म्हाका मेळटा. हांगासर तो तशी बळयां वळख दाखयना. पूण हांव काम करतां थंय केन्ना केन्ना येता. लग्नाचो विशय काडटा. हांवें तुमची विशीं विचारतकूच तो म्हणटा, म्हजी आवय म्हळ्यार कोण अन्नाडी बायलमनीस न्ही. ती व्यक्तिस्वातंत्र्य मानता. ती हे बाबतींत आपणालें मत्त म्हजेर केन्नाच लादची ना. मॅडम, तुमचो हयकार आसाच न्ही? हांव कशें तें तुमी जाणाच.''

हांव वोगीच बशिल्लें पळोवन परतें तेंच सांगपाक लागलें.

''तेच खातीर हांवें तुमची वळख करून घेतली. तुमचे इतले लागीं आयलें.... आयजवेर लग्नाचे बाबतींत चलेच आपल्या आवय बापायक विचारतात. पूण तुमच्या सहवासान आनी भाशणांनी म्हाका हें बळ प्राप्त जालें.''

''हांव शिशिराकडेन उलयतां आनी मागीर तुका सांगतां. फाल्यां यो.''

हांवें मुद्दम म्हजें लक्ष कामांत घाल्लेवरी केलें. बेश्टीच पुस्तकां वयर सकल दाळपाचें निमित्त केलें. म्हजे नदरे अस्वडीं तें गेलें. पावलांच्या आवाजा वयल्यान म्हाका तें कळ्ळें.

असमान म्हाका मुळासावन हालोवन उडयिल्लें. घटकेंत म्हाका असमांच्या

धाडसाचें येवजून येतालें. तें विद्यार्थी जावन म्हजेकडसून शिकून घेता असो आव जरी भायल्यान हाडिल्लो तरूय ताणे म्हाकाच आपले परिक्षेक बसयिल्लें. आनी हांव पास जातां काय नापास ताची वाट पळेत राविल्लें.

दुसरे वटेन म्हाका शिशिराचें येवजून येतालें. अमेरिकेक वचून शिकून आयला पूण गरजेभायर मान वयर काडून उलोवपी न्हय असो हो भुरगो अकस्मात एके चलयेक एका वर्सा आदीं लग्नाविशीं विचारता. आनी ते चलयेचो कसलोच बॅकग्रावंड समजून घेयनासतना! घडये, होवूय म्हजी परिक्षाच घेता आसतलो.

शिशिराविशीं म्हज्यो कांय अपेक्षा आसल्यो. ताका नोकरेंत आनीक बरो फुडार आशिल्लो. चलयो तर ताका घे म्हणून येताल्यो. अदीं मदीं कोण ना कोण उतर घाली. ताचो बापूय आसतना सोयरिको मात नीट म्हजेच सरीं येताल्यो. कारण आमच्या घरांत हे बाबतींत म्हज्याच मत्ताक मोल हें सगळ्यांक खबर आसलें. म्हज्या समाजीक आनी साहित्यीक मळावयल्या व्यक्तिमत्वाक लागून हें अशें घडूंक पाविल्लें.

पूण सोयरिकांचे बाबतींत हांव टाळाटाळी करतालें. शिशिराक लग्नाची पूर्ण मेकळीक आसा अशें सांगतालें. पूण खऱ्यांनिशीं म्हज्यो सगळ्यो अपेक्षा पूर्ण करपी थळ अजून येवंक नासलें. तशें येतलें तेन्नाच शिशिराक विचारपाचें अशें हांवें थारायिल्लें. पूण....

प्रस्न शिशिरा परस म्हजो आसलो. म्हजें उलोवप, बरोवप आनी प्रत्यक्ष करणी हांची खरी कसोटी लागपाची आसली. पूण हांवें मन घट केलें. येता त्या प्रसंगाक तोंड दिवपाची म्हजी पयलीं सावन वृत्ती आसली.

त्याच सांजवेळा हांवें शिशिराक असमांविशीं विचारलें आनी ताणें, असमान म्हाका सांगिल्ली तीच गजाल तश्शी सांगली. थोडोसो तो लजलो. पूण गुन्यांवपणाची कसलीच भावना मात ताच्या तोंडार उदेली ना. हांवेंय तितल्यारूच तो विशय सोंपयलो.

रातीकडेन हांवें घोवाक शिशिराच्या लग्नासंबंदान विचारलें: चलयेचें नांव काडलेंना. अर्थात ताणें सगळें शिशिराचेर आनी म्हजेरूच सोंपयिल्लें. ताणें इतलेंच म्हळें, ‘‘चली बरी आसली म्हणटकच जालें. असमां सारकी वो असमांच.’’ तो मुमुरको हांसलो. विशय थंयच सोंपलो.

सगळी रात तळमळून गेली. थोडी सपन अवस्था, थोडी जागृत अवस्था! एक देखाव दोळ्यांमुखार येवपाक लागलो.

एका व्हडल्या झुजामळार असमां, शिशिर आनी म्हजो घरकार उबीं आसात. तांचे फाटल्यान सगळो समाज उबो आसा. ते एकेवटेन आनी त्या सगळ्यांचे आड हांव एकलेंच दुसरेवटेन. आनी अजाप म्हळ्यार म्हज्या हातांतलीं सगळीं शस्त्रां तांच्या हातांत पावल्यांत.

केन्ना तरी दोळो लागलो. मागीर फांतोडेर जाग आयली तेन्ना मन ल्हव ल्हव जाल्लें. म्हजे पुरतो हांवें निर्णय घेतिल्लो.

दिसाभराचीं कामां हांवें मोटे उमेदीन केलीं. सांजवेळ उदेली आनी सदचे सारकें असमां आयलें.

काल म्हजे नदरे अस्वडीं तें गेल्लें. तें गेल्लें म्हणपाचें ताच्या पावलांच्या आवाजावयल्यान म्हाका कळिल्लें. आतांय ताका पळोवचे आदीं ताच्या पावलांची म्हाका सुलूस लागली. म्हजी मान सकल आसली. मान वयर काडिनासतना हांवें म्हळें,

"म्हजे सुनेचें हांव स्वागत करतां."

म्हज्या गळयांत पडपाबगर तें दुसरें कांयच करचेंना हाची म्हाका खात्री आसली. पूण अशें कांय जालें ना. हांवें नदर वयर करून पळयलें. असमांच्या मुखामळार कसलोच बदल नाशिल्लो. ताणें म्हळें, "मॅडम, तुमी एक सून जोडली, पूण एक इश्ट मात वगडायलो."

हांव ताका पळयतच उरलें.

"काल तुमची आवतिकाय हांवें पारखिली. हांवें जे विदूषीचें व्यक्तित्व पळयिल्लें आनी जाचो हांवें मोग केल्लो त्या व्यक्तिमत्वाक काल वेर गेल्ली. तें भंगिल्लें. तें तुमी आयज परत सादयलां." म्हाका पळयत असमान म्हळें.

असमाचे नदरेक नदर दिवपाचो म्हाका धीर जालो ना. दिसलें, पिरायेच्या नात्याचे सगळे बंद विसरचे आनी असमांच्या गळयांत गळो घालून मनासारकें रडून घेवचें.

● ●

३

रोमा

तशी ती ह्या समाजांत एकलीच ना. समाजांत तसल्यो जायत्यो बायलो वावुरतात. पूण प्रत्यक्षांत त्यो मेळप कठीण. तशी ती म्हाका अकस्मात मेळ्ळी. सकाळीं तिचें मुख चारचौगांसारकेंच आशिल्लें. रात्रीवयलें तापिल्लें दूद साडयेच्या पालवान देंवोवपी बायलां मदलीच ती एक आशिल्ली.

तर तिची आनी म्हजी वळख म्हज्या जिवाभावाच्या इश्टान, महेशान, करून दिली. महेशाक नवीं नवीं अजापां सांगपाची खोड.

''आरे, काल एककडेन गेल्लों, म्हजे वांगडा आनीक दोगजाण आशिल्ले. कितें सांगू! भायर व्हरांड्यांत एक जाण्टी बायलमनीस तांदूळ वेंचताली. घरांत ल्हान-ल्हान भुरगीं खेळटालीं. घराक घर. आमकां बद्द भितरले कुडींत व्हेलें. पळयत जाल्यार भितर सगळ्यो कॉलेजच्यो चलयो. तांकां पळोवन म्हजे दोळे धवे जाले. ह्या चलयांनीं आपली अब्रू अशी घाण दवरप? बऱ्या घरच्यो चलयो खंय त्यो! पूण तांकां मजा मारपाक पैशे जाय खंय.''

आनी असोच एक दीस महेश आंगाक उजो पेटिल्ले भशेन धांवत आयलो.

''आरे, एका घोवान आपले बायलेचो सौदो केलो. कितें हो अधर्म! हांव पोट जमनीक तेंकोवन न्हिदन, आत्महत्या करीन. पूण असलें न्हय.''

हांवें महेशाक म्हळळें, ''विश्वास दवरप कठीण. खरेंच हो समाज असले

प्रवृत्तीन पोखरला? घोव आपले बायलेक धंद्याक लायता? एक हाय सोसायटींतली बायल स्वत:च्या भरल्या कुटुंबात वेश्याव्यवसाय चलयता? कथा, कादंबऱ्यांनी अशें चलता. प्रतिभावंत लेखक आपणाले प्रतिभेन मुयेचो दोंगर करतात पूण प्रत्यक्षांत? ना. दोळ्यांनी पळयले बगर विश्वास दवरप शक्य ना.''

तो हांसलो, आनी म्हणपाक लागलो,

''अणभवपाक जाय मरे? पूण तिचेकडेन वचपाक तुका म्हजीच गरज जाय. कारण तिचीं गिरायकां सामकीं लिमिटेड. हाय सोसायटीच्या, प्रतिष्ठित मनशांकडेनूच ती इश्टागत जोडटा. ती आतां हाय सोसायटींत पावूं पूण पयलीं म्हजेच बरोबर कारखान्यांत काम करपी. आसा तयारी?''

''हय. एका निमतान तिचें वैभव तरी पळोवंया. न्हय तिची कथा तरी आयकूंया.''

हांवें सहजतायेन महेशाक सांगलें, ''म्हजेपरस चार गजाली तुका चड कळटा. प्रोफेसर म्हणटकच म्हज्यापरस तुवें चार पुस्तकां चड वाचल्यांच आसतलीं. तातूंत तूं मानसशास्त्राचो प्रोफेसर. पूण हें जग फाटलीं पंदरा वर्सां हांव सामके लागींच्यान पळयतां. बोल्सांत चार पैशे खुळखुळपाक लागतकच हांवें स्वत: हें जग मोलावपाचो यत्न केला. अजापान हांव चक्रावलां. भायल्या संवसारांत अशी प्रतिष्ठीत म्हणून जगपी बेगडी बायलांम्हऱ्यांत वतना एक आगळेंच सुख भोगता! चल, ह्या खिणांत तुका त्या संवसारांत व्हरतां, तिचेच कडेन.''

ह्या खिणांत म्हणटकच हांव मातसो कांचवेलों. म्हज्या मनाची तयारी जायना जाली. ह्या असल्या अजनबी जगाच्यो रूचकर गजाली चघळप वेगळें आनी खरेपणीं ताचो अणभव घेवप वेगळें. पूण महेश कशीच फाट सोडपाक तयार नासलो.

''आरे, तूं असो फाटींफुडें कित्याक जाता? थंय घोव आपले बायलेक पयशांखातीर दुसऱ्याच्या आंगार धुकलता.''

''आज नाका, फाल्यां या.''

अशें करतां करतां शेवटाक म्हाका ताचे स्कुटरीचेर बसचेंच पडलें. महेशान स्कुटर एका आलिशान बंगल्यामुखार थांबयली. बंगल्याचे कुशीक दोन गाडयो पार्क केल्ल्यो. हांव कांचवेलों.

''हांगा?''

''हय. हांगाच. ह्याच बंगल्यांत.''

ताणें भर दिवन सांगलें. बंगलो सोबीत आसलो. नांव ताचेपरस सोबीत. उर्वशी! सोबीत गार्डन आसलें. पांचवेचार झाडांनी बंगलो अचळय उबारून धरला काय दिसतालो. उदक हरयाळेचार शिंवरतालें.

''वा!'' म्हज्या तोंडांतल्यान उतरां भायर सरलीं.

''मात्सो थार धर.'' महेशान म्हजेकडेन पळयत मुमुरख्यांनी हांसत म्हळें. बागेंतल्या झोपाळ्याचेर दोन माणकुलीं भुरगीं बशिल्लीं.

''तीं तिचींच.'' हांवें विचारचे आदींच महेशान माहिती दिली. म्हाका दिसलें,

ह्या भुरग्यांखातीर तरी तिणें अशें करूंक फावनासलें. भांगरा सारकीं पोरां! गुटगुटीत बरीं आसलीं. म्हजीं पावलां गणयतालीं. महेशान म्हज्या हाताक धरलें. ताच्या फाटोफाट हांव माळयेचीं सपणां चडपाक लागलों. दाराचेर एक नकसूद पाटी आशिल्ली. 'सुधीर केशव गोखले.' महेशान दारावयली बेल वाजयली. पूण हड्डें धडधडलें म्हजें. काळजांत कंप तसोच आशिल्लो.

दार उगडलें. महेशान म्हजो हात दामलो. ती तीच आसली. ती म्हळ्यार रोमा. सौ. रोमा सुधीर गोखले. पिराय वर्सां तेत्तीस-चवतीसच्या भायर-भितर. रंग सांवळोच. पूण मुखामळ सामकें तरतरीत. पातळ झिरझिरीत गावनांत ती आशिल्ली. गोड हांसली. हांसताना गालाक पडिल्ले खळयेंत हांव आडखळ्ळों. तिणें हांसत्या मुखान आमकां येवकार दिलो.

"आरे महेश यो, यो. आयज हेवटेन खंय?"

हांव महेशा फाटल्यान भितर सरलों. महेशान म्हजी वळख करून दिली.

"हो म्हजो इश्ट प्रोफेसर दळवी."

आनी महेश म्हजेवटेन वळून म्हणपाक लागलो,

"ही मिसेस रोमा. आमचे फॅक्टरींत काम करता."

सांकेतिक गजाली सुरू जाल्यो. हांव मात बंगलो नियाळीत बसलों. बंगल्याक बऱ्योच कुडी आसल्यो. सगळ्यो सुख-सोयी हात जोडून म्हणटात तश्यो उब्यो आशिल्ल्यो. हॉलाचे कुशीकूच एक व्हडलो देवारो. आख्खो देवारोच काजुल्यावरी चकचकतालो. थंय एक जाण्टेली बसून देवाचो जप करताली. थंयच एके आराम खुर्चेर बसून जाण्टेलो टी.व्ही. पळयतालो. घरांत सगळी सुबत्ता दिसताली. घरांत कितें उणें आसा ताची जाप मेळपाक कठीण आसली.

"हीं म्हजीं मांय आनी मांव."

तिणें आमच्या मुखार ह्या जोडप्याची वळख करून दिली. ताणींय शिश्टाचार म्हण नमस्कार केलो. मागीर महेशान आपणाले सांकेतिक भाशेंत तिका सांगलें,

"आमचे फॅक्टरींतले पुष्पा बर्वेन तुका मेळपाक सांगलां. तें फोन करपाचो यत्न करतालें. पूण लागलोच ना. हांवें म्हळें हांव वतलोंच हेवटेन. हांव रोमाक रकाद दितां."

महेशान उलयतना बेअरिंग बेस बरें सांबाळ्ळें. मदींच आमचो च्या आयलो आनी तेच वेळार दारावयली बेल वाजली. हांव वगीच भिल्ल्याभाशेन जालों. तिणेंच दार उक्तें केलें. एक गोरोच, उंच मनीस भितर सरलो. रोमाचो चेहरो बदल्लो. म्हज्या हातांतलो च्याचो कप हयन्हयसो कडकडलो. हांवें अपेक्षा केल्ली, तींच उतरां आमच्या कानार पडलीं.

"हे म्हजे मिस्टर."

कांयसो गोड हांसून ताणें आपले हात मुखार केले आनी म्हळें,

"आगो, ह्या वेळार तांकां च्या कितें पिवयता? कितेंय तांचे आवडीचें दी."

अशें म्हणून तो शोकेसीकडेन वळ्ळो. तशें महेशान ताकतिकेन म्हळें,

"ना, ना. आतां नाका. दुसरे फावट केन्नातरी."

ताणें शोकेसीक घाल्लो हात फाटीं घेतलो आनी भुजां वावडून म्हळ्ळें,

"तुमची मर्जी."

उपरांत पंदराएक मिनटांनी आमी भायर सरले. वतना रोमान भर दिवन सांगलें,

"पुष्पाक सांग, हांव फाल्यां धा वरांचेर फोन करतां म्हणून."

स्कुटरीचेर बसतना महेश म्हाका म्हणपाक लागलो,

"फाल्यां ती म्हज्या ऑफिसांत धा वरांचेर येतली. तिका मागीर तूं जाय थंय घेवन वच."

"घेवन वचूं? आनी हांव? खंय?"

उलयतां उलयतां म्हजी दांतकडेर दांतकडी आदळ्ळी. स्कुटरीचेर वारेंय लागतालें.

"आरे, भिता कित्याक? आयज न्हय फाल्यां. तिच्या घोवान हांसत-मुखान आमकां बाय-बाय केलें तें पळोवना तुवें? तुकां तिची कथा आयकुपाची आसा मरे? फाल्यां खंयच्याय एका हॉटेलांत वच. तिका तिचे मागणे प्रमाण पैशे दी. नाका थंय कांचुटपणां करूं नाका."

रातभर म्हाका न्हीद पडली ना. ते बायले परस म्हाका चिंतून येतालें तिच्या घोवाचें. तिची मूर्ती दोळयांमुखार घुंवताली. कशें सोंसता काय हें सगळें? रातची ताका त्या आलीशान बंगल्यांत खऱ्यांनीच सूस्त न्हीद पडटा? काय असोच तळमळटा?

दुसऱ्या दिसा सकाळीं बरोबर धा वरांचेर महेशाच्या ऑफिसांत ती आयली. हांव पयलींच महेशाबरोबर गेल्लों. तिच्यांत भलतोच बदल जाल्लो. गळयांत मंगळसूत्र नाशिल्लें. आंगार सोबित गुलाबी रंगाची पातळ साडी. टॉप टू बॉटम सगळें मॅचिंग. तोंडभर मेक-अपाचो थर. केंसाची स्टायल आगळीच. काल सैल गावनान तिचो बांदो तितलोसो कळना आसलो. पूण आयज ती उठून दिसताली. मन भुलयताली. दोन भुरग्यांची आवय कशी दिसना आसली. तिच्या खंयच्याय अवयवाचेर नदर खिळून उरताली. आनी सगल्यांत लक्ष वेधून घेतालें तिचें हडडें. पूण तिचो भेस आनी तिची वागणूक सभ्यतायेच्यो कसल्योच शिममेरो हुपी नासल्यों.

महेशाचो निरोप घेवन आमी दोगांय भायर सरलीं. शेजराकूच आशिल्ल्या एका रॅस्टोरंटांत हांव तिका घेवन गेलों. तिच्या तोंडावयलें अजाप म्हाका समजलें. एखाद्या हॉटेलांत वा गेस्ट हावसांत व्हरचे सुवातेर हांव तिका उक्त्या रेस्टोरंटांत घेवन आयिल्लों.

"हांगा खंय?" तिणें विचारलें.

"सांगतां." बसतां बसतां हांवें म्हळें.

"म्हाका तुजेकडेन फक्त उलोवपाचें आसा."

तिची अस्वस्थताय आनीक वाडली.

"कितें उलोवपाचें? आनी कित्याबद्दल? आनी तेच खातीर म्हाका आपयल्या? आनी म्हाका कितें गरज तुका कितें सांगपाची? म्हजो वेळ फुकट वतलो."

तिणें म्हाका तुसडायत म्हळ्ळें. वैताग तिच्या तोंडार स्पश्ट दिसतालो.

"पैशांची काळजी करूं नाका. ते तुकां सदां मेळटा तितले मेळटले. म्हजेर विश्वास दवर. जमता जाल्यार म्हाका तुजो इश्ट मान. म्हाका तुजी काणी आयकुपाक जाय. हांव एक मानसशास्त्राचो प्रोफेसर."

"बरोवपाचें आसा? पूण म्हाका ह्यो गजाली जाहीर करपाच्यो नात."

ती खुबूच शादूर जाल्ली. म्हाकाय तशीच अपेक्षा आसली. पूण हांवें तिका विश्वास दाखोवपाचो यत्न केलो.

"सध्यातरी तशें कांयच बरोवपाचें ना, आनी बरयलेंच जाल्यार नांव नक्कीच घालचों ना. विश्वास दवर. सगळया दादल्यांक एकाच मापान मेजूं नाका. म्हाका तुजें अजाप दिसता. फकत अजाप न्हय काकूळट लेगीत. हाय सोसायटींत प्रतिष्ठीत म्हणून सुखासनाचेर लोळपी बायलमनीस तूं. तूं कांय जनेलांत बसून गिरायकां गरोवपी वेश्या न्हय. एक अपराधपणाची भावना तुज्यांत आसूंक जाय अशें म्हाका तरी दिसता. घडये म्हजेंच तें भाबडेपण आसूंये. तुका हांव फोर्स करीना. तुका सांगपाचें ना जाल्यार नाका सांगूंक पूण तुजीं दोन रूपां हांवें पळयलीं. तो म्हजेखातीर तरी एक विलक्षण असो अणभव."

म्हाका सांगूंक जाय तें भराभर तिका सांगून वडयिल्लें. रातभर येवजिल्लें ताचेपरस अदीकूच कितें तरी तिका सांगलें.

ती आपणाचेर कसलो परिणाम करून घेवचीना आनी म्हजे मुखावयल्यान उठून वतली अशें म्हाका दिशिल्लें. पूण तशें जालें ना.

"खूब दिसांनी एक आगळो वेगळो मनीस मेळ्ळो." कांय खीण ती वगीच रावली. म्हाका तें मोनेपण आवडलें. मागीर ती पांय सोडून बसली. सैल जाली. शरीरान आनी मनानूय.

"हें सगळें ऐश्वर्य आतांचें म्हळ्यार हालींच्या धा बारा वर्सांचें. पूण पयलीं पोटाखातीर म्हाका हें करचें पडलें. आतां म्हजेकडेन पळयत जाल्यार तुका खरें दिसचें ना. पंदरा वर्सां पयलीं हांव एक सादी बायलमनीस आसलीं. सगळें व्यवस्थित चलतालें. आनी अकस्मात आमचे दीस घुंवले." जाता तितल्या तटस्थपणान तिणें आपली काणी सांगपाक आरंभ केलो.

अकस्मात तिचे मांयक ॲक्सीडेंट जालो. तातूंत तिचो एक हात, एक पांय लुळो जालो. तिचो घोव एके सादे कंपनींत नोकरेक आशिल्लो. कंपनी लुकसाणांत चलताली आनी रोखडीच ती बंद पडली. खावपी तोंडां चार आसलीं. पूण घरांत जोडपी असो कोणूच नासलो. कोणाचे तरी वळखीन तिका एका कारखान्यांत नोकरी मेळ्ळी. पांचशें रुपया पगार मेळटालो. ओव्हरटायम केल्यार सातशें रुपया जातालो. पूण थंय मालकाचे नदरेंतल्यान ती सुटलीना. बायलांक दादल्यांचे नदरेचो अर्थ रोखडोच कळटा. तिचे कुडीचेर ताची नदर खिळ्ळी. आनी देवान तिका उपाट कूड दिल्ली.

एक दोनदां मालकान गाडयेन लिफ्ट दितना लगटपणा करपाचो यत्न केलो.

पूण तिणें ताका प्रतिसाद दिलो ना. एक दीस तिका पांच हजार रुपयांची सामकी गरज आशिल्ली. मांयचें ऑपरेशन करपाखातीर. घोव सकाळीं उठून भायर सरतालो. सर्विसीचे आशेन हांगा थंय भोंवतालो आनी निराश जावन रातचो घरा परततालो. तो तिका अर्दी-मर्दी सांगतालो. ती आडनदर करता तरी सांगतालो,

"देवान आमकां कांयच दिवना खरें, पूण तुका सुंदर रूप दिलां. म्हाका नोकरी लागसर तूं आमकां कशेंय करून सांबाळ."

कितेंय करून मांयच्या ऑपरेशनाची वेवस्था करपाक जाय आसली. नाजाल्यार जल्मभर ती अशीच हांतुणाचेर लोळटली आसली.

आनी त्या दिसा मालकान तिका लिफ्ट दिली. न्हय, तिणेंच आपूण जावन घेतली. ताणें तिका लागीं ओडली. तिच्या ओंठार ओंठ तेंकयले. ती ओगीच रावली. ती अख्खी सांजवेळ तिणें ताच्याबरोबर सारली आनी येतना पांच हजार रुपयांचो चेक घेवन आयली. तो दीस तिजो कूड विकपाचो पयलो दीस. ते रातची तिणें घडिल्ली सगळी गजाल घोवाक सांगली. त्या दणकट दादल्यान फकत दांत-ओंठ चाबले.

ज्या दिसा ती मालकाचे वासनेक बळी पडली, ते रातची ती खूब रडली. घोवाक नाका नाका तें उलयली. आपणाल्या उलोवपान ताचें घोवपण जागें जातलें, निदान आपणांक तो मारतलो तरी, अशें तिका दिशिल्लें. पूण तो फातर जावन वगी पडिल्लो. निर्विकार मुखान सिगार ओडटालो. त्या सिगाराभाशेन ताचें मनूय जळून गोबोर जाता अशें तिका दिसलें.

पयलीं पयलीं तिका दिसतालें, आपूण कितेंतरी जगावेगळें करतां. आपलें शीळ भ्रश्ट जालां. पूण मागीर तिचे तिकाच दिसपाक लागलें, शीळ भश्टलें ताचो पातसो कित्याक म्हण धरपाचो? ल्हानपणापासून ती आयकत आयिल्ली, बायलांचें शीळ हें कंवचेच्या पेल्यासारकें. तें जपपाक जाय. ताका एकदां वेर गेली ती गेली. जो मेरेन तो पेलो शोकेसींत आसता तो मेरेन सुरक्षित उरता. वापरलो म्हणटकच केन्ना ना केन्ना वेर वतलीच. अशे रितीन ती आपल्याच मनाची समजिकाय काडटाली. आपूण जें कितें करता तें आपले वासनेखातीर न्हय तर तें कुटुंबाखातीर आनी घोवाचे मान्यतायेन. मागीर तें पाप कशें आसूं येता? असो आपल्या आपणाकूच ती प्रश्न करी.

पूण मागीर तिच्या जिविताक एक वेगळेंच मोडण मेळ्ळें. तिचे फॅक्टरीचो मालक तिका आपले वासनेखातीर वापरतालो. पूण मागीर तो तिका आपणाल्या बिझनेसाखातीर वापरपाक लागलो. म्हळ्यार ताच्या बिझनेसाच्या आड जे लोक येताले तांचेखातीर तिचो वापर जावपाक लागलो.

एका विशिश्ट आनी प्रतिश्टित वर्तुळांत ती वावरूंक लागली. आनी एक दीस तिचे तिकाच दिसलें, आपणापासून मालकाक पैशे मेळटात जाल्यार ते पैशे आपणेंच कित्याक जोडचे न्हय? त्या खिणाक तिणें नोकरी सोडली. व्हडल्या व्हडल्या बिझनेसमनांकडेन वळखी आशिल्ल्यो. अशेच एके वळखीन तिणें घोवाक

नोकरी मेळोवन दिली आनी तांतुतल्यान घोवान स्वतंत्र बिझनेस सुरू केलो. इतलें आसून आदल्या मालकाचे आनी तिचे संबंद बरे आसले. गरज पडटा तेन्ना तो तिका आपोवन व्हरतालो. योग्य तो मोबदलो फारीक करतालो.

घोवाक सोडून भौतेक सगळ्यांकूच दिसतालें, ती ऑफिसांत काम करता आनी तिवूय तशें भासयताली. चड करून ती रातची भायर सरनासली. सांजमेरेन वेव्हार सोंपयताली. सामकीच गरज भासली जाल्यार घराकडेन इश्टीणीगेर रातीकडेन रावपाचें निमित्त करून वताली. पूण हातुंतलें कांयच ती घोवाक फटयनासली. ताका सगळें सांगताली. म्हयन्याक वीस ते पंचवीस हजार इतले जोडटाली.

हांव तिची गजाल आयकत बशिल्लों. इतल्यांत वेटरान च्या हाडून दवरली. तिचे पयलीं हांवेंच च्या ओंठाक लायली. म्हजे ओंठ सामके सुकून आयिल्ले. तिवूय उलोवपाची थांबली. थंडसाणेन च्या पियपाक लागली आनी तितलेच थंडसाणेन तिणें म्हळें,

"ज्या समाजाक म्हज्या संवसाराची केन्ना पर्वा नासली, त्या समाजाची पर्वा हांव कित्याक करूं? कोण कितें उलयता आसत पूण हांवें ताची दखल कित्याक घेवप?"

म्हज्या मनांतल्या बऱ्याच प्रश्नांच्यो जापो ती हांव विचारचे आदींच दिताली. पूण म्हज्या मुखावयल्या प्रश्नान मात ती अंतर्मूख जाली. हांवें म्हळें,

"पयलीं तूं पैशांची गरज आनी परिस्थिती म्हण मालकाचे भकीक पडली. पूण आतां परिस्थिती आदली उरूंक ना. तुजेकडेन कुसता म्हणूंये इतलो पैसो जाला. आनी तरी लेगीत तूं होच धंदो करता...."

"खरें सांगूं? मनशाची आस केन्नाच सोंपना. ह्या पैशान खेळयलें म्हाका. हे आर्वातकायेर हाडून सोडलें. चाळींतल्यान ब्लॉकांत हाडलें. ब्लॉकांतल्यान ह्या बारा रूमांच्या बंगल्यांत आयलीं. तीन गाडयो दारांत उब्यो आसात. नोकर चाकर, कितें उणें ना. तरी लेगीत हो धंदो सोडलो जाल्यार घोवाचो बिझनेस बंद पडूं येता. तो म्हज्याच गिरायकां खातीर तिगून आसा. तें सोंपपाक वेळ कितलो जाय? म्हजीं भुरगीं आसात. तांची फुडली तजवीज करपाक जाय. आमचेर आयल्या तशी वेळ तांचेर केन्ना येवंक फावना."

मागीर ती खिणभर वगी रावली. आनी परत उलोवपाक लागली.

"भुरगीं आतां नेणार आसात. तांकां कांयच खबर ना. पूण तांकां हातुंतलें कांयच कळपाक फावना. आनी हें यौवन तरी कितल्या दिसांचें? भुरगीं व्हड जाता म्हणसर तें आपशींच उलगतलें. आनी खंयतरी पूर्णविराम जायच. ह्या पूर्णविरामामेरेन पावसर...."

ती आतां उलोवपाची थांबतली अशें म्हाका दिसलें. म्हाका तर तिचेकडसून आनीक बऱ्याच प्रश्नांच्यो जापो जाय आसल्यो. म्हजें तोंड नियाळीत तिणेंच म्हळें,

"तुमकां आनीक कितें कितें विचारपाचें आसा अशें दिसता."

"हय रोमा."

"विचारात."

"अकस्मात एक दीस तुज्याच नात्यांतलो कोणूय तुजें गिरायक जावन आयलो जाल्यार?"

"तशें एकदां घडलें खरें. पयलीं म्हज्या लक्षांत आयलेंना. पूण तो बरोच पयसुल्ल्या नात्यांतलो आसलो. तेन्नासावन हांव सादूर जालीं. आतां सारकी वासपूस केलेबगर गिरायक स्वीकारनां."

"नात्यांतलो कोण आयिल्लो ताचो परिणाम कितें जालो?"

"तुमच्या प्रश्नाचो रोख समजलो. जावपाचें कितें? लज कितें म्हाकाच आसा? ताका ना? तो खंयच्च्या तोंडान ही गजाल कोणाक सांगतलो?"

"बरोबर."

"मुखार?" एखाद्या पत्रकारान सरायत मनशाक प्रश्न विचारचो तशें तिणें विचारलें.

"दिसभरांत जाल्ल्या गजालींचो तुका रातीकडेन घोवाम्हऱ्यांत येतकच मनस्ताप जायना?"

"रातचो दिवो वाडयलो म्हणटकच दिसाभराच्यो सगळयो यादी पालोवन वतात. घोवाचेय लेखीं ह्या गजालींक म्हत्त्व ना."

"पूण हें कशें शक्य आसा रोमा?"

"मन तशें घडलां, वो म्हणूं येता, घडयलां."

"पूण दीसभर दुसऱ्यांचे वेंगेंत वचप आनी परत रातचें घोवाचे वेंगेंत उबगण येना?"

"दीसभर शरीर गुंतिल्लें आसता. मन न्ही. मन तट्टटीत आससर शरीर थकपाचें ना."

"दिसा लागीं आयिल्ल्या, तुका आवडिल्ल्या एखाद्या सुंदर मनशाची तुलना तूं रातीकडेन वेंगेंत आशिल्ल्या तुज्या घोवाकडेन केन्ना तरी करता?"

"हावें मनांत फकत घोवाकूच स्वीकारला. बाकी कोणांक न्ही. दादल्यांत आनी आमच्यांत एक व्हडलो फरक आसा. एखादे बायलेन दादल्याक स्वीकारलोना तरी लेगीत त्या दादल्याक ते बायलेपासून शरीरसूख मेळूंक शकता. बायलांचें तशें नासता. ती दादल्यांत पुराय गुंतल्याबगर तिका खरें सुख मेळपाक कठीण. म्हज्या कारखान्याच्या मालकाची बायल खरीच सुंदर! एक दीस हावें ताका म्हळें सुद्धां, 'इतली सुंदर बायल आसतना तूं म्हजेकडेन शृंगार कित्याक करता?' तो म्हणपाक लागलो, 'सदृदां घरांक पक्वानां खातल्याक मदीं मदीं भायली भेळपूरी खावंक आवडटा. तशेंच हें.' "तुमी दादले खाणा-जेवणा वरीच बायलां बदलतात पूण बायलांक तें जमना. घोवाचो हात आंगार पडटकच आंगार रोमांच उबे रावतात. दुसऱ्यांचो हात पडटकच आंगार उबे रावतात ते कांटे."

"ह्यो गजाली हांव पुस्तकांतल्यान शिकूंना. अणभवान शिकलां. आनी एक गजाल सांगतां, हांव घरा आयलें म्हणटकच पयलीं न्हातां. न्हातकच अपवित्र

कूड पवित्र जाता असो म्हजो विश्वास आसा. फक्त विश्वासूच न्ही, तशी म्हजी श्रद्धा आसा.''

हांसत हांसत ती उठली. हांवें पैशांखातीर बोल्सांत हात घालो.

''नाका. हांव इतलें हरामी न्हय. तुमच्या निमतान मन लहव जालें. केन्नातरी कोणाक ही गजाल सांगपाक जाय अशें दिसतालें. बरें दिसलें. बायलेच्या शरीराकडेन आकर्शित जाल्ले जायते दादले पळयिल्ले. बायलमनशेच्या मनाचेंय आकर्शण आशिल्ले दादले ह्या समाजांत आसात तें पळोवन बरें दिसलें. शक्य जाल्यार म्हजी काणी बरयात. तुमी म्हजें नांव घालचेना, इतलो म्हाका भरवंसो आसा.''

आनी ती गेली. हांव तसोच परतलों. माथ्यार चिंतनाचें वजें. मनशाच्या मनाचो सोद घेवपाचो यत्न चालू..... मेंदू जडावलो.

केन्नातरी महेश आयलो. ताणें विचारलें, ''चड पुरो जालें?''

हांवें म्हळें, ''हय, खूब!''

• •

४

सुखवास

ऑफिसाचें दार धाडकन उगडून नमिता भायर आयलें. आनी पराग भितर एकलोच बशिल्लो पळोवन तिच्या पायांची तिडक मस्तकाक मारली.

"तिनाक घरा येता म्हणून सांगिल्लें. आतां साडेपांच जालीं."

"गुस्ताखी माफ."

"पुरो आं. नाटकां करूं नाकात. चारदां तरी फोन केलो. दर फावट तो सेक्रेटरी अनिल सांगता, "सायब भायर सरल्यात.'. खंय गेल्ले? सांगात तरी."

"खरें काय फट तें पळोवपाक तूं खासा हांगा आयलां काय कितें गो?"

"म्हज्या प्रस्नाची ही जाप न्हय."

"नमी, आयज खूब रागार?"

"मागीर! लग्नाच्या पयल्या वाडदिसाक सुद्धां बायलेखातीर थोडी फुरसत ना न्हय? बाकीच्या दादल्यांक पळयात. दिसभर आपणाल्या बायलां फाटल्यान आसतात!"

"नमिता, तुजो घोव आनी बाकीच्यांचे घोव सारके न्हय."

"जाणां हांव. म्हजो घोव एका अमेरिकन फर्माचो व्हडलो मॅनेजर!" नमितान ताची फूक आदींच काडली. तसो पराग नरम पडलो. नमिताक समजायत ताणें म्हळें,

"आयज नेमको मॅनेजिंग डायरेक्टर सकाळींच उदेलो. मिटिंग, डिस्कशनाखातीर. म्हजी वाट पळोवन तूं फोन करतलें हें म्हका खबर आशिल्लेंच. म्हणून हांवें अनिलाक सांगून दवरिल्लें, मॅडमचो फोन आयलो जाल्यार सांग, हांव ना म्हणून. मदींच मिटींगेतल्यान उठपाक नाका. रातचो ताजांत ताका डिनराक आपयला. एका नव्या प्रॉडक्शनाचें प्रपोजल घेवन आयला. तें चॅलेंज म्हणून स्विकारपाचें थारायलां हांवें."

"म्हणजे? तुमी आतांय भायर सरचेनात म्हजे बरोबर?"

"नमी, माय डार्लिंग, म्हाका खबर आसा, तुका हांव निराश करतां. बट प्लीज अंडरस्टेंड माय डिफिकल्टीज, आमी फाल्यां या खरेदी करपाक. आरे! पूण फाल्यां कशें जातलें? डायरेक्टर फाल्यांय बी हांगाच आसा. ते परस तूं अशें कित्याक करिना? हांव म्हज्या सेक्रेटरीक तुज्या बरोबर धाडटां. थारिल्ल्या प्रमाण तो हिऱ्यांचो सेट घेवन उडय आनी दुकानदारान साडयो धाडून दिल्यो? दिल्याच आसतल्यो. चक्क वीस हजारांचें बील धाडलां." जशी काय तिची मान्यताय आशिल्ले भाशेन ताणें बेल वाजयली. अनिल भितर आयलो.

"हें पळय मि. अनिल, मातशें हिचें शॉपींग आसा. मॅडमी बरोबर वचपाचें आनी शॉपींग जातकच तिका घरा सोडून येवपाचें. आनी आं, भायर म्हादू आसतलोच न्हय? ताका दोन कप च्या हाडपाक सांग."

अनिल परत वतकच ती फणफणपाक लागली.

"सांजे तुमचेखातीर सगळें तुमचे आवडीचें जेवण केलां आनी तुमी मात भायर हॉटेलांत जेवपाक वतले!"

"हांव रातचो येतकच म्हजी आवड पुरेपूर भागोवन घेतलों!" तो दोळे मिचकायत म्हणपाक लागलो.

"अशें फाजील उलयलें म्हणजे जालें. आमी पाडा पडिल्लीं बायलां, घोवाक कितें कितें आवडटा हें लक्षांत दवरून तेच तंद्रीत रावतात आनी हांगा घोवांक बायलांचो लेगीत विसर पडटा! बायलेच्यो आवडी-निवडी कोण लक्षांत घेता! कितें तर म्हळयार दोन कप च्या! हट्!"

"ओ गॉड! तुका कॉफी जाय न्हय. सामको विसरलों. राव, सांगतां आं!" परागान बॅलेकडेन हात व्हेलो. तशी ती मनापासून दुखावलेल्या स्वरांत म्हणपाक लागली, "आसूं".

इतल्यान दार उगडून हातांत ट्रे घेतिल्लो म्हादू आनी अनिल भितर आयले.

म्हादून तांचीं कपां तांच्या म्हऱ्यांत दवरलीं. एक च्या आसली आनी एक कॉफी.

"दोन च्या सांगिल्ल्यो न्हय?" आपणाक जाल्लें अजाप लिपोवप तिका जमलें ना.

"येस मॅडम... पूण म्हाका खबर आसा तुमी कॉफी घेतात म्हणून!" अनिल अदबीन म्हणपाक लागलो.

"पळय, सेक्रेटरी आसचो तर असो." परागान बेठोच भाव खालो.

पूण तिचें ताच्या उलोवण्याकडेन लक्षच नाशिल्लें. भायर गेल्ल्या अनिलाक ती पळयत उरली.

.... हाका आपली आवड निवड कशी खबर! मागीर तिच्या लक्षांत आयलें. फाटीं एक दोनदां हांगा आयिल्लीं तेन्ना आपणाखातीर कॉफीच मागयिल्ली. एकदां तर च्या कॅन्सल करून कॉफी हाडून घेतिल्ली.

.....पूण हाणें म्हजी आवड कशी काय लक्षांत दवरली? कारण कितें आसतलें? घोवाचो प्रायव्हेट सेक्रेटरी. प्रत्यक्ष घोवाक लग्नाक वर्स जालें तरी आपल्यो आवडी निवडी खबर ना. आतां हो कोण खंयचो आनी ह्या मनशान ह्यो गजाली इतले चत्रायेन मतींत धरपाच्यो! आपलेपणान! अनिलाबद्दल अचकीत एकाच वेळार कौतुक, अपुरबाय आनी आदर आनी लागसारपणाची भावना स्पर्शून गेली. घडये ते खातीर जांवये, गाडयेचें फाटलें दार उगडून सकयल मान घालून उबो आशिल्ल्या अनिलाक तिणें म्हळें,

"मि. अनिल, थॅंक्स आं. कॉफीबद्दल."

अनिल मुमुरकें हांसत दार बंद करून फुडें ड्रायव्हराच्या शेजरा बसपाक वचूंक लागलो तशें तिणें चट्कन म्हळें.

"नो, नो प्लीज. यू कम हिअर ॲण्ड सीट विथ् मी!" अनिलान तिची विनंती लेगीत हुकमाचे पद्दतीन स्विकारली. दार बंद करीत ताणें विचारलें,

"मॅडम, गाडी खंय घेवपाची?"

"त्या कोनशाच्या ज्युवेलर्साच्या दुकानांत."

दुकानांत तिका दोन सेट खास आवडले. एक सेट खूब नाजूक आशिल्लो म्हणून तिका आवडलो जाल्यार दुसऱ्या सेटांतल्या हिऱ्याचीं कानांतलीं लांबट आनी आकर्शक आशिल्लीं. खंयचो सेट घेवचो? तिचो निर्णय जायना जालो. आतां पराग बरोबर आशिल्लो जाल्यार....

तिका तशे गोंदळिल्ले आवर्तिकायेंत पळोवन अनिल फुडें आयलो आनी म्हणपाक लागलो,

"मॅडम, तुमकां कांय पीस आवडल्यात जाल्यार बंगल्यार घेवन वचूंया. हांव उलयतां मालकाकडेन. सायबाची पसंती पळोवनूच खंयचो जाय तो दवरूंया. फाल्यां तांचो मनीस येवन नाका जाल्ले पीस घेवन वतलो."

.... हाका कशें कळ्ळें, म्हजो निर्णय जायना म्हण! हो मनपारखी तर न्हय? फकत म्हज्यो आवडी निवडीच हाणें लक्षांत दवरूंक नात. म्हज्या तोंडाचेर उदेल्ल्यो भावरेखा वाचपाइतली हाची सूक्षीम नदर!

तिका ताची तोखणाय दिसली. ताचो स्मार्टनेस, हुशारी, ऑफिसांतली ताची एफिशन्सी तिणें घोवाच्या तोंडातल्यान आयकल्ली. तिका दिसलें, सायबान सांगलां, एक कर्तव्य म्हणून तो आपल्या बरोबर येवंक ना. तशें आशिल्लें जाल्यार आपल्या तोंडावेल्यो भावना वाचपाची ताका कसली गरज? प्रत्यक्ष पराग मुद्दां आयिल्लो

जाल्यार पायप तोंडांत धरून भायरूच वाट पळयत रावपाचो. चड वेळ जालो जाल्यार म्हाका म्हणपाचो, "तुका दोनूय सेट आवडले मुगो? दोनूय घे."

पूण हाणें म्हजे खरेदींत कितलो इंटरेस्ट घेवचो! खरेंच हो म्हण्टा तशे दोनूय पीस घरा व्हरपाचे. पूण सांजे पराग केन्ना घरांत येतलो कोण जाणां. येतकच तो पळयतलो तरी काय! सकाळीं परत ताची वचपाची ताकतीक. आनी खरेदी ना जाल्यार आयच्या दिसाचें म्हत्व तें कसलें! आनी जाचेखातीर करपाची ताका तरी हातूंत इंटरेस्ट आसा? पराग म्हण्टलो,

"म्हाका तातुंतलें कितें कळटा? तुका जाय तें घेवन उडय."

ती मात्शी निर्शेली. अनिलाक म्हणपाक लागली,

"नाका. खरेदी आतांच करपाची. पूण त्या दोन सेटां मदलो खंयचो सेट चड बरो तें कळना." ती खिणभर तशीच रावली. आनी नकळत तिणें ताका विचारलें,

"व्हॉट इज युवर चॉयस?"

"बोथ आर इक्वली गूड मॅडम. पूण तुमी घालुनच कित्याक पळयनात?" तिका नाजूक दिशिल्लो तो हार ताणें आपल्या हातांत घेतलो आनी म्हणपाक लागलो, "पळयात, हो कसो दिसता तुमकां?"

ताचे हुशारकायेक तिणें हांसत्या मुखान दाद दिली. येदो मोटो निर्णय घेवन खासा अलीप्त रावपाची ताची वृत्ती. राखून दवरिल्ली आपली मर्यादा स्पश्टपणान दिसपी ताची मोहक आपुलकी तिका मानवली.

चट्कन तिणें म्हळें, "येदोळ घालून पळयलो हांवें. म्हाका दिसता, हाचेंच बील करपाक सांगल्यार बरें."

"ओ.के. मॅडम."

ताणें कांयशी मान बागोवन तिचो निर्णय स्विकारिल्लेभाशेन केलो. ताच्या तोंडावयलें समादान ह्या खिणाक सुद्धां तिका जाणवलें. बील दितल्या अनिलाक ती फाटसून पळयत रावली.

.... हो तरणाटो कितलो उमेदी! हुशार! नमळायेन बागोवपी पूण आपणाल्या खाशेल्या व्यक्तिमत्त्वाक बाग हाडिनासतना.

"ॲनिथींग मोअर मॅडम?"

तिणें नाका म्हणून मान हालयली. भायर सरताना तिका खरेदीचें एक अपूर्व समादान जालें. आजवेरचे दर फावटीचे खरेदींत परागाचो सहभाग पयशे फारीक करपा पुरतोच आसतालो. पूण आयची खरेदी ही खऱ्या अर्थान कोणाबरोबर तरी केल्ल्याचें समादान तिका भोगिल्लें. आनी हेंच समादान परागाखातीर सुटाचें कापड घेतना सुद्धां जालें.

कॉस्मेटिक्स घेतना, सेंटाचे वेगवेगळे प्रकार पळयतां पळयतां त्या तरेकवार वासांनी आनी कितलो वेळ उबी राविल्ल्यान त्या ताणाखातीर तिका अचकीत गरगरिल्ले भशेन जालें. ती तकली धरून कदेलार बसली. अनिलान बेगीबेगीन

उदक हाडून दिलें.

"कितें जाता? जिवाक बरें दिसना? मॅडम म्हाका दिसता तुमकां खूब पुरो जालां. आमी घरा परतल्यार बरीं."

हातांतलीं पार्सलां कशींबशीं अनिलाचे सुवादीन करून ती आज्ञाधारकशी गाडयेंत येवन बसली.

"मॅडम, हाऊ डू यू फील नाव? खूब भोंवलीं तुमी. मातशी डॉक्टराकडेन वचूंया."

"नाका नाका!" अस्वस्थ जाल्ल्या अनिलाकडेन पळयत पळयत तिणें म्हळें. पूण तिका कितें तरी जातालें. आनी हाचे आदीं केन्नाच जावंक नासलें. घरा पावसर ती दोळे धांपून बसून रावली.

बेडरूमामेरेन अनिलान तिका सांगात केलो. अनिलाक थोडो बसोवन घेवप, ताका च्या कॉफी विचारप, अशें मनांत येवन सुद्धां ती ओगीच तशीच पडून रावली. ....अशें गरगरता कशें? पुरो जालां म्हणून? काय परागाचेर चिडचिडिल्ल्यान? तो आतां खंय आसतलो काय! म्हाका अनिलाकडेन सोपोवन आपूण खुशाल हॉटेलांत गेला आसतलो.

इतल्यान भायर कोणाचीं तरी पावलां वाजलीं. दोतोर. अनिलान दोतोराक हाडिल्लो. तिका खिणभर अनिलाचो राग आयलो. पूण दुसऱ्या खिणाक आदर निर्माण जालो. खरें तर म्हाका घरा पावयलें, सोंपलें ताचें कर्तव्य. इतली म्हज्या जिवाची काळजी कित्याक? कित्याक हो सगळें आपुलकायेन करता काय?

"तपासतां तपासतां दोतोर थांबलो आनी तिका विचारूंक लागलो, "पिरीयड जाल्यार कितले दीस जाले?"

"अं, दोन म्हयने."

"कॉंग्रेच्युलेशन्स. घरांत नवो मनीस येवपाचो आसा."

ती काचाबूल जाल्ले भाशेन जाली. आनी मागीर मनापासून लजली. दोतोराक पावन अनिल परतलो. तो मात्सो गोंदळिल्लो दिसतालो. इतलो वेळ स्मार्टपणान उलयतालो, वागतालो पूण आतां हे परिस्थितींत ताका कितें उलोवयचें आनी कितें ना हें कळना जाल्लें! ताच्या हातांत मात एक मिठायेचें बॉक्स आसलें.

"मॅडम, ही थोडी मिठाय हाडल्या. हांगा दवरतां. कारण सायब येतासर दुकानां बंद जातलीं. तुमकां आनीक कितें जाय?"

अनिल आडखळत आनी तिची नदर टाळून दुसरेकडेन पळेत उलयतालो. तिका अनिलाचे गोंदळिल्ले आवर्तिकायेचो अदमास आयलो. तो आडखळत अस्पश्ट उलयतालो. त्या तसल्या उतरानूय तिका खूब आपुलकी सांपडली. आनी तिका दिसलें, ह्या खिणांक ह्या आपलेपणाची आपणांक खूब गरज आसा.

"मि. अनिल, आतां हांव एकदम बरें आसां. दोतोरान वखदांय दिल्यांत न्हय. डोंट वरी. थँक्स हां! तुका वगीच धांवपळ करची पडली. तूंय थोडी मिठाय घेता न्हय? कॉफी घेतलो?"

"नो, थँक्स मॅडम. आई वाट पळयत रावतली. हातूंतली थोडी मिठाय घेतां."

ताणें बॉक्स उगडलें आनी तिच्या मुखार धरलें. बर्फीचो एक कुडको काडून ती म्हणपाक लागली, "बस्स, तूं घे."

ताणें एक कुडको उखल्लो.

"थँक्स अॅण्ड – अॅण्ड काँग्रेटस् मॅडम" बर्फी खातना तो मात्सो आडखळिल्लेभाशेन जालो.

तो गेलो. ती तशी पळयत उरली, ताचो विचार करीत.

.... आयचो दीस! आयच्या दिसाचे हे खीण, आयज आमच्या लग्नाचो वाडदीस! वाडदिसाची खेरेदी ह्या अनिला बरोबर! ताचे पसंतीन. आमच्या भुरग्याची सुलूस तीय ह्या अनिलाचे उपस्थितींत! हे नकसूद उत्कट खीण आयज हांवें भोगले ते ह्या अनिलाचे साक्षीन. जी खबर पयलीं परागाक कळपाक जाय आशिल्ली ती अनिलाक कळ्ळी आनी ताणें बेगीबेगीन वचून मिठाय हाडली. हो आदर काय आपुलकी? ताणेंच म्हजें तोंड गोड करप हो फकत योगायोग काय हें घटीत!

रातचो केन्ना तरी दोन अडेजच्या अदमासाक पराग घरा आयलो. खावन-पिवन आयिल्लो. आपलेच धुंदीत आसलो. ताचे ते धुंदीत फकत तिचें शरीर जाय म्हणपाची हुकमत तिका जाणवली. आनी जायफळाचो वास आशिल्ली ती मिठाय ताच्या तोंडांत घालून ती गोड खबर ताका सांगपाचे इत्सेन जागत बशिल्ल्या तिच्या दोनूय दोळ्यांनी दोन दुकां अचळय सांडयलीं.

तिका उसरां जाग आयली. सकाळीं तिका परत कालचे सगळे प्रसंग याद जाले. मागीर ब्रेकफास्टच्या मेजार तिणें ताका कालचें सगळें सांगलें. अनिलाची धांवपळ, दोतोर, मिठाय, सगळें सगळें विस्कटावन सांगलें. पूण ताचेर व्हडलोसो परिणाम जालो ना. अनिलान जें केलें तें जशें कितें अनिलाचें कर्तव्यूच अशें ताका दिसलें आसूंये. टोस्टाचे दोन चार कुडके तोंडांत चोंदता चोंदता तो सगळें आयकतालो पूण ताचें खरें घडयाळीकडेन लक्ष आशिल्लें. दोतोराचीं उतरां तिणें तशाक तशीं परागाक सांगलीं. आनी मोटे उमळशिकेन ताचेकडेन पळयलें. टायची नॉट सारकी करतां करतां तो स्वताचें पडबिंब हारशांत पळयतालो.

"काँग्रेटस्, काँग्रेटस्. ह्या डायरेक्टराची पिडा गेली म्हणचे आमी ही गूड न्यूज ताजान वचून सेलेब्रेट करूया. ह्या नव्या प्रॉडक्शनाचें चेलेंज घेतलां, आतां मार्केटींग रेट, एजंटांची नेमणूक, अॅडव्हरटायजींग, नवो स्टॉक, हजार भानगडी. सामको वाज आयलो" ताणें मिठायेचो एक कुडको कशाय कसो तिच्या तोंडांत चोंदलो आनी तो धांवतूच भायर सरलो.

तिका अचकीत जाणवलें, आयचे मिठायेची रूच सामकी वेगळी आसा. घडये शेळी जाल्यार म्हणून काय! एकलेपणाची विलक्षण जाणीव, एक अनामिक हुरहूर, दाट सायेसारकी तिच्या मनाचेर दाटूंक लागली. कोणाकडल्यान तरी खूब कौतूक करून घेवचें, कोणें तरी लाड करचे, कोणें तरी आपली सतत काळजी घेवची,

वोगीच आपल्या फाटल्या फुडल्यान भोंवत रावचें, अशें तिका दिसपाक लागलें.

.... मम्मी पप्पाक फोन करचो काय मुंबय? पूण फोनाचेर आपणें आपल्या तोंडांन सांगपाचें की म्हाका दीस.... शे! कितें तरी दिसता! तेपरस पत्रच बरोवप! पूण खरें म्हळयार हें पत्र परागान उमेदीन बरोवपाचें. मम्मी खूब खोशी जातली. पप्पाक तर म्हाका खंय दवरूं आनी खंय नाका अशें जातलें. अठ्ठावीस वर्सांनी म्हज्या फाटल्यान नवें भुरगें! पूण परागाक पत्र बरोवपाक खंय वेळ आसा? जेवपाक येतलो काय ना हेंवूय विचारलें ना. इतल्यान फोन वाजलो.

"हॅलो ऽऽऽ"

"गूड मॉर्निंग मॅडम!" अनिल उलयतालो.

"हाव आर यू नाव, मॅडम?"

नमितान तो ल्हवपीक काळजाचो सूर अचळय चिमटेन धरलो. कोण तरी आपली वासपूस करता ही भावनाच तिका खूब खूब समादान दिवन गेली. तिका दिसलें, हाका आपल्याबद्दल इतलें कित्याक दिसता? ताच्या ऑफिसराची बायल म्हणून? पूण पराग ताच्या कामाचेर खूश आसा. ताका म्हज्या मुखार नाचून कितें मेळटलें? ना... ना... ही निवळ नितळ आपुलकीच!

तिका दिसलें, अनिलाक म्हणचें, तूं हांगाच जेवपाक यो. खूब खूब उलोवया. पूण कितें उलयतलीं आमी एकामेकांकडेन? मॅडम-सेक्रेटरीचो हो पड्डो पयस तरी जातलो काय?

मागीर तिका दिसलें, प्रत्यक्ष उलयतां उलयतां आडखळचे परस मेळनासतनाच खूब खूब उलोवचें अशें दिसप हातूंत चड सूख. आनी ते सरशीं ती उलोवंक लागली.

"हांव एकदम बरें आसा! सायब जेवपाक येतलो काय ना?"

"आय डोंट थिंक सो मॅडम. ते आयज खूब बिझी आसात. दिसभर बऱ्योच अपोयंटमेंट आसात."

तिणें फोन सकयल दवरलो. तिणें केसराक सांगलें,

"आयज फकत म्हज्यापुरतेंच शीत कर. लोणच्या बरोबर जेवतां हांव. आनीक कांय घेवन बसूं नाका. सांजे पळोवचें बाकीचें. तितलें जातकच म्हाका उलो मार. हांव भितर वचून आड पडटां."

बेडरूमांत वचून ती आड पडली. तसो परत फोन वाजलो. केसरान फोन उखल्लो. बरोच वेळ 'हां, हूं' करीत उलोवप चलतालें म्हणून तिणें विचारलें,

"फोन कोणाचो गो?"

"सायबांच्या हापीसांतले अनिल सायब सांगताले, 'बाई एकटीच आसा जेवपाक. ती कांयच नाका म्हणटली. पूण तूं सदांचे भाशेन सगळें सारकें रांद. नीट लक्ष दी तांच्या खाण्यापिण्याकडेन. फळां दी. वखदां दिवपाक विसरूं नाका. सगळें वेवस्थित दिवपाक सांगलां टायमार."

केसरान सगळें रांदलें. कितें खायन दिसता तें परत परत विचारलें. फळां,

वखद, दूद दिसभर म्हज्या म्हऱ्यांत आशिल्लें. वयल्यान परत परत म्हणटालें, "घे नी बाई, नाजाल्यार अनिल सायब म्हाका तापयतलो."

तिका मनापासून हांसूंक येतालें. हे तैनातीचें सूख घेतां घेतां मदीं परागाचोय राग येतालो. कसलो पळय, दिसभर म्हजी वासपूस सुद्धां करूंक ना. आनी मागीर रोखडीच तिका अनिलाची याद येताली आनी एका सुरक्षित आदाराची भावना तिच्या मनाक स्पर्शून वताली.

ना ह्या शारांत तिचो कोण नात्याचो ना गोत्याचो. जीवाभावाची इश्टीणूय अशी कोण नासली. अशें दिसरात घरांत कोंडून घेवपाचें! पराग नव्या नव्या प्रॉडक्शनाच्या व्यापांत सामको बुडून वतालो. आनी घरांत उदासी, एकसुरे खीण भोगपी नमिता!

आनी मदीं केन्नातरी एकदां फोन आयलो. अनिलाचो.

"मॅडम, आयज डॉक्टराची अपॉयंटमेंट आसा. लक्षांत आसा न्हय?"

"कोणें घेतल्या? आनी केन्ना?"

"वा! त्या दिसा दोतोरान सांगूंक ना पंदरा दिसांनी यो म्हणून? हांवें डायरेंत बरोवन दवरलां."

....शाब्बास! म्हणजे हो आतां परागाच्यो डायऱ्यो दवरतां दवरतां म्हज्योय डायऱ्यो दवरपाक लागलो.

तिका खूब बरें दिसलें. फाटल्या दिसांचें एकसुरेपण अचकीत पयस जाल्लेभाशेन दिसलें. आपली काळजी घेवपी, आपुलकी दाखोवपी कोणतरी आसा हाची एक सुखदिणी संवेदना तिका स्पर्शून गेली. मागीर आपल्याच हक्काच्या मनशाचेर फुगून बसता तशी ती अकस्मात म्हणपाक लागली.

"पूण सायबाक वेळ आसतलो म्हज्याबरोबर येवपाक? हांव एकटी वचपी न्हय आं."

ती उलयतां उलयतां अचकीत थांबली. ....हें अशें रूसव्या फुगव्याचें उलोवणें घोवाच्या एका सेक्रेटरीकडेन योग्य आसा? कितलेंय केलें तरी तो परकोच.

"हांव पळयतां सायबाक सांगून" अशें म्हणून अनिलान फोन बंद केलो. ओठांतल्या ओठांत गुणगुणत ती आतुरतायेन परागाची वाट पळयत तयार जाताली. इतल्यांत परागाचो फोन आयलो.

"एक्सक्युज मी डार्लींग! अनिलान म्हाका तुजो निरोप सांगलो. तेखातीर ताणें आयच्यो दोन तीन अपॉयंटमेंटस् मुद्दाम कॅन्सलय केल्यो. पूण हांव भायर सरपाकूच कांय बिझनेसमन हांगा आयल्यात. म्हाका हांगाच्यान उठप एकदम कठीण. तूं अनिलाबरोबर वच. गाडी धाडटां."

गाडी घेवन थोड्याच वेळांत अनिल आयलो. ती ताची वाट पळयत व्हरांड्यांत उबी आशिल्ली.

सायबाचो सेक्रेटरी ह्याच नात्याचे बंद फुडें फुडें वाडत गेले. खूब फावट तिका अनिलाचेर विसंबून रावचें पडटालें. तिका घरांत उबगण येता म्हणून एक दोनदां अनिल आपणाले आवयक घेवन तांगेर आयलो. तिका तिचो खूब आदार जालो. केन्ना केन्ना बरें कितेंय केलें जाल्यार मुद्दम अनिलाबरोबर तिका धाडून दिताली. एकदां नमितान म्हळें,

"म्हजेखातीर तुमकां आनी अनिलाक खूब त्रास जाता."

तशी अनिलाची आवय हांसत म्हणूंक लागली, "म्हाका कसलो त्रास? आनी आमच्या दिपूक तर कामाचो अतिउत्साह!"

"दिपू? अनिल हें टोपण नांव काय कितें?

"शे! शे! खरें म्हळ्यार दिपक! दिपक नांव दवरलां हांवें. हांव दिवाळे दिसा बाळंत जालें. तेन्ना सगल्याक उजवाड! दोळ्यांमुखार असंख्य आकाशदिवे दिसले. आनी तातूंत म्हजो एक दिपक! पूण ताच्या बापायन ताका आज्याचें अनिल नांव दवरलें. पूण म्हजेखातीर तो दिपकूच!"

"भायर तर सगळे अनिलच म्हण्टात."

"हय, सगळे. बापूय, इश्ट अनिलच म्हणटात. शाळा, कॉलेज, सगळेकडेन अनिलच. पूण म्हजेखातीर दिपू! कांय कांय गजाली सगल्यांखातीर नासतात. फकत आपल्याच खातीर दवरपाच्यो आसतात."

नमिताक तिचें उलोवणें खूब आवडलें. ....खरेंच, अनिल आनी आपणामदीं निर्माण जाल्ल्या भावबंधाची विस्कटावणी कोणाकडेन आनी कशी करतली! ते भावबंध फकत आमचे पुरतेच.

केन्ना केन्ना नमिताक दिसतालें, खूब काळजी घेवपी ती कोणतरी वडीलधारी व्यक्ती! तर केन्ना सुखद सहवास दिवपी इश्ट! पूण ह्या सगल्यांत ताची आपुलकायेची भावना तिका खूब खूब सूख दिवन वताली.

पूण परागाच्या वाडट्या व्यापाक लागून आनी ताचे गैरहजेरीक लागून ती अनिलाचेर चडान चड पातयेवन रावंक लागली.

आनी तेच खातीर त्या दिसा सकाळीं उठना बरोबर परागाच्या प्लेनाक अपघात जाल्ल्याची खबर वाचून तिका पयल्यान पयलीं अनिलाची याद जाली. आपल्या नात्यांतल्या मनशाची याद जावची आनी भरिल्ल्या दोळ्यांनी ताचेकडेन धांव घेवची तशी अगतिक जावन ती अनिलाक फोनाचेर म्हणपाक लागली,

"मि. अनिल, पेपर वाचलो? हांच्या प्लेनाक..." आनी फुडलें उलोवचे पयलींच ती रडपाक लागली. वेगींवेगीन अनिल म्हणपाक लागलो,

"प्लीज डोंट गेट डिस्टर्बड मॅडम. हांव आतां येतां" आनी धा मिण्टां भितर तो थंय हजर जालो. तिका हरतरेन समजावपाचो ताणें यत्न केलो.

"अपघात जाल्ल्यांचे वळेरेंत तांचें नांव ना. मिटींग लांबिल्ल्याचें रातींच इन्फर्मेशन आयलां. केन्ना येतले तें आयज कळटलें."

पूण तिची समजूत पटनाशिल्ली. ती परत परत म्हणटाली,

"म्हजी डेट इतली लागीं पावल्या! ताणें म्हाका प्रॉमिस केल्लें की नक्की आयज पावतां म्हणून."

"पूण मॅडम, अकस्मात काम जालां आसतलें."

"काम काम काम.... बायलेची मातूय पर्वा ना."

आनी बरोच वेळ तिचें धुसफूस चालूच आशिल्लें. तिची समजूत घालीत घालीत अनिलान एअरपोर्टार फोन केलो. आनी तातूंत परागाचें नांव ना हें परत एक फावट कन्फर्म केलें.

इतल्यान नमिताचें रडप थांबलें. पूण पोटांत कळा सुरू जाल्यो. मागीर परत धांवपळ. दोतोरागेर वचपाक बेगीबेगीन गाडी भायर काडली. गाडयेन वतना तिणें अनिलाचो हात घट्ट धरिल्लो. आनी ओंठांतल्या ओंठांत कितें पुटपुटत आशिल्ली.

"इतलें भिवपाचें कितें कारण आशिल्लें तें म्हाका कळना. हांव दुसऱ्या दिसा येतां अशें हांवें ऑफिसांत कळयिल्लें." पराग आपलो राग नमिताचेर काडटालो.

"आतां म्हाका कितें खबर बायले परस तुमी ऑफिसाक चड विस्वासांत घेतात म्हणून? म्हाका दिसलें, म्हाका सांगिल्ल्याप्रमाण तुमी त्या प्लेनांत येतले. कसलें भियेलें हांव. तरी बरें अनिल आशिल्लो म्हणून."

"अनिल अनिल अनिल! येत पासून ताचेंच नांव. हांव हांगा पावलों तेन्ना अर्दवट बेशुद्धावस्थेंतूय तूं ताचेंच नांव घेतालें. मनांत तरी कितें आसा तुज्या? नमी, खरें सांगतां. पयलीं हांवें चल्याचें तोंड पळयलें. दोतोरापासून ते अनिलाचे आवयमेरेन सगळे म्हणटाले चलो साम्बको म्हजे भाशेन जाला! तेन्ना म्हाका कितलें सूऽऽ जालें म्हणून सांगूं! तोमेरेन हजार दुबाव तकलेंत येवन गेले."

अजापान ती परागाकडेन पळयत उरली. तिणें विचारलें,

"तुवें अशें म्हळें तरी कशें? तुजो तो सेक्रेटरी. तुवें आपूण जावन तर ताका सतत म्हजे बरोबर धाडला."

"तें चुकलेंच म्हजें. त्या वेळार हांव नव्या प्रॉडक्शनाच्या गडबडींत आशिल्लों. म्हाका नवी चॅलेंज यशस्वी करून दाखोवपाक जाय आसली. त्या बोवाळांत हांव तुका ताचेर सोपोवन मेकळों जालों. आय डोंट वॉट एनी रिस्क नाव. नमिता तुका खबर आसा? अनिल इज ट्रान्सफर्ड टू कलकत्ता ऑफीस."

तिच्या तोंडावयले भाव नियाळीत ताणें तिका प्रस्न केलो,

"नमी, आर यू इन लव्ह विथ हिम?"

ती एकदम कांचवेली. आनी तितल्याच तिरस्कारान तिणें म्हळें,

"शी! कितें हळशिकावणे विचार तुमचे!" एक व्हडलो सुस्कार दिवन तो स्वताकडेन पुटपुटलो,

"थँक गॉड! म्हाका कितेंय म्हण तूं. म्हाका जें कितें दिसलें, तें हांवें तुका विचारलें."

ती ओंठ घट्ट आंवळून ओगी बसली. पूण तिचे तिकाच दिसलें..... अनिलान आपल्या काळजांत निश्चितच सुवात जोडल्या. पूण परागाक दिसता तसली प्रियकराची सुवात नही. तो लागीं आसतना केन्ना उमळशिकेन ताका वेंग मारची अशें दिसलें ना. आनी आतां तो कलकत्त्याक वतलो म्हणून दुराव्यान रडचेंय अशें दिसलें ना. पूण तो लागीं आसतना खूब बरें दिसतालें! त्यो भावना नेमक्यो उतरांनी मांडूंक जमच्यो ना आनी दुसऱ्यांच्या मुखार तांचें प्रदर्शन मांडपाची कसली गरज! अनिलाची आवय म्हणटाली तेंच खरें. कांय कांय गजाली दुसऱ्यांखातीर नासतात. फकत आपल्याच खातीर आसतात आनी आपणेंच जपपाच्यो आसतात.

नमिता आपले भितरूच येवजूंक लागलें. .... अनिलाविशीं म्हज्या मनांत ज्यो भावना आसात त्यो परागाक सांगप खूब कठीण. अरे पराग, पिशाभशेन तूं भुरग्याच्या तोंडाचेर अनिलाच्यो कुरव्यो सोदता? अरे, ताच्या तोंडार आसच्यो नात त्यो कुरवो, ताच्या रक्तांतूय त्यो कुरवो आसच्यो नात पूण ताच्या जल्माच्या प्रवासांत पावला कणकणी त्यो कुरवो आसतल्यो. खरें मागूं पराग, खरें तर त्या अर्थान तो अनिलाचोच चलो.

....हांव ताका पोटांत वाडयत आसतना ताचे दर एके जाणीवेचेर अनिलाच्याच प्रेमळ अस्तित्वाची खुणा उदेल्ली आसा. आनी ताच्या फुडल्या प्रवासांतूय अनिलाचे यादीचीच सावळी ताचेर तशीच उरतली.

नमिताक दिसलें, त्या माणकुल्या अस्तित्वामयत अनिल सदांकाळ आपल्या बरोबर रावतलो! एका वासावरी. ताका आपूण जावन केन्ना आपोवंक ना. आनी तो वता जाल्यार आडावपाचीं पिशेपणांय करूंक ना. ताच्या सहवासांत हुस्कून वचूं ना वो ताच्या विरहान न्हिन्नडूना.

....तो वासासारको आयलो. कांय खीण परमळलो. ताच्या त्या अनामिक सुखाची याद मात फाटल्यान उरली.

मागीर एकदम भानार येवन ती परागाक म्हणपाक लागली.

“अरे, ह्या माणकुल्याक नांव दिपक दवरूंया!”

आनी ताच्या उतरांची वाट पळयनासतना ती भुरग्याची पापी घेत पुटपुटली,

“म्हजो दिपक.... म्हजो दिपू!”

• •

५

मायेची कसरत

पुजाची ऑफिसाक वचपाची तयारी जाली तरी धाकलो पप्पू आजून उठूंकच नाशिल्लो. काल पप्पूक मातशी खांकय येताली आनी आंगय मातशें तापिल्ले भशेन जाल्लें.

"आज पप्पूक शाळेंत धाडूंक नाका आं."

पुजान मांयक सांगलें आनी इतल्यान पप्पून दोळे उकते केल्ले.

"ममा, आज तूं वचूं नाका गे ऽऽऽ. मम्मा, आज तूं वचूं नाका गे हापीसाक."

पप्पून आपलें पालूपद सुरू केलें.

हालींसरा हें अशेंच जातालें. पुजाची ऑफिसाक वचपाची तयारी जाताली आनी त्याच वेळार पप्पू उठटालो. पप्पुचें तोंड धुवप, ताच्या दुदाची वेवस्था, हें सगळें करून बस मेळटासर पुजाक सामको नाकाशेवट जातालो.

दर दिसा, 'ममा, तूं वचूं नाका. ममा, तूं वचूं नाका' ही रड आसतालीच आनी ताका समजायतासर नाखयां शिंको येताल्यो.

पप्पूक आतां पांच वर्सां जाल्लीं. पूण तो पिरायेन जसो वाडटालो, तसो ताचो आवयवेलो मोगय वाडत वतालो. त्या दिसा अशेंच जालें.

"ममा, आज म्हाका तुवें शाळेंत पावपाक जाय."

अशें म्हणून पप्पू हट्टच धरून बसलो. "हें पळय पप्पू, पपा तुका स्कुटरीन शाळेंत पावयतलो, म्हाका ऑफिसांत वचूंक जाय. शाणो म्हजो राजा." पुजा ताका लक्तुबायेन समजायतालें.

"नाका. म्हाका तूंच जाय" अशें म्हणून पप्पून रडपाक सुरवात केली. मागीर मांय म्हणपाक लागली,

"तुका आज वचूंकच जाय! ना तर घे गो आयचो दीस सुटी."

त्या दिसा खास पप्पुखातीर पुजान रजा काडली. सबंद दीसभर आपल्याक ममा मेळटली म्हण पप्पू सामको खोशी जालो.

दोन-चार दिसांपयलींची गजाल. सकाळींफुडें पूजा आपलें काम सोपोवन ऑफिसाक वचपाक भायर सरतलें इतल्यान पप्पू उठलो. आनी ताणें आवयक वेंग मारली. दूद पितां-पितां पप्पून आपलें रडगाणें चालू केलें. ताका समजावपाचो पुजान हर तरेन यत्न केलो.

"पप्पू, शाण्या, आज हांव बेगीन घरा येतलें आं. आनी येतना चॉकलेट घेवन येतलें. मागीर आनी गार्डनांत या. थंय घसरगुंडीचेर बसप आनी येतना आयस्क्रीम खावप."

आई ऑफिसांतल्यान बेगीन घरा येतली म्हणून तो धादोस जालो. ताणें हांसत हांसत आज्जेकडेन पळयलें. आज्जेनूय पुजाच्या म्हणण्याक मान हालोवन हयकार दिलो आनी त्या भरवंशार पप्पून पुजाक हांसत 'टा ऽऽटा' सुद्धां केलें.

सांजचें साडेसंक तरी घरा पावतलें अशें थारावन पुजान घर सोडलें. ताका ऑफिसाक पावपाक बसीन एक वर लागतालें. मुखार पंदरा मिनटां चलचें पडटालें. बस वेळार मेळत जाल्यार तें बरोबर साडेसंक घरा पावतालें. पूण आज मात ताचो नाईलाज जालो.

कामत ऑफिसरान आजूच आपल्या प्रोमोशनाची पार्टी सेक्शनाच्या लोकांक दिवपाचें थारायल्लें. पार्टी आशिल्ली ऑफिसच्या कँटिनांतच. मागीर ऑफिस सुट्टकच सहज एक वर गेलें. पार्टेक रावपाची पुजाची मातय इत्सा नासली. ताणें आपले आंकवार इश्टीणीक म्हळें लेगीत,

"आगो, तुमकां चलयांक कसली चिंता? घरा वतकच सगळें आयतें मेळटा. आमच्या सारक्या भुरग्यांकारांची जाता पंचायत."

पार्टी सोपतकच पूजा धांवतच भायर सरलें. एक टॅक्सी धरली आनी स्टॉपार आयलें. यो जाल्यार स्टॉपार सुमाराभायर गर्दी. तरी लेगीत ताणें आपलो जीव कसो बसो बसींत रिगयलो.

पुजा घरा पावलें तेन्ना साडेआठ वरां जाल्लीं. पप्पू खाटीर बसून पुस्तकावयलीं चित्रां नियाळीत बशिल्लो.

"पप्पू ऽऽ शाण्या, हांव आयलें."

पुजान पप्पूक उलो मारलो. पूण पप्पून मान वयर केली ना. आपली तकली पुस्तकांत रिगोवन तो ओगी रावलो.

"कळाव जालो आज? बेगीन येतलें म्हणून पोर वाट पळयतालो..."

मांय म्हणूंक लागली. पुजा हात-पांय धुवन पप्पू म्हऱ्यांत वचून बसलें.

"पप्पू, शाणू लागारू ले म्हजेर?"

पप्पून आईचे कुशींत तोंड घालें.

"ममा, तूं बेगीन कित्याक येवना? सकाळीं वतना सांगिल्लें बेगीन येता म्हणून! फटींग."

"पप्पू, म्हाका मातशें काम जालें म्हणून ऑफिसांत रावचें पडलें."

"ममा, तूं सामकी फटींग. सदांच बेगीन येता म्हण सांगता आनी केन्नाच बेगीन येना. हांव तुजेकडेन उलोंवचो ना."

मांयन उलो मारलो म्हणून पुजा रांदचे कुडींत गेलें. दिसाभराच्यो पप्पुच्यो गजाली मांय सांगपाक लागली.

"आगो, हो लाडू केन्नाच खायना, पूण आज सामको हट्टच धरून बसलो. आनी म्हणपाक लागलो लाडू खाल्लो तर ममा बेगीन घरा येता." पुजाक हांसूक आयलें. पूण काळजांतल्यान भडभडून आयलें.

एक दीस पप्पू लाडू खायत बशिल्लो आसतना पुजा बेगीन घरा आयिल्लें. ताच्या बालमनाक दिशिल्लें जर आपणें सदांच लाडू खालो तर ममा बेगीन घरा येतली. आनी आयज अशेंच केल्लें. दुसऱ्या दिसा सकाळींय पप्पून पुजाची फाट सोडली ना.

पुजान ऑफिसाक वतना पप्पूक सांगलें, "पप्पू राजा, आज हांव बेगीन घरा येतलें आं."

म्हयन्याचे निमाणे दीस आशिल्ल्यान ऑफिसांत चडशें काम नासलें. म्हणटकच आज स मेरेन घराकडेन पावपाक कसली हरकत नासली. पूण ऑफिसांत वच जाल्यार दोगांनी दांडी मारल्या. तांची कामां पुजाकडेन सोंपयिल्लीं तरी सुद्धां कामां बेगीन-बेगीन सोंपोवन घरा बेगीन येवपाचो खूब यत्न केलो. पूण घरा पावतासर ताका सात जालीं.

घरा पप्पू आईची वाट पळयत बशिल्लो.

"सदांच सांगता बेगीन येतली म्हण आनी येता मात उसरां! ममा, तूं सामकी कुसकी, कुसकी, कुसकी" पप्पू रागान म्हणूंक लागलो.

"पप्पू राजा, म्हाका तुजी याद येताली. पूण आज ती रूपा मावशी रे कामाक आयलीच ना. म्हणटकच ते मावशेचें काम मरे म्हाका करचें पडलें."

पूण पप्पुचें मात एकच पालूपद चालू आशिल्लें.

"तूं सदांच बेगीन येता म्हणून सांगता आनी केन्नाच येना!"

आज ऑफिसाक वचचे पयलीं फाटल्यो सगळयो यादी पुजाच्या दोळयांमुखार एखाद्या सिनेमाभशेन सरकून गेल्यो. आज रजा मेळप कशेंच शक्य नासलें. एक, रूपा रजेर आशिल्लें आनी दुसरें म्हणजे सगळे ऑफिसर आज दौऱ्यार वचपाचे आशिल्ले. कशेय करून पांचमेरेन घर पावतलें हे आशेन तें कामार आयलें.

वतना पप्पुच्या आंगार हात भोंवडायलो. पळय जाल्यार आंग तापलां.

"पप्पू राजा, आज तुका मातसो जोर आयला. मदीं-मदीं खांकूय येता. आज शाळेक बुट्टी मारपाची. घरा ओगी न्हिदून रावपाचें. खेळूंक वचपाचें ना. आनी

आज्जेक त्रास दिवप ना. हांव बेगीन घरा येतां.''

पुजा घरांतल्यान भायर सरलें.

पप्पू तोंड येदेशें करून ओगीच रावलो.

पुजाचें ऑफिसाच्या कामांत अजिबात लक्ष लागना जालें. पप्पू बरो ना जालो म्हणटकच आज्जेक खूबच त्रास दितालो. तिचें कांयच कानामनार घेना आसलो आनी अशा वेळार ताका ममाची चड याद येताली.

घड्याळाचे कांटे तीन वरां दाखोवपाक लागले आनी पुजान कागदांची आवराआवर केली. इतल्यान हेड ऑफिसांतल्यान टपाल घेवन प्यून आयलो. ताका थोडो वेळ रावचेंच पडलें. ऑफिसांतल्यान भायर सरपाक चार वरां जालीं. टॅक्सी करून बस स्टँडार पुजा आयलें.

पूण बस स्टँडार यो जाल्यार कामगारांचो संप. सगळयो बशी बंद आशिल्ल्यो. बस स्टँडाचेर भायर-भितर बरीच गर्दी आशिल्ली. लोक एकमेकांकडेन उलयत आशिल्ले. गाडयो केन्ना सुरू जायत हाचो नेम नाशिल्लो.

इतल्यान सचिवालयांत काम करपी पुजाची इश्टीण क्षमा ताका मेळ्ळें. ताच्याबरोबर तिच्यो आनीक तीन चार मैत्रिणीय आशिल्ल्यो.

''कितें पूजा, घरा वचपाचें काय ना?''

''बसीची कृपा जाली तर!''

पुजान क्षमाचे इश्टीणीबरोबर कॉफी घेतली आनी स्टँडाभायर बस वा एखादी टॅक्सी ना जाल्यार हेर कसलेंय वाहन मेळटा काय म्हणून पळयलें. ह्या बोवाळान दोन तीन वरां कशीं गेलीं तें कळ्ळेंच ना.

आनी आठांच्या सुमाराक गाडयो सुरू जाल्यो. पूजा घरा पावलें तेन्ना रातची साडेणव वरां जाल्लीं. दारांत मांय पुजाची वाट पळयताली.

''शेजारचे उषाताईन सांगलें, संपाखातीर गाडयो बंद आसात म्हणून.'' मांयन सांगलें.

''तरी हांव सगळयांत पयलीं सुटल्या ते बसींनूच आयलां. वाट पळोवन पप्पू न्हिदला आसतलो न्ही?''

''पांच वरां पासून पोर वाट पळयता. तिळसान जातकच तूं येवना म्हणून सामको बेजार जालो. आनी म्हणटा कसो, ममा सामकी फटींग. बेगीन येता म्हणून सांगता आनी केन्नाच येना. हांवें ताका समजावन सांगलें, आरे गाडयो बंद आसात म्हणून ममाक उशीर जाला. पूण तो मानपाक तयार जायना जालो.''

बाजेर न्हिदिल्ल्या पप्पूक पुजान वेंगेंत धरलो. जोरान तो फणफणटालो. न्हिदेंतून पप्पू बडबडटालो,

'म्हजी ममा सामकी फटींग. केन्नाच बेगीन येना.'

पुजाच्या दोळयांत दोंगरभर दुकां उबीं जालीं. ताका दिसलें, 'नाका, नाका ही कसरत. म्हाका म्हजो पप्पूच जाय.'

● ●

६

विरलीं कुपां

गेट वाजिल्ले भाशेन दिसली. तेन्ना आशा हातांतलें काम कडेक दवरून बेगोबेग व्हरांड्यांत आयलें. भायर बरोच काळोख दाटिल्लो देखून गेटीकडेन कांयच दिसना आशिल्लें. अनिल मात सवकासायेन सिगरेट ओडीत पेपर वाचीत दिव्या म्हऱ्यांत बशिल्लो.

"डॉली आयलें दिसता."

"ना, अजून येवूना."

"पळय न्ही. धा-धा फावटीं सांगून सुद्धां...."

"आयलेंना! येता केन्ना सांगिल्ल्या त्या वेळाचेर? हरशीं एक सोड. संवय जाल्ली, ताकाय आनी आमकांय. पूण केन्ना न्हय तें आज हांव बेळगांवां वतां. वचसर धांवाधांव सोंपना म्हजी, हाचें ताका भान आसा वो ना?"

उलयतां उलयतां आशाचो आवाज चडत रावलो. त्रास, हुस्को हातूंत नेमकें कितें जालां हें ताका कळना जालें.

....णवाची गाडी म्हणटकच साडेआठांक तरी घरांतल्यान भायर सरपाक जाय. एकटेंच भायर सरपाचें सोड, पूण केन्ना घराभायर लेगीत वचपाची संवय ना, देखून पयलोच तकलेर पेज आयला. वचसर कामांय सोंपना. कोणाचेर विश्वासून रावपाची माणसुकी ना! कोणाक कोणाचें पडूं ना! चलो तर कितें! ताचो दीस

केन्ना आनी रात केन्ना हें ताचे ताकाच खबर नासता. घोव काडयेचो हात, बडयेक लावचो ना. उरलें डॉली. चली म्हणून केन्ना घरचें कुस्कूट कांय केल्लें ना! आनी करपाकय दिलें ना. पूण असल्या वेळार तरी ताणें समजून कितेंय हातभार लायल्यार कितें घात जाता?

खिणभर आशाक दिसलें, हें सगळें थातारून इश्टीणीचे चलयेच्या लग्नाक वचपाचें कितें अडलां! पूण इतल्या तेंपान, चार पयलींच्यो इश्टीणी मेळटल्यो. सुधाचेंय सामकें आग्र्याचें पत्र आशिल्लें. ताणें ना म्हळें ना!

आंगाचेर पडटकच, उपाय नासतकच वो समजीकायेन डॉली थोडें तरी लक्ष घालतलें अशें ताका दिशिल्लें.

आशा बेजार जावन घरांत आयलें. सगळ्यांचें जेवणखाण जावन वावर सोंपता हातुंतल्यान ताका सुटका नासली.

बॅग भरून जाल्ली. दोन दिसांचें सामान व्हडलेंशें नासलें. ताणें मनांत हाडिल्लें जाल्यार सवकासायेन दिसाचें बसीन वचूं येतालें. पूण घरांतल्या मनशांची धांदल जावची न्हय म्हणून ताणें रातचे ट्रेनीचें तिकीट काडपाक लायिल्लें.

आशाक दनपारची याद जाली. कॉटीचेर डॉली लोळत पडिल्लें. आंगार एक विटकी, सदळ पॅण्ट आनी आंग धांपपाक वर्डायिल्ले भशेन वयर एक ढगळ निराकार बानयेन. दोळ्यांचेर वॉक्ल, हातांत पुस्तक.

भायर कितें घडटा हाची मात लेगीत ताका जाण नासली. आनी कितेंय विचाल्ल्यार जाप करतलें म्हणपाचीय शाश्वती नासली. तरी एकेवटेन काम करताना आशान डॉलीक सांगलें,

"आज रातचे गाडयेन हांव बेळगांवां वतां जाणा मुगो?"

"अं....? हं...."

"परवां येतलें. पूण येवपाचें आपल्या हातांत नासता तेन्ना वाट पळोवं नाका." डॉलीन एकदां ताचेकडेन पळयलें आनी एक जांबय दिली.

"शी! कितें गो हें डॉली! दादल्याभशेन वागप तुजें?"

"?"

"बरें. तुमचो तिगांचोच जेवणाचो प्रश्न. तितलें कर. भाजीबिजी हाडून दवल्ल्या. अडलेंच जाल्यार वावराडेक विचार."

"त्यापरस हॉटेलांतल्यान डबो हाडलो तर?"

"आगो, तुजे येदें आसतना म्हजें लग्न जाल्लें. धा-धा, बारा-बारा मनशांचें रांदतालें हांव आनी तुका तिगांचें रांदपाक जायना?"

"सकाळीं कुकर लायतां. सांजचें पाव-भाजी खावपाक वचप." डॉलीन वॉक्ल वयर काडीत पुस्तकाचें पान परतीत म्हळें.

"म्हजेंच चुकलें. हांवें वचपाचें न्ही. पूण म्हळें, वचपाची संद आयल्या. या."

"आतां तूं ल्हान ना डॉली. सगळ्यांत ल्हान म्हुण बाबान चड लाड केले

तुजे. सुदारपाचीय कांय चिन्ना दिसनात. तें पुस्तक कुशीक दवर आनी हांव कितें सांगतां तें आयक. हांव येसर तुवें हें घर सांबाळपाक जाय. कळ्ळें? जीं तीन-चार जेवणां करपाक जाय, तिंवूय तूं हांगाच करतलें. बापायक आनी भावांक कितें कितें जाय तेंवूय तूंच करतलें. आयकता मुगो? आनी हांव येतलें त्या दिसा सुद्धां.''

डॉलीन आवयचें उलोवप आयकून आयकलेंना भशेन केलें. आनी आवयचो आवाज चडटा तो पळोवन अचळय व्हाणो घालून तें घराभायर गेल्लें ताचो अजून पत्तो नासलो.

....खंयचे चर्चेक, खंयचे मिटिंगेक गेलां देवाक खबर... आशा मनांत फणफणटालें. दिस ना रात. वेळ ना काळ. मनांत आयलें तशें फक्त हेडपाचें! हें सगळें कितले मेरेन चलतलें?

आशा तरतरीत व्हरांड्यांत आयलें आनी घोवाक सांगपाक लागलें, ''तें कांय ना. येता त्या वर्साक डॉलीक उजोवपाचें.''

''कित्याक?'' बापायन विचाल्लें.

''ते तसले चलयेचो हो असलो बापूय!'' आशान धुवेचो राग घोवाचेर काडलो.

''तुमी तो पेपर मातसो कुशीक दवरात. फाटल्या वर्सा एम.ए. जालें तें खूब जालें.''

''आगो, डॉलीचें करिअर बरें आसा. आपले आपूण शिकता. शिकूनी! मदीं आडखळ कित्याक?

''हें तुमी म्हाका सांगतात? आपली धूव कसली हें विसरले? अशीच सोडली तर जल्मभर माद्र रावपाक फाटीं रावचें ना.''

''हें सगळें उलोवपाची हीच वेळ आसा न्हय?''

''म्हाका तर ताचे बाबतींत सगळी अवेळ दिसता. तें कांय ना. शोभावैनीच्या शेजाराचो तो नाडकर्णीचो भुरगो हाचेर नदर दवरून आसा. तांचें जमोवन वडयात.''

''आगो, आमी कोण जमोवपाक? ताका कितें दिसतलें, ताका कितें आवडटा तें पळोंव नाका?''

''तें दिसना आतां? कितली समजीकाय! कितली जबाबदारी! वा! वैनी म्हणटाली, चलो बरो आसा. सगळें वेवस्थित आसा. शहरी वातावरणाचो आसा. थंय रमतली ही बया. आनी अशेंच बसून रावलें जाल्यार हेंवूय स्थळ हातांतलें वतलें.''

उलयतां उलयतां आशाचो गळो भरून आयलो. तेन्ना मात अनिल पेपर कुशीक दवरून तांच्या म्हऱ्यांत आयलो. ताच्या खांदार हात दवरीत म्हणूंक लागलो,

''पुरो न्ही. वोगीच कित्याक इतली पयसुल्ली काळजी घेवन बसता! सगळें वेवस्थित जातलें. वचपाचो वेळ जालो. चल. निश्चिंत मनान वच आनी यो. एन्जॉय युवरसेल्फ.''

अनिलान इतलो धीर दिलो तरी आशा घरांतल्यान वतासर सुचोवण्यो दीत

रावलें.

"दूद फ्रिजां दवर म्हणचे. मांजर केन्नाय येता..."

"न्हिदतना नळ बंद करात, फांतोडेचेर उदक येता. न्हिदून पडशात. घरभर तळें जायत."

"कुलेरां बी वावराडेकडेन वडोवं नाकात. वोगीच शेणपाक निमित्त. तीं सदां हांवच घासतां."

"आनी हें पळेयात...."

अनिलान उलयतां उलयतां आशाक ओडीत भायर हाडलें तरी आसतना बॅग सांबाळून स्कुटरीचेर बसतना आशाक एक याद जालीच.

"आयकलां, तो म्हजो गुलाबांचो व्हाज."

"आतां आनीक कितें उल्लें?"

"बोवाळांत तो व्हाज भायरूच उल्लो. गोरवां येवन खायत बी. डॉलीक सांगून तो व्हाज मात्सो भितल्ल्यान दवरात."

स्कुटर सुरू जाली आनी म्हणून ताका ओगी रावचें पडलें. स्कुटर स्टेशनाकडेन पावतकच अनिलान कच् करून ब्रेक दामलो. 'डॉली' 'डॉली' म्हूण उलो माल्लो. स्कूटर सारखी थांबचे पयलींच आशा देंवलें. मुखारूच डॉली आनी बरोबर सुधीर, ताचो कॉलेज मित्र, उबीं आसलीं. रस्त्यावेल्यान दोगांय चणे खायत बिनधास्त चलतालीं.

"डॉली तूं... " रागान आशाच्या तोंडांतल्यान उतरां भायर सरलींना. पूण डॉलीक ताचें कांयच पडूंक नासलें. एक हात बोलसांत आनी एका हातान तें चणे खातालें.

"आई, चल्ली तूं? हाका सांगतालें, म्हाका बेगीन वचपाक जाय म्हणून. पूण आयची मिटिंगूच इतली रंगली आनी उपरांत आमचें डिस्कशन. स्टॉपाचेर तीन बशी आयल्यो आनी गेल्यो. निमाणें चलत वचपाचें थारायलें."

"डॉली, वचचे पयलीं तुजे आईक तुका कितें सांगपाक जाय."

अनिलान वातावरणाचो ताण वळखून म्हळ्ळें.

"तिणें दनपरांच सांगलां. दोन दिसांचो तर प्रश्न. करूंया कितेंतरी. सुधीरूय रावपाक येतलो. तितलेच दोन दीस चेंज." डॉलीन सुधीराकडेन पळयत म्हळें. ताणें खांदे हालोवन दाद दिली. चण्याचे पुडयेक हात मारीत तो फुडें चलत रावलो आनी फाटल्यान डॉलीय गेलें. आशा अजापभरीत जावन पळयत रावलें.

"म्हाका व्हदळ व्हडलीं व्हडलीं शाणेपणां सांगलीं. आतां ताका कित्याक सांगूंक ना?"

"तांचेकडेन आनी कितें उलयतलें?"

"कित्याक?"

"हो सुधीर नेमको कोण ताचो?"

"तूं ताकाच कित्याक विचारीना?"

"कांयच गरज ना. फाटीं एकदां पावसांत भिजून ताका घेवन घरा आयलें. तेन्ना हांवें म्हळें, आगो ताका भितर आपय. थोडी कॉफी करतां. तर ताणें कितें म्हणपाचें ?"

"कितें म्हळें ?"

"म्हणपाक लागलें, इतली सेवा करपाची कांय गरज ना. तो तुजो जांवय-बिंवय जावपाचो ना."

अनिल खळखळून हांसलो. पूण आशा मात रडकुंडें जालें.

"हांसता आनी कित्याक ? तोच कित्याक ? ह्या जगांतलो कोण तरी आमचो जांवय जातलो काय ना देव जाणा !"

इतल्यान गाडी आयली.

"मजा करून यो. राविन दिसल्यान एक दीस चड राव. आमी तुजी रांदची कूड, आयदनां, कुलेरां, दूद, साय आनी गुलाबाचो व्हाज सुद्धां बरे तरेन सांबाळटात."

गाडयेच्या संथ तालार आशा विचार करत रावलें.

....इतली हांसपाचेर व्हरपाची ही गजाल ? ल्हानपणांत डॉली कितें वेगळें आसलें ! हुशार, तल्लख ! वाचनाची कितली आवड ! ताचें आवयपण मिरोवपाक कितलें सुख भोगतालें ! दिसतालें, चार चौगीपरस म्हजें आवयपण वेगळें. ताच्या वेगळ्याच वागणूकेबद्दल अभिमान जातालो. भुरगेपणापासून ताका चष्मो लागलो. पूण चष्म्यान ताचें व्यक्तिमत्त्व फुलयलें.

वयांत आयलें. शाळा जावन कॉलेजांत गेलें. तरी कॉन्टॅक्ट लेन्सची मागणी केली ना. कॉलेजांत वचपाक वेगळे वेगळे ड्रेस जाय अशें ताका केन्नाच दिसलेंना. वयल्यान तें अदीक बेफिकीर जालें. रातचे उसरामेरेन वाचीत बसप.

सकाळीं उसरां उठून कॉलेजाची कशीबशी तयारी करप. तीच तीच पॅण्ट दोन-तीन दीस घालप. विणी घालपाचें काम नाका म्हूण केंसय कापून उडयले. सुटयेंत केन्ना केन्ना लायब्ररींतूच बसप. ही सभा, ती चर्चा, तो वादविवाद. तें बरोवप असल्योच गजाली. हेर कसलेंच आकर्षण ताका दिसलें ना.

नाडकर्णीच्या चल्याबद्दल एकदोनदां विशय काडून पळयलो. पूण हाचेकडल्यान कांयच प्रतिसाद ना.

रातभर आशाक सारकी न्हीद पडलीना. तशी ट्रेनीत चड गर्दी नाशिल्ली. चलयेचे चिंतेन मन सामकें पोखरून गेल्लें. फांतोडेर केन्ना मातसो दोळो लागलो तें ताका कळ्ळेंच ना. जाग आयली तेन्ना ताच्या कानार उतरां पडलीं.

"आशा, आशा". पळय जाल्यार वळखीचीं तोंडां. वळखीचो आवाज. पूण पुसट जालो भूतकाळ. चार जणींनी आशाक उलोवपाक सुद्धां दिलेंना. एकलेन बॅग घेतली. दुसरेन हात धरलो. तिसरेन चक्क वेंग मारली. सगळें हांसप, खिदळप. लग्नाचें घर केन्ना आयलें तें कळ्ळेंच ना. थंय सुद्धां आशाची वाटूच पळयतालीं.

"अशें आयत्या वेळार येवपाचें मुगो ?"

"कितें करतलें ? घरांत सगळी धांवपळ गो. हांची नोकरी, भुरग्यांची कॉलेज...."

"खरें काय कितें तें? आमकांय भुरगीं आसात गो."

"आशा, हालीं तुका आनीक बी भुरगें जावंना मुगो? व्हदोळपासून भुरगीं भुरगीं कितें करता?"

"म्हजें बरें गो. दोगांय भुरग्यांक हॉस्टेलांत दवरल्यांत."

"आनी म्हजो तर प्रश्न ना. दोगीय चलयोच. वेळच्या वेळार तांकां आपल्या घरा धाडलीं म्हणजे सुटलें हांव."

"सुटपाचें कितें गो? इत्सा आसली जाल्यार कित्यांतल्यानूय सुटका मेळटा. हें आशा भुरगीं, संवसार हांच्या भायर वचपाक तयारूच ना."

सगळ्यांनी ताचेर घुरी घाली. कॉलेजांत तांचो खास ग्रूप आशिल्लो. हुशार, धडपडपी, उत्साही, तरूण चलयो. फुडें फुडें दिशा बदल्ल्यो. फांटे फुटले. आयुष्यांत कोणकोणाच्या वांट्याक कितें कितें आयलें. केन्ना केन्नाय वाऱ्या वयल्यान एकमेकांच्यो खबरो कळटाल्यो. केन्नाय चुकून कोणूय मेळटालीं. वर्सभिरान केन्ना कोणांक बुद्धी जालीच जाल्यार एखादें पत्र.

तांतल्या तातूंत सुद्धां उमेदी आशिल्लें म्हूण तें ह्या ना त्या निमित्तान मेळत रावतालें. आनी आतां तर सुधाले चलयेचें लग्न. लग्नानिमतान ताणें सगळयां इश्टीणींक एकठांय हाडिल्ल्यो.

पूण सुधाक इश्टीणीच्या गजालींनी भाग घेवपाक मेळनाशिल्लो. दोन-चार उतरां उलोवन तें हेवटेन तेवटेन बोवाळटालें. म्हुर्ताची वेळ आयली. सगल्यो इश्टीणी नटून-थटून हांगा-थंय मांटवांत बोवाळटाल्यो. म्हूर्त लागीं पावतकच माटव गजबजूंक लागलो.

"ए आशा, सगळें पळयतकच आमचें लग्न काल पयरूच जाल्ले भशेन दिसता न्ही?"

"खरेंच तुका अशें दिसता गो?"

"फक्त दिसून कितें उपेग आसा?"

"ए, दीस कितले फास्ट वतात न्ही?"

"आनी आमकांय आपल्याबरोबर फरफटत व्हरतात. आज सुधाची चली पळय सामकी लग्नांतल्या सुधा भशेन दिसता."

एकीकडेन लग्नविधी सुरू जालो. दुसरेवटेन इश्टीणीच्यो खबरो रंगार आयल्यो. कांय गजाली खूब पोन्न्यो. कांय खूब नव्यो. स्वत:च्या आंकवारपणाच्यो, दुसऱ्याच्या लग्नाच्यो, अशोच खबरी जाताल्यो. तसोच माटव, तसोच झगमगाट, तसोच लोक, सगळें तशेंच वातावरण. सगळीं आपलेपरीन गजाली सांगतालीं. आपले डॉलीविशीं उमेदीन कितें सांगचे अशें आशाक दिसलेंचना.

अंतरपाटाचे एके कुशीक सुधाची चली उबी आशिल्ली. सुधान भर माटवांत दोळे पुसले.

सकाळपासून सगळो थाट! पांचवोच शालु, भांगर, बोवाळ. आतां जांवय जावपी तो भुरगो पांच-स वर्सां सुधागेर येता-वतालो. वळखीचोच. चलीय चड

पयस रावचें नासलें. पूण घरांतल्यान चली वता हें दु:ख! परत सुधाच्या दोळ्यांत दुकां भरलीं. आशान वचून सुधाचे फाटीर ल्हवू हात दवरले. ताका हुंडकोच आयलो.

....कितें सोबीत दु:ख! म्हज्या वाट्याक असलें येतलें काय! फक्त विचारानूच आशाचे दोळे भिजले. सुधाचे चलयेन न्हवऱ्याक माळ घाली, तेन्ना आशा एकेच नदरेन तांकां पळयत उरलें.

....नखशिखान्त नटिल्ली, आंगान फुलिल्ली नवे व्होंकलेचें तेज मारिल्ली ही चली. हें कितें शिकूना? हें आधुनिक विचाराचें न्हय? हांच्या आनी म्हज्या घराच्या वळणांत कितें फरक आसा? आतांच्या दर एका खिणाचें सुख हें भोगूंक शकता. म्हजें डॉली मात...

लग्न जालें. जेवपामेरेनचो मदलो वेळ. आशा भानार आयलें. मदलो वेळ सारपाखातीर लोक हेवटेन-तेवटेन फाफसले. कांय जाण उल्लेले बोवाळपाक लागले.

''आतां तुमी सगळीं आमगेर दोन-चार दीस रावात. कितल्या वर्सांनी सगळीं मेळटात न्ही?''

बेकार जाल्ल्या सुधान आतां खबरांक सुरवात केली. आपणाले चलयेक तो चलो केन्ना खंय, कसो मेळ्ळो हाची सगळी वळेरी दिली. चलयेचें कौतुक कितलें करूं आनी कितलें नाका अशें ताका जाल्लें. इश्टीणी मानो हालयताल्यो. मदीं-मदीं निवूंय उलयतालीं. इतल्यान व्हंकल-न्हवरो पांयां पडपाक थंय आयलीं. पांयां पडून हांसत-हांसत भायर गेलीं.

तांकां पळोवन लट्क्या रागांत सुधा म्हणपाक लागलें, ''आतां पळय कशीं गुलू गुलू उलयतात तीं! मार पयलीं म्हणटालें, आमचें तशें कांयच ना, फकत इश्टूच तो म्हजो.''

हें आयकना बरोबर आशाक कल्ल जालें. डॉली अशेंच म्हणटालें. सुधीराबद्दल डॉलीच्या मनांत अशेंच कांय ना मूं?

आनी हो अनवळखी मनीस डॉली बरोबर दोन दीस रावतलो.

आशाचें लग्नाच्या घरांतलें लक्षच गेलें. लग्न तर जालेंच. आतां हांगा रावन कितें उपेग! शक्य जालें जाल्यार सांजचे गाडयेन गेल्यार बरें....

''आतां मात अती जालें तुजें आशा'' इश्टीणी ताच्या सामक्यो आंगार आयल्यो.

''वचूनी गो. ताका घरापरस घरकाराची याद चड येता दिसता.''

''कितें गो हें? नसत्या वयांत नस्ती फकाणां. आमच्यामदीं एकटेन जांवय सुद्धां हाडलो. ल्हवू ल्हवू आमीय सुनो, जांवय हाडटलीं. आतां आमचें कितें? डॉली घरांत एकटें आसा म्हूण.''

''धे. वीस-बावीस वर्सांचें चली एकटें आनी ताचो हुस्को!''

''म्हाका तर तुजीच काळकूट येवपाक लागली आशा.''

''पयलीं भुरगीं ल्हान म्हूण चिंता.''

''तशें न्ही गो. भुरगीं कितें, सगळ्यांचीच ल्हानाचीं व्हडलीं जातात. पूण

डॉली जाय तशें व्हडलें जावना. भुरगेपणांत विचित्र अशें प्रौढपण आनी आतां व्हडलेपणांत विचित्र अशें ल्हानपण.''

रातची होंकलपावणी वचपाची वेळ जाली तशी सुधाच्या दोळ्यांत दुकां आयलीं. आशाच्या खांदार हात दवरीत तें पुटपुटलें.

''इतलें वाडोवप आनी दुसऱ्यांक दिवन उडोवप न्ही?''

'थंयची वस्त थंयच बरी दिसता गो' अशें एकलेन म्हळें. आशान हेवटेन तेवटेन पळयलें. फाटीं एकदां अशेंच कोणेंतरी म्हणिल्लें. तें आयकून डॉलीन चार-चौगांत फडकन् म्हळें, 'वस्त व्हय आमी बायल? तुमकां कितें शोभेच्यो वस्तू दिसल्यो?' अशी जगावेळी चली.

लग्नाचो दीस सुकण्या सारको उडून गेलो. दुसरो दीस उजवाडलो. पूण कालची उमेद नाशिल्ली. बोवाळ खूब कमी जाल्लो. सुधासयत सगळीं जाणां शॉपींग करपाक भायर सरलीं. आशा मात फाटींफुडें जातालें.

''आशा, येता मुगो आमचे बरोबर?''

''ना गो. आज म्हाका वचूंकच जा.''

''तुजे वाटेक कोण दोळे बिळे लावन बसला काय कितें?''

आशान कोणाचें काना-मनार घेना आसतना आपली बॅग भरली. आनी सुधाचो निरोप घेवन तें वचपाक भायर सरलें.

''आशा, परत केन्ना?''

''पळोवंया.''

''पळोवंया म्हणजे चलयेच्या लग्नाक बी सांगचें ना काय कितें गो?''

''सांगतलें तर. तेंय आतां चड पयस ना. आसा एक भुरगो ताचेच वळखीचो.''

''ताका आवडलो मुगो? मागीर जालें.''

दोन फावटी पळयिल्ल्या सुधिराच्यो आनी केन्नाच पळोवंक नाशिल्ल्या नाडकर्णीच्यो काल्पनिक गजाली आशा सुधाक सांगत रावलें.

ट्रेनींत सुद्धां होच विचार ताच्या मनांत बरोच वेळ घुंवतालो.

.....तो सुधीर येवन घरा रावतलो काय? ताका जाय नाका तें व्यवस्थित पळयतलें वो ना! घरांत सारकें लक्ष दितलें काय ना! एक ना हजार विचार! ह्या विचाराचे घुंवळीनच आशा बस स्टॉपार केन्ना पावलें तें ताकाच कळ्ळेंना.

घरांत भितर सरतकच सगळीकडेन थंड दिसलें. फकत डॉलीच्या रुमात तितलो दिवो पेटटालो. कांयच कसलो बोवाळ नासलो. अनिलाची स्कूटरूय नाशिल्ली.

....चलो तर कराटेचे क्लासिक गेला आसतलो. म्हणजे सांजवेळा डॉली एकटेंच? काय सुधीर बरोबर आसतलो?

''डॉली, ए डॉली, आगो दार उगड हांव. हांव आयलां.''

डॉलीन दार उगडलें मात, आशाच्या काळजांत धस्स जालें.

आंगावयले कपडे अस्ताव्यस्त, केंस विस्कटिल्ले भशेन, नदर भियेल्ल्या भशेन.

"काय बरी न्हीद लागिल्ली. कित्याक म्हाका उठयलें?"

"ह्या वेळाचेर न्हीदप गो?"

"आगे, वाचत बशिल्लें. दोळो केन्ना लागलो कळ्ळेंच ना."

"आनी तुजो पापा खंय गेला?"

"जालो येवपाचो."

आशां रांदचे कुडींत गेलें. पळय जाल्यार अजापाचें. सगळें व्यवस्थित, टापटीप.... म्हणजे ह्या दोन दिसांनी डॉलीन कांयच करूंक ना काय!

आशान फाटल्यान वळून पळय जाल्यार डॉली थंय नाशिल्लेंच. डॉलीचे केंस आनी कपडे सोडले जाल्यार मात सगळें जागच्या जाग्यार आशिल्लें.

"डॉली, दोन दीस भायरूच जेवलीं काय कितें गो?"

"पयल्या दिसाक गेलीं गे. पूण काल तो आयलो न्ही गे!"

"तो म्हणजे कोण गे?"

"आगे, तुजो तो नाडकर्ण्यांचो चलो. त्या दिसा बसीच्या संपाचो बोवाळ जालो. रातचो आनी खंय वतलो म्हूण हांगा आयलो."

"आवय, तो व्हय?" आशाचे दोळे सामके घुंवले. ओगीच काल इश्टीणीच्या आग्राक बळी पडलें. घरा आशिल्लें जाल्यार सगळें वेवस्थित जावपाचें!

"डॉली, तो केन्ना आयलो? कसो दिसता? तुजेकडेन कसो उलयलो?"

"तो आनी ताचो इश्ट खंयतरी ऑफिसच्या कामाक वताले. वाटेंत हो संप बादलो. फाटल्यान वचूंक मेळना आनी फुडेंय वचूंक मेळना. म्हणटकच ते दोगूय हांगा आयले. सकाळ मेरेन संप मिटूंक नाशिल्लो. तशेच गेल्यात. म्हाका मात बेश्टोच हांगा हुस्को जाता."

"डॉली, मागीर तुवें कितें केलें?"

"रांदलें."

"डॉली, तुवें रांदलें?"

"हय. तो शाणो म्हणटालो, कांय करूं नाका. भायरूच जेवया. पूण हांवें नाका म्हळें. फाल्यां तांची घरचीं बी कितेंय म्हणत जाल्यार...."

डॉली सामकें मन लावून उलयतालें. आशाक अजापच जालें.

"जेवणाक कितें केलें?"

"आतां आनीक कांयच विचारूं नाका. दोन दीस रांनून रांनून वाज आयला. दनपारचें आनी रातचें म्हळ्यार फकाणांचीं कामां? तातूंत ही साडी? तो केन्ना वता आनी केन्ना साडी सोडटा अशें म्हाका जालें."

"म्हणजे तूं साडी न्हेसलें?"

"मागीर कितें करूं? एक तरी ड्रेस सारको आशिल्लो? धड इस्त्री ना. मागीर तुजी एक साडी गुटलायली.

"इतली साडी-बिडी न्हेशिल्लें जाल्यार ताका पावपाक कित्याक गेलें ना?"

"अशें तूं म्हण्टा. पापान तशें म्हणूंक नाका? आतां आनी गाडयो सुरू जाल्यात काय ना कोण जाणां."

डॉलीचो आवाज चिंतेस्त जाल्लो. आशाक दिसलें, "बाय गो, गाडयोच कित्याक, आतां सगळें वेवस्थित जातलें." तिणें एक नदर डॉलीचेर घाली. तें कांय उलयनासतना हेवटेन तेवटेन पासयो मारतालें. आशाचो जीव ल्हव कसो जालो.

पांच-धा मिनटांत डॉली भायर आयलें. उमळशिकेन विचारपाक लागलें,

"आई, गेट वाजली गे?"

"ना गो. कित्याक?"

"म्हाका वोगीच भास जाल्ल्याभशेन जालो. हांवें ताका सांगिल्लें. गाडयो सारक्यो ना जाल्यार वचूं नाका म्हण. वोगीच आमकां हुस्को नाका."

आशाक हांसूक आयलें. पूण तिणें रोकडीच मान वळयली. पूण थंय डॉलीचें लक्ष नाशिल्लेंच. बरोच वेळ आवय उलयना तें पळोवन तें परत म्हणपाक लागलें.

"आई, राग आयलो?"

"कित्याखातीर?"

त्या दिसा बोवाळान तो गुलाबाचो व्हाज भायरच उल्लो. बरे कळे आशिल्ले. सगळे गोरवांनी खाले. आय ॲम सो सॉरी."

"आसूं दी गो."

"खरेंच आई, तुवें इतले त्रास केले आनी हांवें तांची वाट लावन वडयली."

आशा कदेलावयल्यान उठलें. आनी फाटल्यान वचून डॉलीक घट्ट धरून म्हणपाक लागलें, "डॉली, इतलें कित्याक मनाक लावन घेता? वेळ आयलो की सगळीं आपशींच फुलतात न्हीं?"

• •

७

सांगाती

आयजू तो तिका मेळूंक नासलो. दीस वाट पळोवपांत गेल्ले आनी आयज तर असली खोशेची गजाल केन्ना काय एकदां ताका सांगन अशी तिका जाल्लें. ती सामकी अधीर जाल्ली. ती ताकतिकेन बेगीन-बेगीन सगळें आटपून घेताली तरी लेगीत ताका मेळपाक तिका कळाव जातालोच. आनी निमाणी वाट पळोवन पळोवन बेजार जावन तो केन्नाय परत सुद्धां वतालो. आनी हेच गजालीक लागून तो केन्ना केन्ना तिचेर उबगतालो.

आपल्या आवडट्या मनशाची दोन-तीन दीस भेट घडना जातकूच कशें चुकल्या चुकल्या सारकें जाता ताचो तांकां बेस बरो अणभव आयिल्लो. खिणाचो कळाव वरासारखो भासतालो. थंय दोन-तीन दीस युगासारके भासले जाल्यार अजाप न्ही.

पूण खरें म्हळ्यार इतलें उतावीळ जावपाची गरज नासली. कारण तांची कांय नवीनच वळख न्ही. वळख जावन आतां बरेच दीस सरिल्ले. आनी आतां तर वळखिचें रुपांतर इश्टागतींत जाल्लें. घडये तेचखातीर तिका इतली हुरहुर लागताली.

ज्या दिसा पयलेच खेप ताची आनी तिची भेट जाली तो दीस तांचेखातीर यादस्तेंत उरपासारखो. तो तिका दिसलो, ताणें तिका पळयली आनी ताणें मन जिखपासारखीच तिची अवस्था केली. दोळ्यांची भास दोळ्यांकूच समजली. उतरांची थंय गरजच उरली ना. ताच्या कांचवेल्ल्या मनाक तिणें सावरून धरलें ताचें

नवखेपण तिका उमजलें आनी तिणें ताका आदार दिलो.

आनी ताणेंय तिका समजीकाय दाखयली. आपलेपण दाखयलें. आपलीं सुखदुःखां, आपलीं स्वप्नां, आपल्या गांवच्यो यादी, इश्टांकडेन उलयिल्ल्यो गजाली, सगळें सगळें ताणें तिका सांगलें आनी मन सामकें सदळ केलें. तिचें आनी ताचें आतां एक अतूट नातें निर्माण जालें.

जे पिरायेर मनशाक आपल्या मनशांची नितांत गरज आसता अशावेळार तो तिच्या जिवितांत आयलो. तिका दिसलें, जगपाक कितें तरी अर्थ आयला. दोगांय एकमेकांमदीं इतलीं भरसलीं की, 'हांव', 'तूं' असो कांयच भेद उरलोना.

तीं आतां सदांच एकमेकांक मेळटालीं. सकाळीं स्टॉपार ती ताची णव वरांचेर वाट पळयत आसताली. घड्याळांत णव वरां जालीं म्हण्टकच तिका ताची सुलूस लागताली. पयसुल्ल्यान तो येतना दिसलो की, तिचे दोळे चकचकपाक लागताले. पूण एक-दोन मिनटां उशीर जालो जाल्यार तिच्या जिवाची घालमेल जाताली. ती भितल्लेभितर फुगार जाताली. पूण करतली कितें? सदांच उशीर. दुसऱ्याचे वेळेची, भावनांची हाका मात लेगीत पर्वा ना! पूण एक हुस्कोय जातालो आनी तो दिसलो रे दिसलो, तिचो जीव सूऽऽ जातालो.

तो येतालोच मुळांत ऐटबाज पावलां घालीत. तिजो हुस्को माड्डीत, तिचें फुगासांव विरयत. ताची चालूच तशी दिलखेचक आशिल्ली. स्टॉपावयले सगळेजाण ताका एकटक पळयत रावताले. तो स्वतःचेच तंद्रित.... पूण ताचे दोळे मात वेध घेत आसताले. ताचे नदरेक एकदां दोळे भेटयले म्हणजे सगळो राग, वैताग, खंयचे खंय विरगळून वतालो. ते उपरांत वर देड वर खबरांच्या बोवाळान केन्ना कशे वताले तें कळनाशिल्लें. बर्सातल्यान दॅखतकच दोगांकय एकमेकांक सोडूंक जिवार येतालें. पूण नोकरी आशिल्ल्यान पयस जावपाबगर दुसरो उपाय नासलो.

निमाणी वर, देड वर मारिल्ल्या गजालींची पुंजी घेवन तीं एकमेकांचो निरोप घेतालीं आनी दुसऱ्या दिसाची वाट पळयतालीं.

केन्ना केन्ना तीं शेनवारा दनपारचीं नाजाल्यार आयतारा सांजचीं मेळटालीं. त्या दिसा मात तीं सुमेगार्दीन भोंवतालीं. कारण सदांचे भशेन तातकिक नासताली. तिकाय बरें मेकळें मेकळें दिसतालें. आयताराचो दीस म्हणजे तांचेखातीर पर्वणीच धरतालीं. तीं रंगांत रंगतालीं. हो आनंद काळजाच्या करंडांत असोच दवरचो अशें तिका दिसतालें. त्यावेळार तो सुंदर उलयतालो. तिका दिसतालें ताणें अशेंच उलयत रावचें, थांबचेंच न्ही.

पूण सदांच केन्नाय आपणाच्या जीवाभावाच्या इश्टाचे यादीन ताचे दोळे भरून येताले आनी भरिल्ल्या दोळयांनीच तो म्हणटालो, "हें पळय, म्हाका सोडून तुवें पयस वचप ना आं. नाजाल्यार म्हज्या बाकीच्या इश्टांचे चार-चार दीस तोंडूच दिश्टी पडना."

आनी ताचें तोंड बावतालें. "पिसो! तुका सोडून हांव कशें पयस वतलें? हांस पळोवया."

असल्याच गजालींनी तांची सांज परमळून वताली.

आनी फाटले दोन दीस तो तिका मेळूंक नासलो. काळजांत घडी करून दवरिल्ली ती खोशयेची गजाल ताका केन्ना एकदां सांगन अशें तिका जाल्लें. ताचीं चिंतनां मनांत घोळयत ती आवराआवर करताली. इतल्यान घड्याळांत टोलो वाजलो.

पळय जाल्यार साडे-आठ जावन गेल्यांत. "माय गुडनेस्! आतां अवघें वरच उरलें. आज ताका कसोच वगडावप ना. नाजाल्यार सामको रागान वतलो. आनी म्हाकाय चुटमुटे पडटले."

भरभर चलून ती बसस्टॉपार पावली. बरोबर णव-पाचांक तो पयसुल्ल्यान येतना दिश्टी पडलो. सदचे भशेनच दमदार पावलां घालीत. तिचो सगळो शीण थंयचे थंय नाच्च जालो. तो ल्हवूच लागीं आयलो. ताची नजर तिका सोदताली. तिणें हात हालयला. तिच्या सुंदर टपोऱ्या दोळयांतली चमकी ताका दिसली. तो तिच्या म्हऱ्यांत येवन उबो रावलो.

"कसो आसा?"

"बरे बेगीन म्हजी याद जाली. दोन तीन दिसांनी न्हय?"

"ना रे, म्हाका येवकूंच मेळ्ळें ना."

आतां ही मनांतली गजाल सांगनाफुडें तो कितें म्हणटलो काय? तिका दिसलें.

"अशे दोन-तीन दीस कसलें काम आसलें तर?" ताणें पटकन विचारलें.

"सांगना मरे? ऑफिसाक वचपाक मातसो वेळ जाल्यार उपकाराता व्हय?"

"असली कसली गजाल सांगतलें तर आज? बाकीचें कितेंय आसूं, तुज्या तोंडावेल्यान कळटा कीं तू आज खूब खोशी आसा."

"हय" म्हणून तिणें मान हालयली.

तीं दोगांय चलपाक लागलीं.

"खंय या?"

"खंयच्याय हॉटेलांत बसून कॉफी घेंवया." तिणें सांगलें.

"म्हजी कांय हरकत ना." ताणें म्हळें.

तीं दोगांय लागींच्याच एका हॉटेलांत भितर सरलीं.

"ए, सांग मगो ती खोशेची गजाल."

कॉफीची ऑर्डर दिवचे पयलींच ताणें विचाल्लें.

"जाणां मरे, म्हजें लग्न थरलें!"

"कितें?"

"हय, आनी हीच खोशेची गजाल तुका केन्ना काय सांगन अशें जाल्लें."

"ए तूं वोगी कित्याक?"

तिणें रोखडेंच ताका विचारलें. तरी पूण तो वोगीच रावलो. अशीं मोन्यांनी एक-दोन मिनटां गेलीं.

"इतले खोशेची गजाल म्हाका इतल्या उसरां सांगपाची मगो?"

"ना रे. सगळें वेवस्थित जातकच तुका सांगचें म्हण राविल्लें."

तिणें ताका समजावपाचो यत्न केलो.

"मनापासून अभिनंदन!"

"पूण म्हाका एक सांग, आयुष्याचो सांगाती मेळ्ळो म्हणून म्हजी इश्टागत तोडचो ना. न्ही?"

"ना रे. तें कशें शक्य आसा?" तिच्या दोळयांच्यो पातकड्यो ओल्यो जाल्यो.

आनी केन्ना न्हय, तितलो तो खोशी जालो.

• •

७

आवयची सोयरीक

पापाच्या वर्सश्राद्धा दिसा रातची मां म्हणपाक लागली,

"हांवें दुसरें लग्न करपाचें थारायलां. तुका केन्नापासून सांगपाचें आसलें पूण संद मेळ्ळी ना. आयज वर्स जालें हांकां वचून. आयज सांगून वडयतां."

हांव आयकतूच उरलें. म्हजी पिराय सोळा. पापा वचून आयज वर्स जालें. पापाचो फोटो लेगीत पळयत जाल्यार पोटांतल्यान हुंडको येता. दिसता, इतले बेगीन पापाक व्हरून देवान कितें सादलें काय? अवघे चोवेचाळीसावें वर्स. आमचेखातीर कितली धडपड करतालो. चोवीस वरां ताका आमचा हुस्को. मांक चाळींत रावपाक आवडनाशिल्लें म्हणून दिसरात कश्टलो. आपल्या सगल्या आवडी-निवडीचेर उदक सोडलें. कशे कशे पैशे एकठांय केले आनी हो नवो ब्लॉक घेतलो. ब्लॉक सजोवपाक पैशे उरले नात म्हणून मांन आपले शिकवणिचे थोडे पैशे मोडपाचें थारायलें. तेन्ना पापान रोखडेंच सांगलें,

"नाका. तुवें जोडिल्ली जोड तुजेच खातीर मोड. संवसाराखातीर, घराखातीर सगळो खर्च हांवूच करतलों."

मागीर परत पापाची धडपड सुरू जाली. ब्लॉकय मांचे मर्जेप्रमाणे सजयलो.

आनी एके अक्षय तृतियेक आमीं नव्या घरांत गेलीं. घरप्रवेशाच्या निमतान मांन आपणाखातीर सुंदर हार केलो आनी म्हजें तोंड वांकडें नाका म्हणून पापान

म्हाका घड्याळ घेतली. पापान आपल्याखातीर मात एक फावंटन पेन घेतलें. सामकी ल्हानपणापासून ताका फावंटनपेन वापरपाची खूब इत्सा.

पयलीं केन्ना केन्ना तो कविता बरयतालो आनी असलें लेखन करपाक ताका फावंटन पेन आवडटालें. पूण मदीं केन्ना घेतलें ना. आनी आतां संवसाराचे कटकटींत सगळी हौस विरून गेल्ली. ज्या दिसा ब्लॉकांत आमी रावपाक आयलीं, त्या दिसा रातचें पापान कितें तरी बरयलें. आमकां दिसलें, कविता! पूण पापान डायरेंत ब्लॉकासंबंदिचो सगळो खर्च बरयिल्लो.

पापा सामको प्रामाणिक. तो जंय नोकरेक आशिल्लो थंय ताणें मनांत हाडिल्लें जाल्यार खोऱ्यांनी पैशे ओडूं येताले. पूण पापान केन्ना हरामाचे जोडिची वान्सा धरली ना. चड पैशे जाय जाल्यार चड कश्ट करपाक जाय हें ताचें तत्त्व.

'जगांत हरतरांचे उद्येग आसात. लज बीज सोडून दिवन कसलोय उद्येग केलो जाल्यार ह्या जगांत कोण उबांतरा पडना' हें म्हज्या पापाचें तत्त्वज्ञान. असो आगळो-वेगळो म्हजो पापा! हरशीं पैशाच्या वेवहारांत पापाकडेन मांचो मदांच वाद जातालो. आमी चाळींतल्यो त्यो दोन कुडी मालकाक फुक्यासवाय सोडून ह्या ब्लॉकांत आयलीं तेन्ना मां पापाचेर खुब तिडकली. ते चाळींत आमी सुमार वीस वर्सां राविल्लीं.

''ही तुमची करणी सामकी पिशेपणाची. आयज सगळेकडेन घर सोडटना मूळ घरमालकाकडल्यान पैशे घेतात. तुमी मात त्या आपाक फुक्यासवाय सगळें दिवन वडयलें. ते आपूण जावन पंचवीस हजार दिवपाक सोदताले जाल्यार तुमी ते नाका म्हळें. ब्लॉकाखातीर उपेगाक येवचे नासले? निदान फर्निचर तरी घेवपाक मेळपाचें. पूण तुमी राजा हरिश्चंद्राचे अवतार आनी तुमचे तुकारामाचे वेवहार!''

मांचे हे बडबडीचेर पापा फक्त मनमेकळो हांसलो. मां मात कितलेशेच दीस ह्याच विशयाचेर ताका घालून-पाडून उलयत आशिल्ली. पूण पापान तेखातीर केन्ना तकली बेजार करून घेतलीना.

आनी दुसरी अक्षयतृतिया येवचे आदींच पापाचे मर्ण. सोंपणां चडून वयर येतां येतां इस्कादी वयल्यान सकयल पडलो तो परत उठलोच ना. दोतोर म्हणपाक लागलो,

''अती त्रास जावन काळीज बंद पडलें. हार्ट अटॅक!''

आमचेर मळब कोसळ्ळें. म्हाका तो खूब खूब शिकोवपाचो आसलो. मां खातीर कलर टी.व्ही. घेवपाचो आसलो. शिवाय जाण्टेपणांत रिटायर जातकूच कितें कितें करपाचें तें सगळें आंखून दवरिल्लें. झोपाळयाची ताका खूब आवड आशिल्ली. गॅलरींतूच ल्हानशी बाग करची अशेंय तो म्हणटालो. हेखेरीज आनीकूय बारीक-सारीक खूब गजाली करपाच्यो आसल्यो. पयल्या माळयावयल्या देशपांडेकडल्यान पेटी शिकून घे म्हणून म्हजे फाटीक लागिल्लो. वर्सभरांत पेटयेची व्यवस्था करतां अशेंय सांगिल्लें.

पूण सगळें अर्दकुटें उरलें. वण्टी वयलो फोटो पळयलो म्हणटकच ताचो तो

निमाणो काळो-निळो जाल्लो चेहरो म्हाका याद जातालो. तागेल्यो अर्दकुट्यो उरिल्ल्यो इत्सा पूर्ण करपाचो हांव निश्चेव करतालें. तशे प्रयत्नय करतालें हांव. आनी मदींच मात हें भलतेंच कितें आडायलें!

कबूल! पैशांखातीर आमची खूब ओडाताण जाताली. मांन चार-पांच शिकवण्यो केल्यो म्हणून आमचो खर्च भागना. ब्लॉकाच्या पैशांची विम्याच्या पैशांतल्यान वेवस्था जाल्ली. पूण म्हज्या शिक्षणाचो खर्च आनी वाडटी म्हारगाय मांक खरस काडटाली.

पूण हाचेर उपाय म्हणून वर्सभरान मांन हो निर्णय घेवपाचो? तोवूय एकमतान? हांव तिचें कोणूच न्ही? आनी सगळयांत म्हत्वाचें म्हळयार पापाक तिच्या काळजांत कांयच सुवात ना? इतले बेगीन पापाक विसरली ही? विशेक वर्साचो संवसार!

एकामेकांच्या सहवासांत घाल्लीं वीस वर्सां धुंवरासारकीं वाऱ्यार सोडलीं! पयल्या वर्सश्राद्धाच्या दिसा असो निर्णय खंयची विधवा घेत काय? विधवा विवाह चळवळ बी भाशणांतल्यान सांगपाक, पेपरांतल्यान वाचपाक बरी आसा. पूण खरेपणीं.....

निखटी कल्पना लेगीत आंगार कांटो हाडटा. पूण हांगासर कल्पनाच प्रत्यक्ष जावन म्हज्या दोळयांमुखार उबी!

हांव सामकें कांचवेल्लें. मांक खूब खूब कितें विचारपाक जाय. केन्नापासून थरलां हें? पापा वचचे पयलीं तर न्ही? पापा त्याच मनस्तापान बेगीन वचूंना न्ही? मां, तूं इतली स्वार्थी कशी गे? स्वत:चें सूख तितलें पळयता? आनीक दोन-तीन वर्सांनी म्हज्या लग्नाचो विचार करपाचो, थंय आपल्याच लग्नाचो विचार? लोक कितें म्हणटले?

सगळे प्रश्न ओंठाकडेन दाटी करून उबे रावताले. पूण एकूय उतर भायर फुटनासलें. विचित्र नदरेन हांव मांकडेन पळयत उरतालें.

म्हजी ही आवतिकाय मांचे नदरेंतल्यान सुटलीना, तशी म्हज्या माथ्यावेल्यान हात भोंवडायत म्हणपाक लागली,

"तुका हांव स्वार्थी दिसत, घडये चंचल दिसन. पूण तुज्या बापायन फाटल्यान एक पैसो दवरूना. सगळे बँकबूक रितेच आसात. म्हाकाय नोकरी मेळना. ह्या आलीशान ब्लॉकांत रावतां खरीं पूण उपासमारेची पाळी येतली. तुजें शिक्षण पूर्ण जावपाक आनीक पांच वर्सां आसात. फकत शिकोवण्यो करून हीं पांच वर्सां व्यवस्थित संवसार करूंक शकचेना हांव. हांवें आमची सगळयांची सोय पळयल्या. तांची वर्तमानपत्रांत जायरात आयिल्ली. ते एकटेच आसात. शेजारचे रमाकाकीन म्हाका हें सुचयलें. खूब विचार केल्याअंती म्हाका तें पटलें. आतां तूंय समजून घे. कारण आतां तुजोय संबंद आसा."

"कोण तो मनीस?" हांवें रागानूच विचारलें. मां मातशी तापुनूच म्हणपाक लागली,

"मनीस कितें म्हणटा? तुजो बापूय जातलो तो. हांवें असो निर्णय घेतला तातूंत ताचो कितें दोश? तांकां तुजी वळख जाल्ली जाय. तुजेकडेन तांकां

खूब उलोवपाचें आसा. तूं तांकां रस्त्यावयलो कोण लटर-फटर मनीस समजूं नाका. ते कितें करतात....."

मां ताचेविशीं आनीक कितें कितें सांगपाचो यत्न करताली पूण हांवें तिचें पुरतें आयकुनूच घेतलें ना.

"तो कोणूय आसलो तरी हांव ताका म्हजो पापा म्हणून मानचेंच ना. मां, म्हाका तुजें वागणें मातलेगीत आवडूंक ना आनी पळय, तो मनीस लग्न जावन ह्या घरांत रावपाक आयलो जाल्यार हांव ह्या घरांत रावचें ना."

"तुवें घरांतल्यान वचपाचें कसलेंच कारण ना. मातशें समजून घे. तांचें स्वत:चें व्हडलें स्वतंत्र घर आसा. तांकां कसली गरज ह्या घरांत रावपाची? परत तांणीच आमकां थंय रावपाक आपयल्यांत. ते तुजी सगळी जबाबदारी घेवपाक तयार आसात. तशी तांणी मनापासून इत्सा प्रगट केल्या. आतां निर्णय तुवें घेवपाक जाय. बेठीच तकली तापोवन घेवं नाका. वडापुनवे दिसा आमी लग्न जावपाचें थारायलां. तांच्याच घरा वैदिक पद्धतीन लग्न जातलीं. कोणांक आपोवचीं ना. पूण तांची इत्सा आसा तुवें येवचें अशी."

तेय अवस्थेंत म्हाका हासूंक आयलें. आपलेच आवयच्या लग्नाक आपणें हाजीर रावपाचें! अक्षता वडोवपाच्यो. लग्नाचे लाडू खावपाचे. गोड-धोड जेवण जेवपाचें. वा! कितें मजेदार प्रसंग एखाद्याच्या जिवितांतलो! आनी लग्नाचो मुहूर्त खंयचो काय म्हळ्यार वडापुनवेचो! जशें कितें सत्यवान-सावित्रीचें जोडें! त्रिखंड सोद्न असलें जोडें मेळपाक कठीण. आनी हाचे आदीं जी वडापुनवेक पूजा केली ताचें कितें? काय त्याच पुण्याच्या बळार पापाक बेगीन मरण आयलें? आनी वर्सभरांत ही नवी सोयरीक!

परत तकलेंत घण सादपाक लागलो. दोळे धांपून हांव स्वस्थ पड्न रावलें. पापाचो वन्टीवयलो हांसत्या मुखाचो फोटो पळोवन मात म्हाका रडपाक आयलें. हांवें ओठांतल्या ओंठांत म्हळें, पापा, तूं म्हाका जाय आशिल्लो रे. फक्त म्हजेखातीर तुवें रावपाक जाय आशिल्लें. आनी त्याच वेळार संताप आनी खंती भरशीं अकस्मात तकली गिरगिरपाक लागली. सकल पडटाशें दिसलें..... आनी मागीर कांयच कळ्ळेंना.

पंदरा दीस लागले म्हाका बरें जावपाक. पूण हे बाबतींत हांव एक उतर उलयलेंना. आनी मां लेगीत तोंड धांपून मोन्यांनी घरचीं कामां करताली. सगळीं पुरुमेंताचीं कामां ती करपाक लागली. गॅलरींत बसून हांव तें सगळें पळयतालें. पापड, सांडगे, हळद, मसाले, कड्डणां, सगळें-सगळें सुकोवन जालें. लोणचें, मिरसांगो, हळदीचो पिठो बिजरान भरून दवरलो. पयलीं हीं सगळीं कामां करपाक हांव थोडोतरी हातभार लायतालें. शेवयांचे घोस करपाक म्हाका खूब आवडटालें. पूण ह्यावेळार तिणें म्हजेबगर सगळें एकटेनूच केलें. तिका हे खेपे कामाचो खूब त्रास जालो हाचें म्हाका मनापासून वायट दिलें. पूण एके परीन सूड घेतिल्ल्याचें समाधान भोगलें. अशें अलिप्त रावन म्हाका तिका जाणवून दिवपाचें आसलें,

हांव पापाक ह्या जल्मांत विसरपाचें ना. आनी ह्या नव्या परक्या मनशाचेर नदर लेगीत घालपाचें ना. हो समजता कोण आपणांक? म्हज्या मांक म्हजेपासून पयस व्हरता? चुकून समोरा समोर गांठ पडली जाल्यार ताका जाप विचारले बगर रावचें ना. ड्यॉंबीस खंयचो....

ओंठांतल्या ओंठांत पुटपुटत हांव बसून रावलें. मां काम करीत आशिल्ली आनी तिवूय कसल्या तरी विचारांत गुंतून पडिल्ली.

अखेर लग्नाचो दीस फाल्यांर पावलो. वगीच म्हजो धीर खचिल्ले भशेन जालो. हांव धडधडट्या काळजान सगळें पळयत रावलें. मांन रातची आपली बॅग भरली. आनीक सामानाची एक पिशवी भरली. उसरां रातची म्हजे खाटीकडेन येवन म्हणपाक लागली.

''फाल्यां हांव वतां. सामान भरून दवरलां. तूंय थंय रावपाक आयल्यार बरेंच जालें. ते तुजी मनापासून वाट पळयतात. खऱ्यांनीच तांची एकदां वळख करून घे. तुवें हांगा रावल्यार म्हजी कांय हरकत ना. दोनूय वेळचो दबो धाडून दितां. अर्दी-मर्दी येवन खावपाचेय दबे भरून दवरतां. तरी आसतना म्हाका दिसता, तुवें थंय रावपाक येवचें. हो ब्लॉक तुजोच उरतलो.''

''हय, हो म्हजोच. म्हज्याच पापाचो. म्हाका ताची फुटकी दमडी सुद्धां नाका. समजली? आनी तांच्या घराचे अन्नाचो एक कण सुद्धां तोंडान घेवपाचें ना. तूं खुशाल तांचेबरोबर लग्न कर. सुखान राव. हांव हांगचें सगळें पळयतां. तुका म्हजी काळजी करपाची गरज ना.'' हांव एका दमांत उलयलें आनी तिचेकडेन फाट करून न्हिदलें.

सकाळीं उठलें तेन्ना खऱ्यांनीच घरांत मां नाशिल्ली. घर सामकें खावंक आयलें. कोयर काडून, लादी पुसून मां गेल्ली. रातची आयदनां घासून लख्ख बरीं फळयार मांडून दवरिल्लीं. दूद तापोवन दवरिल्लें. दुदाचो ग्लासय मेजार दवरिल्लो. म्हज्या वखदांची गुळी थंयच आशिल्ली. हें सगळें पळोवन म्हाका रडूंक आयलें. हातपांय गळसणावन हांव सोफार बसलें. सहज लक्ष वण्टीकडेन गेलें. पापाच्या फोटवाक ताज्ज्या फुलांचो हार घातिल्लो. तें पळोवन म्हाका आनीक गलबलून आयलें. हड्ड्यांतल्या हड्ड्यांत खूब रडलें. परत कॉटीचेर आंग लकोवन दिलें. इतल्यान बेल वाजली. कच्च करून आंग काडलें. उठलें, आनी दार उगडलें.

''सोनिया दीदी, तूं वचूंना लग्नाक?''

''कोणाच्या?'' हांवें सादेपणान विचारलें.

''कोणाच्या म्हणजे? तुज्या मांच्या. तुका खबर ना? फांतोडेचेर बरी नटून-थटून गेल्या खंय. म्हाका मम्मीन सांगलां, तुका विचार म्हण. तुज्या मांन तुका खावपाक कांय करूंना जाल्यार आमगेर च्या पिवपाक यो म्हळां. काय हांगाच घेवन येवं च्या आनी फोव?''

धाकलें मनीषा चड तें आठ वर्सांचें आसतलें. पूण दोळ्यांची चमक दुश्ट. आनी फकाणां मारप सामकीं जाण्ट्यांभशेन. आनी बरोबर चारपांच पोरांक घेवन

आयिल्लें. असो राग आयलो!

"चलात पळोवया सगळीं. नाजाल्यार एकेकाच्या मुस्कटाबरोबर दितलें. मनिषा, तुजे मम्मीक सांग म्हाका नाका ती च्या आनी ते फोव. तुज्याच खांडीभर पोरां घाल म्हणून सांग."

अशें आड़डत हांवें धाड्कन दार लावन घेतलें.

सोनी,

हांव आजपासून नव्या घरांत रावपाक वतां. आयचोच दीस तूं रांदून जेव. फाल्यांपासून दोनूय वेळचें जेवण करपाक हांव येतां. म्हणजे नव्या घरचें अन्न खावपाची पाळी तुजेर येवचीना. कॉलेजींत फी भरपाची आयज निमणी तारीख. तुवें फी भरली? ना जाल्यार आयज भरून यो. मनाक कांयच लावन घेवं नाका. हांवें जगावेगळें कांयच करूंक ना. जें केलां तें म्हज्या सुखाखातीर तर जालें, पूण तुज्याय सुखाखातीर केलां. म्हाका समजून घे.

तुजीच,
मां

मेजावयली चीट रागान हांवें पिंजून वडयली.

घड्याळांत पळयलें. धा जावन गेल्लीं. अकरांक पयलें लेक्चर. बेगी-बेगीन तोंड धुलें, सडसडीत न्हावनय घेतलें आनी कॉलेजींत वचपाक तयार जालें. दुदाक घोंट मारतलें, इतल्यान बेल वाजली. दार उक्तें कर जाल्यार म्हजे क्लासींतलीं एकता आनी नम्रता. दोगांय आयिल्लीं, भौतेक कॉलेजींत वचपाक. हरशीं सकल्यानूच उलो मारतालीं. आयज मुद्दम वयर आयिल्लीं.

"आगो, आमी कितें आयकतात गो? तुजी आवय खंय दुसरें लग्न करता? एक वर्स सुद्धां जावंना मगो तुज्या बापायक वचून. असो कोणतरी मेळ्ळो गो तुजे मांक? ताणें बायले बरोबर चलीय रेडीमेड मेळयली न्ही गो नम्रता?"

एकतान हेळ काडीत म्हळें.

"तुजो चान्स गो. नवो पापा, नवें घर. आमकां पार्टी बी केन्ना दितलें? एकदम फर्स्टक्लास पार्टी जाय." मागीर दोगांय खो-खो करून हांसपाक लागलीं.

एकदम म्हजे तकलेंत जोगूलशें पेटलें. नम्रताच्या कानसुलाचेर फाइकन एक लायलें आनी तें गाल चोळीत उबें आसतनाच हांव शुद्ध वचून कोसळ्ळें, इतलेंच याद जाता.

कितले दीस मर्दी गेले ते कळ्ळेंच ना. शुद्धीर येवन दोळे किलकिले करून पळयलें. सामकारा पळय जाल्यार एक दोतोर. मध्यम वयाचो, शांत मुखाचो, म्हज्या म्हन्यांत बसून म्हजो हात आपल्या हातांत घेवन रावला. अर्दकुटे धवे जाल्ले केंस. काळे फ्रेमीचें जाडशें वक्ल. रंग गोरोपान. हे पिरायेर लेगीत तो

हॅण्डसम दिसतालो. ताचें हांसकुरें तोंड पळोवन म्हाका एकदम हायशें जालें.

हांवें उलोवपाखातीर ओंठ उगडले. पूण तोंडांतल्यान उतरां भायर सरलींना. जीब जड जाल्लेभशेन दिसली. खूब उलोवपाचें आसलें. इतल्यान दोतोर म्हज्या केंसांतल्यान हात भोंवडायत म्हणपाक लागलो,

''आतां बरें दिसता न्ही? आतां ह्यो गुळयो दुदाबरोबर घे. थाकाय मेळटली. आयज सात दिसांनी तूं शुद्धीर आयलां. आतां परत कसलोच विचार करप ना. आतां फकत विसव घेवपाचो.''

दोतोरान जतनायेन बाटलेंतसून गुळयो काडल्यो. दुदाबरोबर म्हज्या तोंडांत घाल्यो. मागीर नॅपकीनान आंगावयलो सगळो घाम पुसून काडलो. आपल्या दोनूय हातांनी म्हाका फाटल्यान तेंकून बसयलें. आतां म्हाका खूब खूब बरें दिसतालें. तकलेंत मात सगळो गोंदळूच जाल्लो. हांव हॉस्पिटलांत आसां हें कळटालें. इतल्यांत एक नर्स आयली. तिच्या सांगातान त्या दोतोरान म्हाका तपासलें आनी नर्सीन म्हाका हांसत-हांसत एक इंजेक्शन दिलें. दोळयांक परती झांपड आयली.

मागीर आठ दीस मेरेन ल्हवू-ल्हवू शक्तीहीण जाल्लेवरी जाणवपाक लागलें. उबें रावप, चार पावलां चलप, असलें कितेंच जायना जालें. तकलेंत सारखी यादूय उरना जाली. हांव न्हिदतालें. उकत्या दोळयांनी सगळें पळेतालें. मुखार येता तें दोतोर फोर्स करता म्हणून जेवतालें.

तरी पूण हांव कोण? कोणाचें? ह्या हॉस्पिटलांत केन्ना आयलें? कोणें हाडलें? केन्नापसून? हाचो कांयच म्हळयार कांयच अदमास लागना आसलो. नर्सी म्हजी खूब काळजी घेतालीं. म्हाका पेपर वाचून दाखयतालीं. म्हजेकडेन उलयतालीं. पूण तो दोतोर आयलो कि जीवाक खूब बरें दिसतालें. तो येतकच म्हजेकडेन खूब-खूब उलयतालो. उलयतां उलयतां म्हाका कसल्योतरी गुळयो दितालो. आनी वयल्यान म्हजे आवडीचो संत्रांचो ज्यूस.

खूब दिसतालें, मां येवपाक जाय आशिल्ली. तिका सामकें पळयन दिशिल्लें. कितले दीस जाले मेळूंकूच नासली. कितें करता काय आतां? पापाबरोबर म्हाकाय विसरली? इतली त्या परक्या मनशाच्या सहवासांत रमली? हांव इतलें बरें ना म्हण म्हजे खबरेकूय येवना. म्हाका शुद्धीर आयल्यार आठ दीस जावन गेले. फक्त हॉस्पिटलांतले लोकूच काळजी घेतात. तरी बरें तो दोतोर बरो म्हणून. मां.... मां गे, अशें म्हणून हांव कळवळ्ळें आनी दोळयांर झांपडी आयिल्ले भशेन जाली.

जाग आयली तेन्ना दोळयांमुखार उजवाड फांकलो. जनेलांचे पड्डे फॅनाच्या वाऱ्यान फडफडटाले. आनी कितें अजाप? पांयांकडेन मां बशिल्ली. सामकी हांसत-मुख. पांचवीच बरी जरीची साडी. गळयांत घसघशीत तीन पदरी मंगळसूत्र. कानांत मोतयांच्यो वेडी. हातांत भांगराच्यो गोठ-पाटल्यो. सुंदर, अती सुंदर! ही.... ही म्हजीच मां! हांव पळयत उरलें.

''सोनी, जाली न्हीद?'' येवन पळयता तेन्ना सदांच न्हिदिल्लें. उठ मगो.

चल, तोंड बी धू. नर्स जेवण घेवन येवपाची जाली.''

गालांतल्या गालांत हांसत ती म्हज्या म्हऱ्यांत आयली.

हांव भारावल्ल्याभशेन उठलें. ल्हवू ल्हवू बेसीनाकडेन वचून तोंड धुवन परत आयलें. तोमेरेन ताट वाडून दवरिल्लें. वा! बटाटाची भाजी, गोड दाळ, शीत, लुसलुशीत चपात्यो. वायंग्याचें तोंडाक, लिंबाचें लोणचें. कितलेतरी दीस हांव विचार करतालें, हॉस्पिटलांत इतले दीस इतलें रूचीचें जेवण कशें मेळटा? सदांच ताटांत म्हजे आवडीचे वेगवेगळे जिनस. तेन्ना कांयच कळूंक नासलें पूण आतां कुवाडें सुटिल्लें. मां खेरीज कोणाच्या हाताक अशी गोडी आसचीच ना.

सगळें याद करतां करतां दोळे भरून आयले. आनी हात-पांय थरथरपाक लागिल्ले भशेन जाले.

''जेव म्हज्या राजा, तुजेखातीर सदांच दबो घेवन येतां. थंयचो न्ही आं. आमच्या पोरण्या घराकडल्यान तयार करून हाडटालें. पोटभर जेव. जीव कितें जाला पळय. बरी ताकद येवूंदी. नातर अभ्यास कशें करतलें? आतां अजिबात हयगय करपाची ना. कांय चिंतपाचें ना.

आनी उलयतां उलयतां ती म्हाका भरोवपाक लागली. जीवाक खूब बरें दिसलें. तकलेवेलो भार उणो जाल्ले भशेन दिसलो.

मागीर आठ दीस मां हॉस्पिटलांत येवन बसताली. वखदां, फळां, जेवण दितना हांव तिका पळयत उरतालें. कितली सुंदर दिसताली! लग्नाचें तेज चडिल्लें तोंडाचेर आनी सगल्या आंगाचेर. केन्ना केन्ना हांव न्हिदेचें सवंग घेवन ल्हवूच तिका बारीकसाणेन पळयतालें. अर्दी-मर्दी म्हजेकडेन पळयत विचार करताली आनी पालवाच्या पोंतान ल्हवूच आपले दोळे पुसताली. म्हज्या पोटांत गुळो उठटालो.

मागीर घरा वचपाचो दीस लागीं आयलो. तशें हांव परत थतर-वितर जालें. अन्नावयली वान्साच गेली. वखदांचो, इंजेक्शनाचो मारो चालू आशिल्लो. पूण हात पांय बरेच थरथरताले. आनी शेवटाक वचपाचो दीस उजवाडलो.

....आतां परत त्या रित्या घरांत एकल्यानूच वचपाचें. कोणूय येत काय म्हण वाट पळयत बसपाचें. आपणाचेरूच फडफडपाचें. सामकारा पापाचो फोटो आसतलो. परत तकलेर घण सादतले. सामकी विचित्र अवस्था! मागीर कसलो अभ्यास आनी कसलें कितें! बेठो विचार केल्यारच जीव नाका जाता.

इतल्यान सगळी तयारी करून हांसत हांसत मां आयली.

''चल बाय, वचपाचें करूंया. तूं आतां सामकें बरें जाय म्हणसर हांव तुजे बरोबर त्या घरांत येतां. तशें हांवें तांकां सांगलां. तांणीय जाय तितले दीस राव म्हळां. चल या.''

मांन कपड्यांची, वखदांची पोती घेतली आनी आमी ल्हवू ल्हवू भायर सरलीं. म्हजी मां आजून तरी म्हजीच आसा हे जाणीवेन म्हाका कितलोसोच धीर आयलो.

भायर व्हरांड्यांत येतकच म्हाका त्या दोतोराची याद जाली. मां नाशिल्ली तेन्ना ताचो केदो आदार आशिल्लो. ताचेच खातीर तर हांव मनशांत आयलें.

परत नव्यान जगपाची इत्सा मनांत रुजली. नकळटना म्हजी पावलां दोतोराचे डिस्पेंसरीकडेन पडपाक लागलीं. ह्या सात-आठ दिसांत म्हाका तो चड मेळूंक नाशिल्लो. आतां तरी मेळ्ळयार पुरो!

"थंय खंय वता? कोणाक मेळपाक?" मांन विचारलें.

"त्या दोतोराक. ताका मेळून ताचो निरोप घेवन येतां. ताणें म्हाका खूब मदत केल्या आनी हीं ताचीं पुस्तकां परत करपाक जाय."

मां पिशावरी पळयतच रावली. खिणांत तिच्या दोळयांत आयिल्लें उदक तिणें चट्‌कन पुसलें.

"पिशें खंयचें! पूण तो दोतोर आतां हांगा ना."

"राव गे, हांव वचून तरी पळयतां. तुका इतली वचपाची ताकतीक कसली? पांच मिनटांनी येतां. तूं बस हांगा."

"आगो पूण...."

"तूं येवचे पयलीं तो म्हजी सगळी काळजी घेतालो. ताचेच खातीर हांव बरें जालें."

परत मांन दोळे पुसले.

"तुका खरेंच ताका मेळपाचें आसा? सामकें मनापासून? खरें सांग." मांन काकुळटेन विचारलें.

"हय. ताका मेळ्ळयाबगर हांव घराच वचचेंना. ताका आमगेर येवपाचें आमंत्रण दिवन येतलें. तो ना जाल्यार रकाद दवरून येतलें."

"ताची गरज ना. हांगा यो, तो पळय मोटारींत बसून आसा. तुका व्हरपाक आयला. वळखलें? आगो पिशा, तांचेच कडेन हांवें लग्न केलां. हें पळय सोनी, हांगाच कितें तो निर्णय घे. तांचेमुखार तमाशा नाका. म्हजे मुखार तांचो अपमान जाल्लो म्हाका आवडचो ना. येतलें तांचे गाडयेंत बसून? काय आमी टॅक्सी करून या? तांच्याच घरा व्हरपाक ते मुद्दम आयल्यात. पूण तुजी इत्सा ना जाल्यार आमी आमच्या घरा या. पूण एक, तांकां कांय आर्ते पर्ते उलोंव नाका."

मांचो आवाज भरून आयिल्लो. हांवें ल्हवूच मोटारीकडेन पळयलें. तांणी हांसत-हांसत हात हालयलो आनी मोटार व्हरांड्याकडेन हाडपाक सुरवात केली.

मां बरीच भियेल्ले भशेन जाल्ली. म्हजो हात घट्ट धरून ती सपणाकडेन आयली. तिचो हात म्हाका बर्फाभशेन थंड लागलो. हांवें खिणांतच निर्णय घेवन वडयलो.

"मां, तांकां सांग, आमच्या पोन्न्याच घरा वतां हांव. थंयच पाय. तुमच्या घरा इतले बेगीन हांव येना. मागीर....."

मांन म्हजे दोनूय हात घट्ट दामून धरले. तिच्या दोळयांतसून घळघळीत दुकां गळपाक लागलीं. इतल्यान मोटार आमचे मुखार येवन थांबली. दार उगडून ते भायर आयले. आनी म्हजेफुडें तांणी मोगान दोनूय हात पसरायले.

"सोनी, हे डॉ. देवीदास महाजन. तांकां तूं खूब आवडलें. सामकें मनापासून,

आपली चली म्हणून."

मांक मुखार उलोवपाक जायना जालें. आनी म्हाकाय जालें ना. हांव आपूण जावन तांणी पसरिल्ल्या हातांत लकलें आनी खीणभर तांचे छातयेर विसावलें. मागीर तांच्याच आदारान मोटारींत तांच्या शेजरा बसलें, तांकां सामकें तेंकून बसलें. तांणी म्हाका थापटून आनीक म्हऱ्यांत ओडलें आनी मोटार सुरू केली. ह्यावेळार खरेंच तकली सामकी शांत जाली. मोटार गर्देंतसून संथ वाट काडीत मुखार वताली. मां फाटल्या सिटार बसून सूं-सूं करताली....

आनी हांवें ल्हवूच पापाच्या कानांत सांगलें, "पापा रे! आमी तुज्या, म्हळयार म्हज्या घरा या!"

• •

९

चित्रांतलें वादळ

वाऱ्यान घराचीं दारां गडगडटालीं. घरांत एकलें हांव.

घर..... तशें घराक घरपण खंय उरलां! घर म्हळ्यार फक्त चार वण्टी आनी वयले पाखें जाल्यार तें तितलें उबें आशिल्लें.

"हें कितें पंकजा, एकलेंच बसलां? आनी सगळीं दारां जनेलां अशीं उक्तीं दवरून?"

अशें म्हणत आका भितर सरलें. आकान धडाधड दारां बंद गेलीं. लायटीचे बटन दाबून दिवे पेटयले.

"आका, आतां धांपपासारखें कांयच उरूंक ना घरांत!"

"तिनसांजचे कातरीर कायचे काय उलोंव नाका. उठ, हांव गरम गरम च्या करतां."

आकान म्हाका उठयलें. हॉलांत हाडून सोफार बसयलें.

कितलो सोबीत सजयला हो हॉल! सोबित वस्तू. जें सामान जमयलें तें सामकें उंचेल्या दर्जाचें. पळयतल्याक पळयत रावन दिसपाचें.

आनी अच्छेव कांडपी वादळ, वण्टीवयले व्हडले फ्रेमींत बंदिस्त. कितलें सुंदर चित्र!

कित्याक आवडलें हें चित्र म्हाका त्यावेळार? सांगपाक येना. भारावन वचून

त्या चित्रामुखार उबें रावलें हांव. खासा हांवच वादळांत सांपडिल्ले भशेन. थीर! अचल! कितलो काळजाक भिडपी अणभव!

"खूब आवडलेंशें दिसता."

म्हज्या मनांतलें जाणून घेवन आनंदान म्हळें.

"चित्र खुबूच सुंदर आसा न्हीं? पूण...."

"पूण कितें?"

"सकयल बरयलां तें मोल....."

त्या दिसा आनंदान हांव कां कू करता आसतना प्रदर्शनांतलें विकतें घेतलें हें चित्र.

"इतली नदर लावन कितें पळयता घराक? जशें कितें स्वत:चें घर पयलेच फावट पळयता."

आकाच्या उतरांनी हांव भानार आयलें.

"खरें आका, स्वत:चें घर आज नव्यानूच पळयतां. आजवेर हांव...."

"कायचे काय उलोंव नाका. वारो सुटला. पावस येतासो दिसता. जोगलावता पळय. लक्षणां वादळाचीं दिसतात. पंकजा, भूंयभरवण जाल्ली सृश्ट सुद्धां परत जिवीं जावन उबी रावपाक सोदता. तातूंत तूं तर जिद्दीची बायल."

आका आयलें, म्हाका च्या करून दिली, तशें परतलें. हांव तशें एकलेंच उरलें. हांव आनी वादळ!

आका म्हणटालें तें खरें आशिल्लें. हांव जिद्दीची बायल. आयजमेरेन तशेंच वागलें. लग्न जावन पयलेच फावट घरांत आयलें तेन्नापासून आकाचो म्हाका आदार. आमच्या घरांत भाड्याक रावताली. बालविधवा. तेन्ना तिची पिराय पंचेचाळीस वर्सां. तेन्नापासून म्हाका बेस बरी वळखताली.

आमचो व्हडलो भुसारी पसरो आशिल्लो. पसरो देर चलयतालो. म्हजो घोव आनंद मात नोकरी करतालो. घरांत खांडीभर मनशां. सगळे पयलींचे रितीरिवाज. सुनो छळ सहन करपाखातीरूच आसतात हो तांचो पक्को समज आशिल्लो.

फांतोडेर उठपासून जीं कामां सुरू जातालीं तीं रातचीं बारा मेरेन सोंपून सोंपनाशिल्लीं. स नणंदो. एक ना एक कोणतरी भुरग्यांबाळांक घेवन कुळारा पडिल्लीं आसतालींच. तांचो तोरो आनी थाटमाट वेगळोच! मांय, मांव, आजीमाय, बापोलजावो. तातूंत तांचें सोवळें-ओवळें. सगळें सुनांनी सांबाळचें पडटालें.

त्या दिसा दनपारचीं सगळीं कामां करतां करतां तीन वरां जाल्लीं. पोटाक सामकी भूक लागिल्ली. मांडेतिनाच्या अदमासाक आमी सगळ्यो जावो पानार बसल्यो.

मांयन आमचेखातीर काडून दवरिल्लें जेवण पानार घेतलें. पयली उंडी तोंडांत घाली. पूण इतली भूक लागिल्ली आसून्य ती उंडी ताळयामकल वचना जाली. परत हात भाजयेचेर गेलो. भाजी सामकी बुळबुळीत आशिल्ली.

"शी! भाजी बेळशेल्या!"

हांवें आंगार कांटो हाडीत व्हडले जावेकडेन पळयलें. ती जेवत आशिल्ली. जेवताली कसली. नाईलाजान गिळटाली. हांव मात पान सोडून उठलें.

घेऽऽ. त्या दिसा व्हडलो बोवाळ. तांचे नदरेन हांवें कितेंतरी जगावेगळें केल्लें. सगळ्यांनी घर माथ्यार घेतलें. तांचे नदरेन हांव नालायक थरिल्लें.

ख्यास्त म्हणून म्हाका रातचेंय जेवण दिलें ना. आनी व्हडली ख्यास्त म्हणून मांयन म्हाका आमचे कुडींतूय वचूंक दिलें ना. भायरूच पडवेर न्हिदयलें.

आनंद तरी असो कसो? इतलो भिजूड? दादले इतले भिजूड आसतात? शी! ह्या मनशांत कांयच अर्थ ना. बेठो मांसाचो गुळो कसो लबलबीत!

पूण एक, ते रातीन म्हज्या काळजांत बंडाचें बीं रुजयलें.

मनांत कांय निर्णय पक्के करून हांव वागूंक लागलें. सगळ्यांपासून कुशीक, अलीप्त रावतालें. आनी तेन्नापासून शेळें जेवण म्हज्यातरी वांट्याक येना जालें.

नीरजाच्या वेळार हांव बायटेराक कुळारा गेलें. ठरयलें, आतां सगळें हांगाच बंद करपाचें. सामको निश्चेव केलो. दोतोरूच आयकुपाक तयार नासलो.

"नीट विचार कर."

पूण हांव म्हज्या विचाराचें पक्कें आशिल्लें.

हांव बाळंत जालां ताच्या दुसऱ्या दिसा आनंद आयलो. कसो आयलो काय? आनी इतले बेगीन? म्हाका अजाप दिसलें. ऑफिसाच्या कामाचें निमित्त सांगून. पयलेच फावट फटी मारून आयिल्लो. चल्याचे उमेदीन. ताच्या येवपाचो एक फायदो जालो. दोतोरान ऑपरेशन करपाचें मान्य केलें. आनंद मात थंयचे थंय थीरावलो, म्हजो निर्णय आयकून.

"आगो, पूण एकूच भुरगें म्हळयार रिस्क न्ही?"

"कांय रिस्क ना. आमी ताका बरेभशेन वाडोवंया. ताचेकडेन लक्ष दिवंया. ताका खूब खूब शिकोवया. व्हडलो करूंया."

विरोध करप आनंदाच्या सभावातूच नाशिल्लें. तो दुबळो आशिल्लो. आवय-बापायमुखार, भावामुखार आनी आतां म्हज्यामुखार सुद्धां. आनी तेन्नापासून आनंदाचो ताबो हांवें घेतलो.

नीरज वाडपाक लागलो. ताका हांवें शारांतले बऱ्यांतले बरे शाळेंत घालो. हाडपाक व्हरपाक स्कूल बस आशिल्ली. आनंदाच्या पगारांतले थराविक पैशे हांव आदींच काडून दवरतालें. घरांत तेखातीर खूब जळफळाट, चीडाचीड जाताली. पूण हांव कोणाचें कानामनार घेनासलें.

सुकताडो लागिल्ल्या झोपांमदीं कलम केल्लें डौलदार गुलाबाचें रोप आसचें तसो म्हजो नीरज त्या घरांत दिसतालो. नीरजाक म्हजें रूप आयिल्लें आनी आनंदाचो आंगलोट. सुंदर दिसतालो. सगळीं दुस्वासान ताका राजकुंवर म्हणटालीं.

आमी वेगळें रावचें, स्वत:चें ल्हानशें घर आसचें, नीरजाक मनाप्रमाण वाडोवचो, शिकोवचो, हें म्हजें केन्नापासूनचें सपन आसलें. आनंदाकडेन हांव जायते फावट

उलयिल्लें. तो तयार आसलो. पूण भितालो.

एक दीस हांवेंच फुडाकार घेतलो. पयलीं इल्लें इल्लें सामान, जें म्हज्यान व्हरू येतालें तें आकागेर दवरलें. ब्लॉक तयार जातासर स म्हयने गेले.

आनी एक दीस सगळ्यांक खणखणीत सांगलें, हांव वेगळें रावतलें म्हणून. घोवाक आनी चल्याक घेवन सगळ्यांच्या दोळ्यां हुजरा संवसार थाटलो!

एकाच गांवांत पूण लागीं न्हय. सगळे जळफळ्ळे. सगळ्यांनी बहिश्कार कसो घातलो. पूण हांव शांत आशिल्लें. पयलीं पयलीं कोणूच येनासलीं. मागीर एक-एकली येवपाक लागली. म्हज्यो जावो केन्ना केन्ना येवन वताल्यो. एक हांडीचेर, एक हातांत, दुसरें फाटल्यान अशी भुरग्यांची भुरावळ घेवन येताल्यो. म्हजेकडेन पळोवन उस्वासताल्यो. आपणाल्या नशिबाक बोल लायताल्यो.

पूण ह्या सुखाक केन्ना कीड लागली तें कळ्ळेंच ना. जेन्ना लक्षांत आयलें तेन्ना ती कीड बरीच खोल गेल्ली. सगळें फळूच कुसून वता काय दिसलें.

व्हडले जावेचीं पोरां एकापरस एक तवनास जालीं. एक एकलो दुर्गुणाचो पुतळो. हांव नीरजाक तांचे सावळेक सुद्धां उबें करीनासलें.

पूण म्हजी नदर चुकोवन नीरज तांकां मेळटालो. मदीं मदीं दुबावान हांव कितें कितें विचारतालें. पूण तो म्हाका चक्रायतालो. सदां उठून नवीं नवीं बंडलां मारतालो. म्हाका तें खरेंच दिसतालें. तो कॉलेजाक वचपाक लागलो तेन्ना ताका चड मेकळीक मेळ्ळी.

तो त्या घरा वतालो. त्या भुरग्यांबरोबर शेळें हून कितें आसा तें खातालो. आज्या आजयेचें कसलेंय काम आसल्यार करतालो. व्हडल्या काकाक विडयो-सिगारां हाडून दितालो. केन्ना मजा म्हणून आपुणूय ओडटालो आसूंक जाय. ताचे काका ताका घालून पाडून उलयताले. ताचो बापूय आनी तो आवयक म्हळयार म्हाका सामको भिता म्हणून ताका हिणसायताले. ताच्या दादलेपणाची, ताच्या स्वातंत्र्याची ताका जाणवीक करून दिताले. म्हज्या कानांमेरेन ह्यो गजाली आकाकडल्यान पावताल्यो.

आनी कालची खबर. दनपारां मातसो उसरांच नीरज घरा आयलो. हांवें ताचेखातीर रांदून दवरिल्लें. जेवणाचें नांव काडीनाफुडें तो कितेंतरी निमित्त करून जेवपाक नाका म्हण सांगतलो अशें हांवें आदींच येवजिल्लें. पूण ताणेंच आपूण जावन सांगलें,

"ना, हांव जेवन आयलां."

"खंय?"

"-------"

"नीरज, त्या घराकडेन वचूं नाका."

"कित्याक? तीं मनशां न्हय? तें घर न्हय?"

"ताचेपरस नरक बरो."

"आई, खरें सांगूं? म्हजे धागेदोरे त्या घराकडेन जोडिल्ले आसात. त्या घरांत

कितलीं मनशां. तांच्यो वेगवेगळयो तरा. सगळें अस्सल. हें घर तुवें सजयलां खरें पूण हातूंत जीवूच ना. आय लायक व्हरायटी ॲण्ड आय लायक रियलिटी.''

नीरज पयलेच फावट म्हजे मुखार इतलें उलयतालो. म्हज्यान तें सोसूंक जालें ना. आनी हांवें ताच्या कानसुलाचेर एक थापट दिलें. म्हाका दिशिल्लें, तो न्हिन्नळटलो, खंती जातलो, पूण थापट झेलून तो थीर उबो आसलो.''

''आई, तूं तुज्या मनाप्रमाण वागत आयल्या. हांव म्हज्या मनाप्रमाण वागतां.''

अशें म्हणत तो आयिल्ल्या पावलांनी परत परतलो. सगळो संवसार म्हजे भोंवतणी घुंवता अशें म्हाका जालें. अशे अवस्थेंत कितलो वेळ गेलो तेंच म्हाका कळ्ळेंना.

व्हडले जावेन म्हाका हात लावन जाग हाडली. आमोरी जाल्ली. ती काचाबूल जावन उलयताली.

''सोंसपाचें न्ही गे बाये. येदोसो भुरगो. इतलो पीता म्हणजे कितें? कित्याचें कितेंय उलयता. कॉलेजाक वचचोना खंय. ह्या तुज्या घराचो हुंबरो हुपचो ना खंय. तुका आवय म्हणचोना खंय. शी बाये. तूं इतली हुशार कणखर बायल आनी तुगेलो पूत हो नीरज असो कसो जांवचो तेंच कळना. तातूंत तुजो एकलो एकसुरोच चलो. तुजे इतले बरे संस्कार....''

व्हडली जाव म्हाका सहानुभूती दाखोवपाच्या निमतान आयली आनी म्हज्या घायाचेर मीठ चोळून गेली.

रातीकडन आनंद आयलो. हांवें सगळें सगळें आनंदाच्या कानार घालें. ताचेकडल्यान म्हाका आदाराचीं दोन उतरां जाय आसलीं. पूण तो सदचे भशेन वगीच रावलो. जशें काय कांयच घडूंक नासलें. आनी म्हजें उरिल्लें सुरिल्लें सगळें अवसान गळून गेलें.

हांव आनी वादळ. वंटीवयलें तें चित्र वादळांत सांपडलें. झिडपलें. चित्रांतलें वादळ खऱ्या वादळांत भरसता काय, खरें वादळ चित्रांतल्या वादळांत रिगता तेंच म्हाका कळना जालें.

• •

१०

काळीजवंत

कोणेतरी सुचिताच्या कानार घालें, 'ऑफिसांतल्यो मिसेस देशपांडे ऋषिकेशाबरोबर भोंवता, फिरता आसतना हालीं खुबदां दिश्टी पडटा.'

पयलीं-पयलीं सुचितान दुर्लक्ष केलें. एकतर ऋषीकेशाक सार्वजनिक कामाची खूब हौस आसली देखून ह्या ना त्या कामाच्या निमतान ताच्याम्हन्यांत खूब लोक येताले. तातूंत दादले आसताले, भुरगीं आसतालीं आनी बायलांय आसतालीं. सुचिताक तर हे गजालीचें कौतुकच दिसतालें. ऋषीकेश तांच्या जिवीताचो सर्वस्व आसलो. ताचे बाबतींत अशें कितेंय घडत अशें ताका स्वप्नांत लेगीत दिसूंक नासलें.

एक दीस सुचिताचो काका कांय कामांखातीर आयिल्लो. तो जेन्ना वचपाक भायर सरलो तेन्ना तोंड येदेंशें करून म्हणूंक लागलो,

''सुची, सांगपाक बरें दिसना. पूण ऋषिकेशाचेर मातशें लक्ष दवर. काल हांव आनी गोंयच्या वेळेर गेल्ले. थंय ऋषीकेश रेवेंत एके बायलेबरोबर उलयत बशिल्लो. मामको तेंकून बशिल्लो. तसो हांव जुन्या वळणाचो न्ही गो. जायते फायट कामानिमतान बायलां दादले एकठांय येतात, बसतात, उलयतात. तातूंत वायट कांयच नासता, म्हाका सगळें कळटा पूण म्हाका तें बसप योग्य दिसलें ना. हांव ताका विचारूंक शकना. तूं अवश्य विचार. हे बाबतींत हांव तुजेकडेन

उलयलां अशें म्हळ्यारूय चलता.''

काका गेलो. सुचिताक दिसलें, हरशीं केन्ना गरजेच्या वेळार काका उदेलोना. मात हें सांगपाक आयला. पूण मागीर मात सुचिताचे हातपांय गळिल्ले भशेन जाले.

ऋषीकेश तर सदांचे भशेन वागतालो. बरेभशेन उलयतालो, सदांभशेन खाता जेवतालो. सुचिता सुचिता म्हणून फाटल्या फुडल्यान आसतालोच.

कांय दीस होच विशय ताजे तकलेंत उरलो. पूण ऋषिकेशाचेर दुबाव घेवपासारकें ताका कांयच दिसलें ना. तें परतें आसा तशें निर्धास्त जालें. सुचितान बारीकसाणेन येवजून पळयलें. पूण खंयच ताका कितेंच वेगळें जाणवलें ना.

मागीर मदींच एक दीस सुचिताची धाकली भयण, सोनाली चलयेक घेवन दोन दीस रावपाक म्हण आयली. हरशीं तें आयलें म्हणटकच घर कशें आनंदान भरून वतालें! तांचें उलोवप, हांसप, खेळप! दीस केन्ना सोंपता तेंच कळना आशिल्लें. ऋषीकेशाक आनी सुचिताक भुरगीं नाशिल्ल्यान तें चड जातालें. आनी दुसरें म्हळ्यार सोनाली ल्हानपणापासून सुचितागेर आशिल्लें. सोनालीचो वचपाचो दीस लागीं पावलो म्हणटकच उदासीनतेचें सांवट येतालें.

हे खेपे सोनाली आयलें पूण सदांचें सारकें हांसप-खेळप जालें ना. चड उलोवणें ना, शेजाऱ्यागेर येवप-वचप कांय ना.

पयलीं बाजारांत वचून हें हाडप तें हाडप जातालें. सामान हाडटकच तें सगळें पातळून दवरतालें. ऋषीकेश येवन जेन्ना ते खरेदीची तोंडभर तोखणाय करतालो तेन्नाच तें सगळें आवरून दवरतालें. पूण हे खेपेक मात ताणें पांय भायर काडलो ना. खाटीचेर लोळून-लोळून ताणें दोन दीस सारले.

सुचिताक चुकल्या चुकल्या सारकें जालें. सोनालीच्या मनांत कितें तरी आसा. नाजाल्यार तें इतलें ओगी रावचें नासलें! सुचिताक दिसलें, तें कितेंतरी सांगपाक म्हणून आयलां. अशें तोंडावेल्यान जायते फावट कळटालें. पूण दरफावटी ओंठावेल्यान उतरां तें मुद्दाम दामून धरता अशें सुचिताक जाणवलें.

दनपारां दोगीय भयणी जेवन मातश्यो आडव्यो जाल्यो. सुचितान तोंड उक्तें केलें.

''हे खेपेक घोवान पैशे बी कांय दिवंना काय कितें गो? खरेदी करपाक भायर सरलें ना!''

''ना गो हरशींच. भायर वचनच दिसना. सामको वाज येता.''

सोनालीन उडवाउडवी केली.

''आज अखिलेश येतलो मगो तुका व्हरपाक? बाजारांतल्यान कितेंतरी हाडूंक जाय. जेवपाक रावतलो मुगो?''

''ते येवचेनात. आमचेखातीर कांय हाडपाची गरज ना. सांजे फक्त शीत-कडी कर. धाकलें बायूय जेवपाचें ना. फक्त दूद पितलें.''

''आगो, आज तुमी वता म्हणटा न्ही?'' तुमकां कोण पायतलो? तुजो भावोजी

तर उसरां येता. घर बरें लागीं आसलें म्हण इतल्या उसरां हांव तुका बसीन एकटें धाडचें ना. फाल्यां सकाळीं वच.''

कांय वेळ दोगीय भयणी कांयच उलयनासतना वगी रावल्यो. मागीर सोनाली म्हणूंक लागलें,

''भावोजी आज वेगीन येतलो म्हाका पावोवपाक. सकाळींच हावें सांगलां ताका. पूण हालीं भावोजी सदां उठून उसरां कित्याक येता ताची केन्ना चौकशी केल्या तुवें ताई? विचार तरी एकदां.''

सुचिताचे नदरेक नदर भिडयनासतना सोनालीन सांगलें,

''पयलीं केन्ना वेगीन येताले म्हणून आतां हांव विचारतलें! पयलीं तूंच आमगेर आसतालें. तुज्या हट्टाखातीर येताले केन्नांय वेगीन. तुजें लग्न जालें आनी हें अशेंच चलता पळय. आतां चाळीस सोंपून एकेचाळीसावें लागलें तरी सदां उठून तेच दगदग! सुशेग तो केन्ना घेवपाचो? तें ऑफिसांतलें काम, तीं सार्वजनिक कामां, तेखातीर जागरणां, धांवपळ! म्हाका सांगून सांगून पुरो जालें. आतां तूंच सांग बाये.''

सुचितान एका धपक्यान आपणाली रडकथा सांगली.

''हांव कितें सांगतलें? तूं विचारपी वगीच आसा न्ही.''

सोनाली उलयताना फुगारशें जालें.

''सोनाली, तुका कितें सांगपाचें आसा?''

श्वास दामून सुचितान विचारलें.

''तेंच तें. तूं एकदां भावोजीक स्पश्ट विचार, भायर लोक तुजेबद्दल कितें कितें उलयनात तें ताई तुज्या कानार आयलां वो ना? स्कूटरीन तीं हांगा थंय भोंवतात. सिनेमा, नाटकां, सभा संमेलनांक, वेळेर. तांचेबरोबर जी बायल भोंवता ती कोण? गळयांत मंगळसूत्र आसा तिच्या. मागीर तिका घोव, देर, मांय-मांव, भुरगीं-बाळां कोण आसा वो ना? तिका संवसार ना स्वत:चो?''

उलयतां उलयतां सोनालीचो आवाज थरथरपाक लागलो आनी दोळयांत दुकां दाटून आयलीं.

सुचिताचे दोळे भरून आयले. तें उठलें आनी च्या करपाचें निमित्त करून रांदचे कुडींत गेलें. सांजचो ऋषीकेश वेगीन घरा आयलो. सोनालीचे चलयेबरोबर खेळ्ळो. चॉकलेटी, बिस्किटी खावपाक दिल्यो. घर सामकें गजबजून दिलें. नवो हाडिल्लो खेळय भुरग्यांक दिवन जालो. पूण सुचिता कांयच उलयलें ना. रातचें जेवण मोन्यांनीच जालें. आंवतां आंवतां ऋषीकेशान सुचिताक म्हळ्ळें,

''सुचिता, आज सोनालीक शीत-कडयेचेर वडयलें. ताका आवडटा तें काल्यां तोंडाक, चिकन कांयच केलें ना. आनी आमचे बायक फ्रूटसॅलड आवडटा हेंय विसरलें तूं?''

''ना भावोजी, हांवेंच आज ताईक खास कांय नाका म्हळ्ळें. आज हे येवपाचे ना. वोगीच आमचे खातीर कित्याक त्रास!''

सोनालीन पटकन म्हळें

"बरें आसा मुगो तूं? तुजो घोवच आयल्यार खास कितेंय करप? हांवय तुमचे पंगतींत आशिल्लों. पानवेलीच्या निमतान म्हसगाक उदक पडपाचें. म्हाकाय दोन जिन्नस खावपाक मेळपाचे."

ऋषीकेशान वातावरणांत शेणिल्लो सूर मेळोवन दिवपाचो यत्न केलो.

सोनालीक जिवाक लागिल्लेभशेन जालें. ताणें बेगोबेग मखलाशी केली.

"अशें न्ही भावोजी. ताई, फाल्यां भावोजीक कितें कितें जाय तें करून घाल."

सोनालीन हांसत-हांसत म्हळें आनी ताचो आवाज सामको मोव जालो, अचकीत पयलींभशेन जालो.

तें हांसपाक उलोवपाक लागलें. सोनाली आनी ऋषीकेश खूब वेळ उलोवपाक लागलीं. पयलीं भशेनच, आवडीच्या विशयाचेर वाद घालपाक लागलीं. व्हडल्या व्हडल्यान हांसपाक खिदळपाक लागलीं. धाकटें बायूय तातूंत सामील जालें.

सुचितान मोन्यानीच भयणीच्या सामानाची बांदाबांद केली आनी तें भायर आयलें. ऋषीकेश सोनालीच्या कानांत कितेंतरी कुजबुजत आशिल्लो आनी तेंय ताका हांसून प्रतिसाद दितालें.

"सोनाली, वचपाचें आसा जाल्यार बेगीन वच. वोगीच रात करूं नाका. धाकलें बाय बरोबर आसा न्ही!"

"हय हय वतां आमी. तूं येता आमचे बरोबर? येता जाल्यार बेगीन तयारी कर. सगळीं टॅक्सीन वचूंया."

ऋषीकेशान हांसत हांसत म्हळ्ळें..

"कांय गरज ना, हांव येना. तुमी वचात."

सुचितान उतरांतली निबरसाण भायर दाखयनासतना म्हळ्ळें.

दोगांयजाणां सामान घेवन भायर सरलीं. बाय न्हिदिल्लें. ऋषीकेशान ताका खांदार घेतलें. सुचिता व्हरांड्यामेरेन तांकां पावपाक आयलें. थंय रोखडीच तांकां टॅक्सीय मेळ्ळी. हात हालयत तीं टॅक्सींत बसलीं.

घरांतलें एकोडेपण सुचिताक खावपाक आयलें. नाना विचारांनी ताचे तकलेंत अच्छेव मांडलो. सोनालीक पावोवन ऋषीकेश परत आयलो तेन्ना सुचिता भानार आयलें.

"पोर लाघवी आसा. आयलें कीं घर कशें भरून वता! तातूंत त्या माणकुल्याकय हाडटा आनी व्हरता. परतीं वतकूच रितो घोंटेर कसो दिसता घर."

ऋषीकेश कपडे काडटां काडटांच बडबडपाक लागलो. सुचितान मोन्यांनी दोळे पुसले. ऋषीकेशाचे नदरेंतल्यान ताचीं दुकां सुटलींना.

"तूं रडटा कित्याक दर फावटी? चली ही आपल्या घरा वतलीच न्ही? तरी बरें भयण लागींच रावता म्हणून. पयस दिल्ली जाल्यार कितें जातलें आशिल्लें कोण जाणा!"

कांयच उलयनासतना सुचितान दोळे पुसले. ऋषीकेशान सदचेभशेन आपल्या विशयाचीं पुस्तकां चाळपाक सुरवात केली. दुसऱ्या दिसा ताका एके सभेंत व्याख्यान आशिल्लें. ताचे संवयेप्रमाण तो तयारी करपाक लागलो. ताणें मेजार सगळो पसारो मांडून टेबल लँप पेटयलो.

"म्हाका मातसो दोन-तीन कप थर्मासांत च्या करून दवर. परत परत तुका आनी उठपाक नाका." ताणें बशिल्ले सुवातीवेल्यानूच सुचिताक आयकूंक येत अशे तरेन म्हळें.

"हय. हांव सामकें थकलें न्हय. म्हातारें जालें. सोंसना आतां म्हाका. कोणूय आसा जाल्यार हाडून दवरात तुमची सेवा करपाक. ती मन लावन करतली तुमचें सगळें. तुमकांय बरें....."

धोमणे मारीत सुचितान च्याचो थर्मास हाडून ताच्या मुखावेल्या मेजार दवरलो.

ऋषीकेश बरोवपाचें बंद करून सुचिताकडेन पळयत उरलो.

"अशे पळयतात कितें? उलवपाक म्हाका कितें कोणाचो भंय आसा? तें सगळें खरें आसा?"

सुचितान ऋषीकेशाचे नदरेक नदर भिडोवपाचो यत्न केलो.

"सोनालीन कितें सांगलें काय कितें? सारकें तरी सांगलां? तूं आयकता जाल्यार हांव सांगपाक तयार आसां. पूण असो बोवाळ करशी जाल्यार एक अक्षर सांगपाचो ना."

ताणें शांतपणान आनी नदर थीर करीत म्हळें.

सुचितान ताका थीर नदरेन पळयलो. तो सदांभशेनूच हारशासारको नितळ आसलो. आदल्याच सारको स्पश्ट रोखठोक. मदीं कसलो आडपडडो ना. सुचिताक हायशें दिसलें. तो कांयच फट उलोवचो नासलो. कितें रचून सांगचो नासलो. आनी तशी ताका गरजय नासली. ताजो सामको खुल्लमखुल्ला वेव्हार आसलो. ताणें ड्रिंक्स घेवपाक सुरवात केल्ली तेंय सुचिताक तावडतोब सांगिल्लें. पूण ड्रिंक्स घेवचे आदीं बायलेची परवानगीबी कांय घेंव नासली. ताची ताका गरज नासली. लग्नाच्या वेळार ताणें सुचिताक आपणाल्या सभावाची स्पश्ट उतरांनी वळख करून दिल्ली. सुचिताक आतांय तीच याद आयली. ताचे ओंठ थरथरले. ताणें तशेंच म्हळें,

"इतलें म्हाका आजवेर सगळें सांगलें. मागीर म्हाका हेंच कित्याक सांगलेंना? कित्याक लिपोवन दवरलें? कित्याखातीर?"

तेवूय परिस्थितींत ऋषीकेशाक हासूंक आयलें. सुचिताक एकदम राग आयलो. तें धंयसावन वचपाक वतालें. इतल्यान ताणें आपल्या हातांनी ताका आडायलें.

"आगो, सांगपासारकें विशेश कांयच नासलें म्हणून सांगूंना. त्याफुडें कितेंय घडलेंच जाल्यार तुका कांयच लिपोवन दवरचो ना. विस्वास दवर म्हजेर."

"कोण ही मिसेस देशपांडे?"

सुचिताच्या प्रस्नांक स्त्री मत्सराचो वास आशिल्लो.

"म्हजी सेक्रेटरी कम क्लार्क आसा. आमच्या ऑफिसांत तेखातीर तिचो आनी म्हजो घनिश्ट संबंद आयला. हांगा थंय भोंवप जाता. पूण तुजे नदरेन कसलीच मर्यादा हांवें हुपूंक ना. आमी एकामेकांक समजून घेतात. इतलेंच."

हेर खंयच्याय विशयाचेर उलयता तितल्याच सहजपणान ऋषीकेश उलयलो.

"तिचो घोव तिका कांय म्हणना तुमचे बरोबर भोंवता फिरता म्हणून?"

"तिचो घोव आसता खंय शुद्धीर? चोवीस तास सोरो पियेवन पडिल्लो आसता. वेल्यान मार. कितें अर्थ आसा त्या संवसाराक?..... सामकी एकटी एकटी आसा ती."

"अशें! आनी तेखातीर इतली सहानुभूती! इतली काकूळट तिची! इतलो प्रेमाचो किंवाटो!"

सुचिताचो स्त्री मत्सर अजून उणो जावंक नाशिल्लो.

"ताका अशें हिणोवं नाका."

ऋषीकेशाच्या उतरांनी थोडीशी निबरसाण आसली. तो मुखार कितें तरी सांगपाचो यत्न करतालो पूण ताणें उतरां तोंडातल्या तोंडांत गिळ्ळीं अशें दिसलें. सुचिताक मात दिसलें, तो आपणांक आपणाले आदले परिस्थितीची याद करपाक सोदता.

सुचिताची परिस्थिती सामकी गरीबीची आसली. आवय हो संवासार सोडून गेल्ली. स म्हयने जावन गेल्ले. सुचिताच्या बापायचो खंयच पत्तो नासलो. पांच वर्सांच्या सोनालीची जबाबदारी सुचिताचेर आशिल्ली.

अशा वेळार ऋषीकेशान ताचो स्वीकार केलो, सोनाली सकट.

सुचिताक दिसलें, ऋषीकेश आपणांक परत-परत आपणे केल्ल्या उपकाराची आपणाक जाण करून दिता. परत परत याद करून दिवपाचे कसले हे उपकार? तेपरस....

ऋषीकेशाच्या उलोवपान तें भानार आयलें.

"परत एकदां सांगतां. एकठांय काम करतां करतां आमची वळख जाली. सहानुभूतीचो आव हाडून आमची वळख जावंक ना. आतां ओगाओगान वळख वाडली. आनी एकदां कोणाची इश्टागत स्विकारली थंय पळपुटेपणां करप समा न्ही. वाट्याक आयल्या ती जबाबदारी स्विकारपाक जाय."

"अशी कितली जबाबदारी तुमी स्विकारतले? म्हणजे मागीर म्हाका म्हजी तयारी करपाक बरें."

ऋषीकेशान एकदम तिचे हात धरले. आनी सुचिताक दिसलें, हय, गेलें सोडून जाल्यार.... पूण ताचो ताकाच प्रश्न पडलो.

"तुजी तयारी कसली? म्हाका सोडून वचपाची? खंय वतलें? सोनालीकडेन? थंय कांय कायमचें रावपाक मेळचें ना. इतलीं वर्सां प्रामाणिकपणान संवसार केलो, ताचें हेंच फळ?"

पूण थंयूय ऋषीकेशाचेंच दालें जड जातालें.

ऋषीकेश सुचितापरस पांच वर्सांनी ल्हान आशिल्लो. तोंडाच्योच गजाली नाका

म्हणून ल्हान घरांतल्यान सुदारणा करप ह्या हेतून ताणें सुचिताकडेन लग्न केल्लें. सुचिताचो आंकवारपणांत प्रेमाचो एक बोवाळ जाल्लो, तो लेगीत ऋषीकेशान केन्नाच मनार घेवंक नासलो.

सोनालीक तर ताणें चलयेभाशेन वाडयिल्लें. तेन्ना ऋषीकेशाच्या घरांत कितलो बोवाळ जाल्लो. कितली कुचेष्टा! कितली मानहानी! कितल्यो धमक्यो! जगप नाकाशें केल्लें. पूण ऋषीकेशान सुचिताक कितेंच लागूंक दिवंक नासलें. सोनालीक ताणें तितलेच अपुरबायेन जपिल्लें. ताचो सांबाळ, शिक्षण, लग्न आनी उपरांत बाळंतपण सगळें उमेदीन केल्लें. जबाबदारी स्विकारपाची ताणें सुचितापासून सुरवात केल्ली.

सुचिताक याद जाली, वीस वर्सां आदली. लग्नाच्या दिसाची. पयल्याच दिसा ऋषीकेशान ताका सांगिल्लें.

"सुचिता, हें कांय खरें लग्न न्हय. एकल्यान तुका फटयलें, बापूय तसलो. ल्हान भयण आसा. तेन्ना फकत कर्तव्य म्हणून हांव हें लग्न करतां. केवळ एक तन्त्र म्हणून. घडये मनां जुळपाचीं नात. शरीरधर्मय खऱ्या अर्थान जावपाचो ना. पूण एक मात सांगतां, तुजी जी जबाबदारी घेतल्या ती शेवटमेरेन हांव सोडचोना. सामकी वेवस्थीत तडीक व्हरतलों."

फाटल्या सगळ्या यादिनी सुचिता थपथपलें. ताका हुंडको आवरना जालो. तोलूच गेलो ताचो आनी तें ऋषीकेशाच्या हड्डयार कोसळ्ळें.

"संवसार कसलो हो? संवसाराचो फकत आभास. एक भुरगें तुमकां हांव दिवंक शकलेंना. म्हज्या सोनालीक तुमीच सांबाळ्ळें. तुमचे उपकार हांव निदान ह्या जल्मांत तरी विसरचेंना."

तो बरोच वेळ ताका थापटीत रावलो.

"तातूंत उपकार कसले? हो असो कटकटीचो भरिल्लो संवसार तुवें मोठ्या जिव्हाळ्यान सांबाळ्ळो. म्हजी कितली काळजी घेतली. पिशाभशेन प्रेम केलें. म्हज्या मारग्ल्या मनशाक हें खूब जालें. चल, न्हीद आतां. खूब रात जाली. मनांत कांयच दवरूं नाका." ताणें ताका समजायलें.

मागीर तें आपले खाटीर वचून न्हीदलें. सामकें गाड. ऋषीकेश मात फांतोड मेरेन बरयत बसलो.

ते उपरांत सगळें शांत शांत जालें. आदलेवरी संवसार चलपाक लागलो.

पंदरा-वीस दिसांनी रातच्या आठ वरांचेर एक टॅक्सी थांबली. सुचिता उमळशिकेन दाराकडेन आयलें, जाल्यार ऋषीकेश टॅक्सींतल्यान देंवता आनी एके बायल-मनशेक देंवपाक मदत करता. टॅक्सीचें भाडें दितकच ताणें तिका आदार दिवन घरांत हाडली.

"ही मधुमिता. मिसेस देशपांडे. जोरान तापल्या. हिचेखातीर हांतरूण घाल." ऋषीकेशान सुचिताक सांगलें.

सुचिता कांय उलयनासतना भितर गेलें. खाटीचेर हांतरूण घातलें. वयर निवळ

चादर घातली. उशें आनी पांगरूण दवरलें. सकल मान घालून तें रांदचे कुडींत गेलें. रडूंक येतालें. सावरलें ताणें आपणांक.

ऋषीकेशान मधुमिताक भितर हाडली आनी हातरूणाचेर अचळय न्हिदयली. आंगार पांगरूण घातलें.

"कितें घेता? च्या, कॉफी, काय दूद?"

ताणें तिका अपुरबायेन विचारलें. तिणें नाका म्हणून मान हालयली आनी दोळे धांपून ती पडली. तिका सुमाराभायलो अशक्तपणा आयिल्लो. मधुमिताची ती रात तशीच सरली.

तानूय लागिल्ली. ताळो सामको सुकिल्लो. ताणें दोळे मातशे उगडले तेन्ना भायर बरोच उजवाड जाल्लो. तिका बाथरूमाक वचपाक जाय आशिल्लें. आंगांत अजिबात त्राण नाशिल्ले. ती कशीबशी उठली आनी वंटीचो आदार घेवन रांदचे कुडीकडेन पावली. उबे रावपाक जायना आशिल्लें म्हणून तशीच सकल बसली. भितल्लें उलवणें तिच्या कानार पडलें.

"अशी घरांत हाडपाची कितें गरज आशिल्ली? हॉस्पिटलांत दवरपाची न्हीं? वगीच सगळया जगाक तोंड करून दिलें. मांस खालें म्हणून हाड कोण गळयांत बांदिना. म्हाका हांगा त्रास जातलो."

सुचिता सामकें कळवळून सांगतालें.

"पयलीं कशीं रावलीं आमी? तेन्नाय आमकां असोच त्रास जातालो. हांव सगळें निंबावन व्हरतलों. कोणें विचारल्यार म्हजी इश्टीण म्हण सांग. कांय भिवूं नाका. पूण हे परिस्थितींत तिका हांव भायर काडचोना."

ऋषीकेशान सुचिताक स्पश्टपणान सांगलें. मधुमिताचो जीव फाटींफुडें जालो. ताका सुचिताच्यो भावना कळटाल्यो. सुचिताचें कितें चुकता अशेंय ताका दिसना आसलें. तरी लेगीत ताका ऋषीकेशाची गरज आसली. आपूण तांचे नदरेक पडपाक नाका म्हण ती आसा तशी परतली आनी आशिल्ली तशी वचून हांतरूणाचेर पडली.

सुचिता घुस्मटत रावलें. ऋषीकेशाक आनीक कांयच सांगपाचें नासलें. तो आयकुपाचोय नासलो. रातभर सुचितान तकली खाल्लेली. सुचितान मधुमिताकडेन उलयना जाल्यार ताका कोताक येतालें. तिचें कितें करीना सवरीना जाल्यारूय ताका जातालें. तिचें सगळें करपाक तो समर्थ आसलो. मधुमिताक कोणाच्यातरी आदाराची सामकी गरज आसली. तिका टि.बी. जाल्ली. काल घराकडेन हाडचे पयलीं ऋषीकेशान तिका दोतोराक दाखोवन हाडिल्ली. तिका हांतरुणावेल्यान उठपाक दिवपाक फाव नासलें.

नाजाल्यार ओंकारे येवपाची शक्यताय आसली. सगळें खरें आसलें तरी जें कितें घडटा तें सोंसपाची सुचिताचे तकलेची तांक नासली. ताणें रागान ऋषीकेशाक म्हळें,

"म्हाका कांयच सांगूं नाका. म्हजी तकली सामकी फिरपाक पावल्या. तुमकां

जाय तें करात. हांव चार दिसांखातीर सोनालीगेर वतां. म्हाका हें सहन जायना.''

पूण ऋषीकेश हरतेरेन ताका समजावपाचो यत्न करतालो.

''अशीं पिशेपणां करूं नाका. मधुमिता भिकाऱ्यासारकें तुज्या दारांत येवंक ना. आपल्या घरांत तें सगळें स्वतःच सोंसतालें. हांव जावन घेवन आयलां ताका. जर तुजें असलें वागप कळ्ळें जाल्यार तें एक खिणभर सुद्धां हांगा रावपाचें ना. खंयूय वचून जीव दितलें. असह्य जालें तरी स्वाभिमानी तें.''

सोसूं नज जावन ऋषीकेशान मुखार म्हळ्ळें,

''सुचिता तुजे दीस याद कर. तुका – तुका हांवें खंयचे अवस्थेंत हाडिल्लें?''

आनी इतलो काळ टाळूंक सोदतालें तो फाटलो काळ सुचिताच्या दोळ्यांमुखार सरकूंक लागलो.

.....आंकवारपणान कोणाचे संगतीक लागून सुचिताचो पांय वांकडो पडिल्लो. ताका दीस गेल्ले. ज्या मनशान सुचिताचो विश्वासघात केल्लो ताणें ताका लग्नाक न्हयकार दिल्लो. अशा वेळार सुचिताचे आवयन धाय खावन जीव सोडिल्लो. बापूय तर खंय तोंड घेवन गेल्लो ताचो पत्तो नासलो. पांच वर्सांच्या सोनालीची जबाबदारी सुचिताचेर पडिल्ली. अशा वेळार देव कसो ऋषीकेश ताच्या जिवितांत आयलो. लग्नाचो प्रस्ताव पयलीं ऋषीकेशानूच मांडिल्लो. सगळी जबाबदारी स्विकारिल्ली. सुचितान आग्रो धल्लो देखून ताणें ताचे मर्जेखातीर ताचें ॲबोर्शन करून घेतिल्लें. नाजाल्यार तागेर जावपी भुरग्याकूय सांबाळपाची ताची तयारी आशिल्ली.

सुचिताक आनी सोनालीक ऋषीकेश आपणाल्या घरा घेवन आयिल्लो. शेजारी-पाजारी कोण मुमुरख्यांनी जाल्यार कोण खो खो करून हांसताले. एकामेकांचेर घालून पाडून उलयताले. पूण ऋषीकेश मात हाल्लोना, धोल्लोना. थीर रावलो....

फाटल्या यादींनी सुचिताक गलबलून आयलें.

कितलो तरी वेळ असोच गेलो. इतल्यान दाराकडल्यान पावलांचो आवाज आयलो. ते सरशीं दोगांय उठलीं आनी एकदम भायर धांवलीं. भायल्या हुंबऱ्याचेर बसून मधुमिता हुंडकेताली. तोंड दाबून भितल्ल्या भितर तडफडटाली. जोरान फणफणटाली.

सुचिता बेगी-बेगीन फुडें आयलें.

''तुमी कित्याक हांतरूणावयली उठली?''

उलयतां उलयतां सुचितान तिचो हात हातांत धरलो.

पयलेच खेप तिचेर बारीकसाणेन नदर माल्ली.

तोंड तर रडून रडून सामकें सुजिल्लें. आंग सामकें खतखततालें. आंगाचेर खंय खंय माराचे वळूय दिसताले. सुचिताचें आंग शिरशिरून आयलें.

सुचिता मनांतल्यान तळापासून हालून गेलें.

''म्हाका खंयच्या तरी हॉस्पिटलांत व्हरात. हांगा नाका. पांयां पडटां. म्हाका हांगासर रावपाचें ना.'' मधुमिता कासावीस जावन उलयताली. खरें म्हळ्यार तिका

उलोवपाचेय त्राण नाशिल्ले.

"हिका मातशी उखलून खाटीचेर व्हरात न्ही. म्हज्या एकल्याच्यान जायना. आनी बेगीबेगीन दोतोराक हाडात. आंगांत जोर सामको खतखतता."

सुचिता काकुळटेन सांगपाक लागलें.

ऋषीकेशान फुडें सरून मधुमिताक दोनूय हातांनी धरून सवकसायेन खाटीचेर घालें. वयल्यान पांगरूण घातलें. सुचिता ताकतिकेन दुदाचो पेलो घेवन आयलें.

"तुमी बेगीन दोतोराक घेवन येयात न्ही. तोमेरेन हांव दूद घालतां. चलात, स्कूटर घेवन बेगीन चलात न्ही."

सुचिता घोवाक ताकतीक करपाक लागलें.

ऋषीकेशाक ताचेमदल्या बदलाचें अजाप जालें. पूण अजाप करीत बसपाची वेळ नासली. पांयांत जोतें चडोवन तो तसोच ताकतिकेन दोतोराक हाडपाक भायर सरलो.

स्कूटरीकडेन पावतकूच ताका चावयेची याद जाली. बोवाळान तो चावी घरांतूच विसरून आयिल्लो. तो तसोच परतलो.

हुंबऱ्यार पावल दवरून ताणें भितर पळयलें.

सुचिता एका हातान मधुमिताक दूद लायतालें आनी ताचो दुसरो हात ताच्या माथ्यांत भोंवतालो. सुचिताची उतरांय ऋषीकेशाच्या कानार पडलीं,

"मधुमिता, धीर धर. तुका आतां आदाराक फकत तेच नात, हांवूय आसां."

आनी केन्ना न्हय तीं दुकां ऋषीकेशाच्या दोळ्यांत हुंबऱ्यार उबीं जालीं.

• •

११

काळजाचो घोंटेर

देवाचे कुडींत शांताबाय तकलेचेर कांबरूण घेवन शेनेर न्हिदिल्ली. शांत.... आपुणूय थोडो सुशेग घेतलों, अशें म्हणून आबा देवाकुडींतल्यान आपणाले दावे कुडींत गेलो. कोट, तोपी काडून खुंटयाळयार दवरली. ताची नदर भुरग्यांचे कुडींत गेली आनी ताचीं पावलां थंयच थारलीं. कुडीचें सदांचें नीट नितळ स्वरूप आयज सामकेंच बदलून गेल्लें. पोरणी पुस्तकां, कादेर्न जळामळाक पडिल्ले. सगळे कुडभर वस्तू अस्ताव्यस्त वडयिल्लो. तेशिवाय पिंकीचीं लिगां, रिबिनां, फुलां, लेंस हांगा-थंय अस्ताव्यस्त पडिल्ले.

वणटिच्यो तिनूय आरमारी दारां उक्तावन पडिल्ल्यो. आपणेच बांदिल्लो घोंटेर सवण्यांनी मोडून तोडून वडोवंचो, ते परी कुडिची अवस्ता भुरग्यांनी केल्ली. आनी भुरगीं खंयचे खंय ना जाल्लीं.

हांगाचो, गोंयचो राबितो सोपोवन पुण्याक कायम रावपाक गेल्ले तांचे आवय-बापूय तांकां आयज घेवन गेल्ले आनी फाटल्यान हो सगळो पसारो....

नातरां बरींच वर्सां हांगा आशिल्लीं. वर्सांचो हिशोब करपाचो जाल्यार व्हडलो सुमीत ह्या वर्साक धावेक बशिल्लो. ताच्या फाटल्यान मिता तेरा वर्सांचें. मागीर धा वर्सांचो सुजय आनी ताच्या फाटल्यान स वर्सांचें पिंकी.

सगळीं हांगाच बालमंदिरांत शिकतालीं. सगळीं भुरगीं आजो-आजयेकडेन व्हडलीं जालीं. दर एकलें भुरगें तीन म्हयन्यापासून तें आयजमेरेन हांगाच आशिल्लें. आबाचो पूत संजय आनी सून दोगांय पुण्याक नोकरी करतालीं. नोकरी करून भुरग्यांक सांबाळप, तांची काळजी घेवप प्रियाक जमनाशिल्लें. पूण बाळंटेराचो भार मात तिणें मांयचेर घालूंक नाशिल्लो. पुण्याक प्रियाचें कुळार. थंयच ताचे सगळे बाळंटेर जाले. तीन म्हयन्यांची मॅटर्निटी लीव्ह सोंपली म्हणटकच तीन म्हयन्यांचें भुरगें ती आपणाले मांयचे सुवादीन करताली आनी आपणाले नोकरेर रूजू जाताली.

दरवेळा शांताबाय म्हणटाली, "आतां पयलीं सारकें म्हज्यान जमना. दिसान दीस हांव थकत वतां. आतां म्हजेकडेन ह्या भुरग्यांची उस्तवारी जावपाची ना गे बाये."

तिचे कुडींत जोम आसूं वो नासूं पूण तिच्या उलोवण्यांत मात जोम आसतालो.

सौ. प्रिया बाळंत जाले, अशे चल्याचें पत्र आयलें म्हणटकच हें अशें उलोवप जातालें. ती आबाक म्हणटाली लेगीत –

"हांवें कितें म्हळें तें आयकलें मूं?"

ते म्हणटाले,

"हय. आयकलें. नाका सांबाळूं. खरेंच नाका सांबाळूं. सूनबायक तशें बरोवन कळोवया."

पूण आबाक खबर आसली. दर नातराच्या वेळार ते हेंच आयकत आशिल्ले. तीन नातरांक आजमेरेन तिणेंच सांबाळिल्लीं. आतां अशी बडबडली तरी फाल्यां हीच पोळेर झबलीं शिवूंक लागतली, पाळणेय रंगोवंक लागतली, हें आबा जाणा आसले.

आनी तशेंच जातालें. माळयार आशिल्लें पाळणें सकयल येतालें. नवें नातवंड जाल्ल्याची खबर शेजाऱ्यांक पावताली. तेच उमेदीन नवी तयारी.

आनी मागीर एक दीस चलो आनी सून नव्या भुरग्याक घेवन दारांत उबीं जातालीं. दारांत टॅक्सी थारली म्हणटकच शांताबाय एका हातान तांबयांत उदक आनी दुसऱ्या हातांत तांदूळ घेवन मुखार वच. बाळ-बाळंतिणी वयल्यान तांदूळ उंवाळून उडयताली. लोकरीच्या पोळेराक बांदिल्ल्या नव्या नातराची हांसत-हांसत लक्तुबायेन पापी घेताली. नातवाक अचळय व्हरून पाळण्यांत न्हिदयताली.

मागीर थोड्या वेळान रांदचे कुडींत सगळीं च्या पिवपाक बसतालीं. तेन्ना शांताबाय पिरंगत म्हणटाली,

"प्रिया, आतां नव्या भुरग्याक तूंच सांबाळ गो बाये. म्हजेकडेन आतां ही धांव धांव जमना. भुरग्यांक मातशें कितेंय जाल्यार जीव बेठोच सकयल-वयर जाता. घरांत दोगांच आमी जाणटीं मनशां. आनीक कोणाचो आदार ना."

सून उलोवचे पयलींच संजय आपले बायलेक पळयत हांसत आपले आवयक म्हणटालो,

"ती कितें पळयतली कपल? जाणां आई, जालेंच जाल्यार ऑफिसांतल्यो

चार-पांच फायर्ली ती पळेत. पूण भुरग्यांक सांबाळप तिका जमचें ना."

शांताबाय म्हणटाली,

"आरे, ना जावपाक कितें जालां? आंगार पडटकच झक्कत कळटा. उदकांत पडटकच खंय आपशींच पांय मारूक येता."

"शे, शे आई, जमतलें अशें म्हळ्यार सुद्दां तिका जमचें ना. ताका तुजेच हात जाय. हो सुमीत पळय, हीं दोगांय भुरगीं पळय कशीं रसरशीत वाडल्यांत. तांकां केन्नाच थंडी सुद्धां जालीना आसतली. तूं घेता तशी काळजी हिचेकडेन केन्नाच जावचीना. शिवाय तिची नोकरी. नोकरी सोड म्हळ्यार कोणातरेची ही म्हारगाय! तें कांय ना; तुजीं नातरां तूंच सांबाळ कशीं."

पूत एका दमान सगळें सांगून उडयतालो. चल्यान तोंडभर तरफदारीच करतकर बायल आनी कितें उलयतली! ती गालांतल्या गालांत हांसताली आनी म्हणटाली,

"हांवे तांकां फक्त जल्म दिला. तूं तांची खरी आवय. जल्म दिणाऱ्या परस सांबाळ करतल्याचो हक्क चड!"

आनी मागीर तुर्जांच नातरां, हीं उतरां शांताबायच्या कानांत कितलोसोच वेळ घुमत रावतालीं.

नव्या भुरग्यांक मांयचे सुवादीन केलें म्हणटकच प्रियाच्या जिवाक सू जातालें. बंधनांतल्यान मेकळें जाल्लेभशेन दिसतालें. मागीर दोगांय गांवांत आपल्या इश्ट इश्टीणींगेर, सोयऱ्यां-धायऱ्यांगेर च्या-जेवणाक वतालीं. व्हडल्या भुरग्यांक हेवटेन-तेवटेन भोंवडावन हाडटालीं. तांकां जाय त्यो वस्तू घेवन दितालीं. आनी अशें करून सुटयेचे आठ दीस केन्नाच उडून वताले.

आनी मागीर दोगांय पुण्याक वतालीं. सामकीं हुस्क्या मेकळ्या मनान वतालीं. आनी हांगासर शांताबाय नवी चिंता, नवी जापसालदारकी माथ्यार घेवन भोंवताली. नातीचें पोळेर धूय, तिचे कपडे बदल, तिका दूद लाय, ताचो पाळणो हालय, जाग्रण कर, सामकी गुल्ल जावन वताली. सुनेच्या हातांत भुरग्यांची हयगय जावची न्हय हे पोटतिडकीन ता नवी जापसालदारकी पत्करताली. अर्थात त्या पत्करफाटल्यान मायेच्या चिवट आनी अतूट अशा धाग्या-दोऱ्यांचे बंध आसताले.

चवथ्या बाळंतरा उपरांत प्रियान ऑपरेशन करून घेतलें. चारूय भुरगीं आजोळा शाळेंत वतालीं. बरेभशेन शिकतालीं. अर्दी-मर्दी सुटयेंत पुण्याक वचून चार आठ दीस रावन येतालीं. वर्सातल्यान एक खेप पूत-सून आठ-धा दीस गोंयांत येवन वतालीं.

सगळ्यांत व्हडलो सुमीत ह्या वर्साक धावेक बशिल्लो. फाटलीं भावंडांय व्हडलीं जाल्लीं. तेन्ना पुतान आनी सुनेन तांकां पुण्याक व्हरपाचो निर्णय घेतलो. तशें पयलींच घरा पत्र धाडून कळयिल्लें. पुण्यात तांणी एक व्हडलो ब्लॉक घेतिल्लो. आतां दोगांकूय बरो पगार मेळटालो. एक गाडी दवरिल्ली. तेशिवाय काम करपाक एक गडी आशिल्लो. आनी आतां तर भुरगीं आपापलीं कामां करपा इतलीं व्हड जाल्लीं.

बारा वर्सांचें मिता आजयेच्या हातासकयल घरकामांत बरेंच हुशार जाल्लें. शांताबायन ताका रांदपाक सुद्दां शिकयिल्लें.

.....थारिल्ल्या प्रमाण चारूय भुरगीं हांगाचो राबितो सोणोवन आपल्या आवय बापायबरोबर पुण्याक गेलीं. आपल्या फाटल्यान घर रितें दिसचें न्हय म्हणून हो पसारो सोडून गेलीं! पूण ह्या पमाऱ्यानूच घर चड खावपाक आयिल्ले भशेन दिसतालें. आबा खींणभर त्या पसाऱ्याकडेन पळयत उरले आनी विसव घेवपाखातीर खाटीर आडवे जाले.

आबा सदांच दनपरां जेवल्या उपरांत वरभर तरी न्हिदताले. एकेवटेन भुरग्यांचो बोवाळ आसतालो पूण त्या बोवाळाची तांकां संवकळ जाल्ली. मागीर भुरग्यांच्या बोवाळांतूच "च्या जालो. उठता न्हय?" असो शांताबायचो मोगाळ उलो तांच्या कानार सादतालो. त्या उल्यान ते उठताले. पूण आयज तांकां दोळोच लागलो ना. घर सामकें शांत, शांत आसून सुद्दां तांकां मातूय झापडी लागली ना. ते खींणभर तशेच पडून रावले. पूण अचकीत तांच्या लक्षांत आयलें,

.....उठल्याबरोबर भुरग्यांनी केल्लो पसारो तिकाच आवरचो पडटलो.

.....काल रातची खूब उसरां न्हिदिल्ली. बारांक सुमार पीठ भाजूंक बशिल्ली. सुमिताक पिठ्या लाडू खूब आवडटाले आनी सुजयाक सोयेचीं कापां. तीं करता म्हणसर रातीचीं तीन तरी जाल्यां आसतलीं. परत फांतोडेचेर उठल्या. दनपरां ही सगळी मंडळी वतासर एका खिणाचीय तिका उसरपत नाशिल्ली. आतां उठटकच परत हो पसारो आवरचो पडलो. तिका आतां खऱ्यांनीच कसलींच कामां झेपनात. ओगीच धांप लागिल्ले भशेन जाता. ती उठचे पयलीं हें सगळें जाग्यार उडयिल्लें बरें."

आबा तसोच उठलो आनी भुरग्यांचे कुडींत गेलो आनी केल्लो पसारो आवरपाक लागलो. शांताबायक जाग येवचो न्हय म्हणून ताणें लहवूच कुडींचें दार ओडून घेतलें.

ह्या वर्सा भुरग्यांक पुण्याक व्हरतां अशें संजयाचें पत्र येतपासून शांताबायचें चित्त थाऱ्यार नाशिल्लें. ती खचून गेल्ली. शरिरापरस मानसिक नदरेन चड.

पत्राफाटोफाट चलो, सून आयलीं. मदत्ते भशेन तीं भायर टॅक्सीकडेन गेली ना. च्या करपाक गेली खरी, पूण तोंडभर खिन्नताय पातळिल्ली. आंतकड्यो सामक्यो पिळून गेल्ल्यो. अक्रूर कृष्णाक व्हरपाक आयिल्लो तेन्ना यशोदेची नेमकी अशीच आवस्तिकाय जाल्ली आसूंक जाय, अशें तिचे तिकाच दिसलें. तिणें च्या आनी खावपाक दोगांयकुडें दवरलें. सदांचीं कामां तीं भराभरा करताली, पूण सगळें कशें मोन्यानी.

रातचीं सगळीं जेवपाक बसलीं. तीं मोन्यानी वाडटाली. मनाचे धतर वितर अवस्थेंतूय संजयाखातीर ताचे आवडीचीं भजीं करपाक तीं विसरूं नासली. संजय आपले परीन उलयतालो.

सुमिताक आतां सायन्सीक घालतलों. बाकीच्या भुरग्यांक खंयचे खंयचे शाळेंत

घालतलों तेंवूय तो तपशिलान सांगतालो. भुरगीं मोटे खोशयेन आयकतालीं. रात्रीकडेन बशिल्ले आज्जेकडेन मात कोणाचेंच लक्ष नाशिल्लें. आपल्या चल्याचें उलोवणें शांताबाय फकत आयकताली. आबा मात हुंकार दितालो. संजय आपले व्हडले-व्हडले बेत सांगत आशिल्लो. शांताबायच्यान सामकेंच सोंसपाक जायना जालें तेन्ना तिणें म्हळें,

"संजय, हांगाय कॉलेज आसा मरे?"

"शे शे! आई, तशें न्हय. ताका फुडें दोतोर करपाक जाय. ताची आतांपासून ही तयारी."

तें तिका पटलें. पूण तिणें मुखार म्हळें,

"बरें तर. पूण मिताक तरी व्हरूं नाका. ताका वचूंदी हांगचेच शाळेंत."

पूण बापूय सांगचे पयलींच मितान म्हळें,

"ना गे आज्जे, हांव वचपीच. मम्मीन म्हाका दनपारां सांगलां, म्हाका कॉन्वेंन्टांत घालतली म्हणून. मागीर म्हाका फटाफट इंग्लीश उलोवपाक येतलें."

शांताबायन अजापान सुनेकडेन पळयलें. संजयाचें पत्र आयिल्लें तेन्ना आबाक दिशिल्लें, हो दोगांक व्हरतलो आनी धाकलीं दोगांय — सुजय, पिंकी हांगा उरतलीं.

सुनबाय वाडपांत गुल्ल जाल्ली. शांताबायन हातपांय गाळीत म्हळें,

"प्रिया, म्हणजे तूं पिंकीक व्हरतलें? कितें रे संजय? म्हणजे सगळ्या भुरग्यांक तूं वांगडाच व्हरतलो?"

"प्रियाचे चलयांचे बाबतींत कितें प्लॅन्स आसात तें प्रियाच जाणां. चल्यांचें हांव पळयतलों. अशें आमी दोगांयनी वांटून घेतलां."

कुटुंबिक जापसालदारकेचे विभागणेचे हे आधुनिक पद्धतीची आबाक तोखणाय दिसली.

प्रियान सांगलें,

"पिंकीक आतांपासून इंग्लिशीचें ट्युशन दिवपाक जाय. इंग्लिशींत एक वाक्य धड उलोवंक येना."

ह्या उतरार आबान म्हळें,

"ताका आजून इंग्लीश हो विशय ना. म्हणून ताका उलोवपाक येना. पूण हांवें आमच्या खेडेकार मास्तराक इंग्लिशीची शिकवणी दिवंक सांगलां."

हाचेर सून कांय उलयली ना. पूण शांताबायन म्हळें, "आगो, ताका इंग्लीश येना म्हूण कितें जालें? संस्कृत कितलें बरें येता. ताचें पाठांतर पळय, अजाप जातलें तुका. गीतेचे पांच अध्याय पटापट म्हणून दाखयतलें."

सुनबाय मनांतल्या मनांत पुटपुटली.

"कितें करपाचें आसा संस्कृत घेवन? कोण विचारता संस्कृताक? ह्या जगांत फुडें येवपाक जाय जाल्यार फडाफड इंग्लीश येवपाक जाय."

थोडो वेळ कोणूच कांय उलयलो ना. आबा येवजूंक पडलो.

....संजयाच्या भुरगेपणांत ताका हांवें महाभारत सांगिल्लें. पूण आतां तो सगळें विसरला आसतलो आनी सुनबायक तर कांय बोधूच जावचो ना. कारण तिचें कुळार सामकें पाश्चात्य पद्धतिचें.

आबान मागीर उक्तेपणी म्हळें,

"बरोबर आसा. जग झपाट्यान बदलत आसा."

तो चारी भुरग्यांक घेवन वतलोच हें आबाक कळून चुकिल्लें. आनीक ताणून धरपाचो प्रस्न नासलो. शांताबायच्या दोळ्यांत मात दुकां दाटिल्लीं.

आबान सगळो पसारो आवरलो. मागीर देवाकुडीचें दार उगडलें. घडयाळांत पांच जावन गेल्लीं. आबाक प्रस्न पडलो. ते देवा कुडींत गेले. तांणी उलो मारलो,

"शांता, ए शांता...."

पांगरुणाच्या भितल्ल्यान नाक सुरसुरिल्ल्याचो आवाज आयलो. शांताबाय न्हिदूंकूच नाशिल्ली. पांगरुणाभितर रडत आशिल्ली. आबा बायलेम्हऱ्यांत बसलो.

"शांता....."

खिणभरयांत शांताबायन नाक दोळे पुसले. तकलेवयलें पांगरूण काडलें. नाक-दोळे सामके तांबडेगुंज जाल्ले. फाटले पांच-स दीस आतऱ्या-पयऱ्यान अशें जातालें. पूण आबा मुद्दाम आडनदर करतालो.

"आयज खूब वेळ न्हीद लागली!"

खीणभर शांताबाय ओगीच रावली. मागीर तांच्या प्रस्नाकडेन आडनदर करीत तिणें विचारलें,

"आयले तांकां पावन?"

हरशीं शांताबायचो आवाज म्हळ्यार हातांत भरिल्ल्या गच्च कांकणांवरी गोड. ठसठशीत कुकमासारको भरीव. पूण आतां त्या आवाजांत असंख्य वेदना चरांटून भरून आशिल्ल्यो. फाटले पांच स दीस आबा आपले घरकान्नीची ही आवतिकाय नियाळीत आशिल्ले. वचपाच्या आदल्या दिसा सुद्धां आबान संजयाक ल्हवूच कुशीक हाडून सांगिल्लें,

"आरे, पिंकीक आतां व्हरूं नाका. सगळ्या भुरग्यांक अशीं एकदम व्हेल्यार तुजे आवयक खूब त्रास जातले. पंदरा वर्सां भुरग्यांचें करीत आयल्या ती.

संजयान गणयत म्हळें,

"तें खरें, म्हजी तशी हरकत ना. पूण प्रियाचें प्लॅनींग अपूसेट जातलें. हे बाबतींत तें मातशें स्ट्रिक्ट आसा."

आपलो चलो पुराय बायलेचे मुठींत गेला हें ताका कळ्ळें. तरी आसतना ताणें म्हळें,

"हें पळय संजय, तुजे आवयचें मन तुका राखपाक जाय."

"आबा, ओगीच पिशेपणां करूं नाका. आमकां आमच्या भुरग्यांचो फुडार पळोवंक नाका? ओगीच भावनेचे भकीक पडून कायचे काय केल्यार कशें जातलें?"

आबा ओगी रावलो. चल्याचें म्हणणें ताचे नदरेन योग्यूच आशिल्लें.

वचपी हुस्क्यामेकळ्या मनान, नवे उमेदीन गेले. आबा चिंतीत उरलो. बायलेच्या प्रस्नांची जाप दिवपाक लेगीत विसरलो. पूण शांताबाय कांय उलयली ना. पांय दोडून वण्टीकडेन तेंकून ओगीच बसून रावली. आपणें जाप दिवंक कळाव लायला हें तांच्या लक्षांत आयलें आनी ताणी पट्‌कन म्हळें,

"गाडयेक खूब गर्दी आशिल्ली, पूण भुरग्यांक जागो मेळ्ळो. आनी पिंकीक तर जनेलाकडचो जागो मेळ्ळो."

शांताबाय ओगीच रावली. फकत लांब उस्वास सोडलो. आबाय थोडो वेळ ओगीच बसलो आनी मागीर ताणेच तोंड उकतें केलें.

"शांता, भुरगीं गेलीं, ताचें इतलें कितें घेवन बसलां? जांचीं आशिल्लीं ताणी व्हेलीं न्ही? खंय म्हजें आनी तुजें....."

शांताबायन तांकां मदींच तोडीत म्हळें,

"हय, जांचीं आशिल्लीं ताणी व्हेलीं! म्हजीं कोणूच न्ही तीं? म्हाका कांयच बंदपास ना?"

आबान हांसत म्हळें,

"वा! ना कशे? तुजीं तीं नातरां, तुजे सुनेचीं भुरगीं!"

"म्हजे सुनेची भुरगीं! म्हजी सून! कांय ना. फकत भ्रम. आयजवेर हांवूय ह्या भ्रमांत आशिल्लें. पयस रावन नोकरी करपी सून परक्या घरांत दिल्ले चलयेपरस चड परकी आसता. तिका आमची माया ना. फकत स्वार्थापुरतीं तीं लागीं आयिल्लीं."

शांताबायच्या उलोवण्यांत नेट आशिल्लो. तिचें उलोवप कोडू आसलें तरी सत आशिल्लें. आबाच्या मनाक तें पट्टालें. तरी आसतना ताणें म्हळें,

"पूण नातरां तर तुजींच न्ही?"

"ह्या नातरांचें पंदरा वर्सां केलें हांवें."

"आगो, तुजें कर्तव्यूच न्ही तें?"

"कसलें कर्तव्य? फकत त्रास काडपाचें?"

"ना गो, तांकां वाडोवपाचें. तांचो सांबाळ करपाचो."

"हय. तितलोच हक म्हजो. तरी पयले खेपेक मांय म्हाका सांगताली, शांता, नाका आशिल्लें वजें तकलेर घेवं नाका. हांव अशी बरी नाशिल्ली. म्हाका पळयतलें काय नातवाच्यो लंगोट्यो बदलीत बसतली? तेन्ना हांवेंच म्हळें, आसू जाता तशें करतां हांव.

मांयक राग आयिल्लो. तिणें तेसरशीं म्हळें सुद्धां, कितें गो? भुरग्यांक सांबाळपाक जायना जाल्यार लग्न कित्याक जाली ती? कितें तुजे सुनेची तरा! भुरग्याक तीन म्हयने जाले रे जाले, सोडलें हाडून हांगा आनी आपूण भोंवपाक-फिरपाक मेकळी! कोगूळ खंय कावळ्याच्या घोंटेरान तांतयां उबोवपाक दवरता आनी आपूण गायत हेडटा. तशी हिची तरा! तीन म्हयन्यांचें कंवळें पोर सांडून वचपाक हात

तरी कशे येता काय म्हणटां! खंय तुजी सून? तिका हांगा आपय. हांव विचारतां. आनी खंय तो संजय? ताकाय हांगा आपय.

प्रिया त्या दिसा संजयाबरोबर बोंडला गेल्लें. मांय आनीक तापतली म्हणून हांवें सांगलें, प्रिया देवळांत गेलां. थंयसून भायल्या भायर तिचे इश्टीणीगेर जेवणांक वतलीं."

शांताबाय एका दमान उलयली. आबा हांसलो. ताणी म्हळें,

संजयान आमकां सगळ्यांक सांगनासतना भायल्या भायर लग्न केलें म्हणून आईचो तांचेर खूब राग आशिल्लो."

"हय. मांय तांकां उलयताली. पूण म्हाका तें आवडना आसलें. दोगांय नोकरी करतात! भुरग्यांचे हाल जातले म्हणून म्हज्या आंतकड्यांक पीळ पडटालो. मिता तीन वर्साचें आसतनाच मांय गेली. आनी हांवें सगळें तनमन भुरग्यांक दिलें. तायटावयल्या फोडाप्रमाण तांकां जपलीं. रगताचें उदक करून वाडयलीं. दूद सारकें मेळना म्हणून गाय घेतली. तिचें काम कितें थोडें? हांवें तशें जगावेगळें कांय करूना. म्हज्याच वंशाचे वालीवयलीं तीं फळां! पूण पुताची आनी सुनेची वागपाची तरा येवजून आतां म्हाका खूब खेद जाता. इतलें सगळें करून निमाणें कितें मेळयलें? रितेपण!...."

शांताबायचें उलोवणें चालूच आशिल्लें. कितल्यो तरी कोडसार यादी वाफेसारक्यो उफेत आशिल्ल्यो.

"तुमकां एक याद जाता? भुरग्यांच्या खर्चाखातीर आमी पैशे मागतलीं म्हणून दोगांयची पयलींच आरड आसताली, पैशे पावना म्हणून. पयलीं एक थोडो पगार आशिल्लो. पूण आतां? एक पै हांवें तांचेकडेन केन्ना मागली ना. आमचें सोड, पूण तांच्याच भुरग्यांखातीर कितले त्रास जाले आमकां. मिताक ह्या बाथरूमांत वचपाक आवडनाशिल्लें म्हणून दोन वर्सां पयलीं बाथरूम तुमी सारको करपाक जाय म्हणून तुमी तांचेकडेन पैशे मागले, तेन्ना ताणी कितें सांगलें? सध्या शक्य ना, फुडें पळोवया. आनी तांचें फुडें उजवाडलेंच ना. थंय तांच्या घरांत कितें उणें आसा? सगळ्यो सुख-सोयी आसात. हांगासर सकाळीं भुरगीं शाळेंत वतात, सगळो बोवाळ जाता, एके रान्नीर जायना म्हण तुमी तांकां दोन-तीन फावटीं तरी गॅसाचें सांगलें. ताणी घेतलें कानामनार? घायाचेर तेल ओतचें तशें वयल्यान संजयान म्हळें, जळोव फुकट आसा. कित्याक ओगीच गॅसाक पैशे खर्च करतात? आमी कोणाखातीर तांचेकडेन तोंड फाफुडिल्लें? आमचे खातीर?"

"आसूं दी गो आतां."

"आसूं दी न्ही. भोगूं तें सूख. पूण म्हाका तांच्या स्वार्थी, भावनाशून्य वागण्याचें, तांच्या पडमूरपणाचें दुःख चड जाता. खरें, मनापासून सांगतां, म्हाका तांचें कांयच नाका. भुरग्यांचे हांवें त्रास काडले ते हक्कान काडले. मायेन काडले. त्या भुरग्यांबद्दल हांवें कांयच अपेक्षा करच्यो न्ही? म्हजो तांचेर कांयच हक्क ना? हांवें प्रियाक कळवळून म्हणटा तशें दोनदां सांगलें, आगो, पिंकीक तरी हांगा दवरात. सगळ्यांक

कशी व्हरता गो? हें घर म्हाका खावपाक येतलें!''

तर म्हणपाक लागलें,

''तूं आतां जाणटी जाल्या. कितले दीस तुमी हे त्रास काडटलीं?''

हें कितें आपलेपणाचें उलोवप? हे थोमणे म्हाका कळनात? मनशाचे हातपांय थकतकच ताका कोणाचो तरी आदार जाय.''

उलयतां उलयतां शांताबायचो आवाज सुमाराभायर जड जालो. आबाचें काळीज कळवळ्ळें, पूण ताणी तशें दाखयलें ना. ह्या वेळार तिका धीर दिवपी तेच आशिल्ले. त्याच आवाजन शांताबाय उलोवपाक लागली.

''म्हाका पुताकडल्यान, सुनेकडल्यान कांयच नाका. हुस्को एकेच गजालीचो. आमकां म्हातारपणांत कोण पळयतलो? तुमचें हांवें जातासर काडलें. जेन्ना म्हजेकडेन जांवचेंना तेन्ना हांवच देवाक सांगतलीं, हांकां कोणाचे स्वाधीन करूं नाका, म्हजेपयलीं हांकां व्हर....''

उलयतां उलयतां शांताबायक उतरांच फुटना जालीं. दोळे भरून आयले. तशें आबान म्हळें,

''शांता, आतां वगी राव. मातशें शांत जा.''

पूण शांताबायचें मन आजून थाऱ्यार पडूंक नासलें.

''संजय आनी सुमीत तुमच्या बरोबर टॅक्सींत सामान दवरूंक गेले, तर मिता, सुजय, पिंकी भायल्यान 'आजी, येता गे' म्हणून नाच्च जालीं पापी सुद्धां वतां-वतां दिवंक ना. प्रिया रांदचे कुडींत आयलेंना. थंयच्या थंय म्हाका रकाद दिलो. संजय मात पांयां पडून गेलो.''

''शांता, केदेशे कुस्कुटायेदे गजालीचें येदें भांडवल करता?''

''कुस्कुटायेदी गजाल? हय. कुस्कुटायेदीच. कांटो तोपल्यार तो दिसता, पूण कुस्कुट दिसना. काडूंकय येना. सारकें सलत रावता!''

उलयतां उलयतां तिणें आंवडो गिळ्ळो आनी एक लांब हुस्कार सोडलो आनी मागीर तिची तीच म्हणूंक लागली,

''आसूं दी आतां हें सगळें. जगच बदल्लां.''

आबा हांसलो.

''हांव तेंच म्हणटां. आगो, सैम सुद्धां बदल्लो. ह्या पावसाच्या दिसांनी सुद्दां कितलें कडकडीत वत पळय. आनी शांता, समजून घे. भुरगीं गेलीं. आमी बंदनांतल्यान सुटलीं. मेकळीं मेकळीं जालीं.''

तोंडावयलें हाशें तशेंच दवरीत आबान मुखार म्हळें,

''हांव म्हणटां, आमी आतां खंयतरी यात्रेक या. आजून मेरेन तूं खंयच वचूंना. सुख कसलें तें तुवें चाखुंकूच ना.''

शांताबायन मदींच म्हळें,

''ना कशें तर? आपणाल्या मोगाळ घोवाचो सहवास हें बायलांक सगळ्यांत व्हड सुख!''

तिच्या आवाजांत उपकारपणाची तृप्तताय आशिल्ली.

....येदोळ रितेपणान, रागा-रागान उलयताली ती हीच शांता! आनी आतां तिचे हे तृप्तीचे उदगार! आबान पुडव्याचे एके मिरयेन ल्हवूच दोळे पुसले. शांताबाय कितेंतरी उलोवंक वताली तशी आबान तिका थारायली.

"राव. मर्दी कांय उलोवं नाका. हांव कितें सांगतां तें आयकून घे."

आनी आबा सवकासायेन सांगपाक लागलो.

"हें पळय शांता, पंढरपूर हांगाच्यान कितलेशें पयस! थंय सुद्धां आमचें वचप जालें ना. आतां हांवें सामकें थारायलां, हे आशाढी एकादशीक पंढरपुराक वचपाचें. आमच्या दोगांयच्या जिवाची राखण करपी तीं विठोबा-रखुमाय आसा."

आबा उलयत आशिल्लो. सूर्य अस्तंतेवटेन देंवत आशिल्लो. आपल्या घोवाचें उलोवप आयकत शांताबाय सूर्याच्या किरणाकडेन पळयत आशिल्ली. अचकीत आबान तिका तंद्रेंतल्यान जागी केली.

"शांता, सांगपाक विसल्लोंच पळय. शेजारच्या नाडकर्णीचे सुनेचें फाल्यां खंय अॅपेंडिक्साचें ऑपरेशन. तिका सकाळींच हॉस्पिटलांत व्हेली. शुभूक पळोवपाक घरा खंय कोण ना. आमचे पिंकी बरोबरचें शुभू."

"मागीर ताका हांगा धाडून दी म्हणचे."

"तशें सांगून आयलां गो. घडये आतां येत बी."

"तुमीच वचून कित्याक घेवन येनात? पोर रमतलें हांगा. तीं खेळणीं आनी तुमी ओगीच काडून दवरलीं. आसा तशीं दवरात हांगा. शुभूक खेळूंदी."

शांताबाय सडसडीत उठली आनी च्या करपाक रांदचे कुडींत गेली.

"पिंकी, सुजय, सगळी मंडळी आतां पुण्याचे अर्दे वाटेर पावल्या आसतलीं न्ही?"

"शुभू आयलें."

आबान जनेलांतल्यान आंगणांत पळयत म्हळें. आनी शांताबाय आनी आबाचो रितो जाल्लो घोंटेर परत नंदपाक लागलो.

• •

ज्योती कुंकळकार

जल्म काणकोण म्हालांत. सरकारी नोकरेंत आसा. मराठी आनी कोंकणी भाशेंत कविता आनी कथालेखन. थळाव्या नेमाळांच्या साहित्य पुरवण्यांनी आनी दिवाळी अंकांनी कथा-कवितांक प्रसिद्धी आनी पुरस्कार लाबल्यात. सरस्वती मंदीर पुरस्कृत स. लक्ष्मणराव कथा स्पर्धेंत (१९९२) इनाम लाबलां. आकाशवाणीच्या पणजी केंद्रावयल्यान कविता, कथा, नाटकुलीं आदी साहित्याचें प्रसारण जालां, तशेंच राष्ट्रीय नाट्य प्रसारणांतल्या नभोनाट्यांचे कोंकणी अणकार केल्यात.

''चित्रांतलें वादळ'' कोंकणी कथासंग्रहाक गोवा कोंकणी अकादेमीचें अनुदान (१९९२) लाबलां. 'ओला पदर' मराठी कथासंग्रहाच्या हातबरपाक गोमंतक मराठी अकादेमीचें प्रकाशन अनुदान (१९९२) लाबलां. तेचपरी 'प्रागतिक विचार मंचा'चो बा. भ. बोरकार साहित्य पुरस्कार (१९९३) फाव जाला.

भुरगेपणासावन अभिनयाची आवड. कला अकादेमीच्या मराठी-कोंकणी नाट्यसर्तिंनी भूमिका करून उत्कृष्ट अभिनयाचीं इनामां जोडल्यांत. कांय नाटकांचें यशस्वीपणान दिग्दर्शन केलां.

मुंबय दूरदर्शनाचेर साहित्यिक कार्यावळिनी वांटो घेतला. पणजी दूरदर्शनाच्यो मान्यताप्राप्त निवेदिका. दूरदर्शन आनी वर्तमानपत्रांखातीर नामनेच्यो अभिनेत्री आनी कर्तुत्वी बायलांच्यो मुलाखती घेतल्यात.

दूरदर्शनाखातीर कथा, पटकथा, संवाद आनी गीत-रचना करून कोंकणींतल्यान 'मुक्ता' टेलिफिल्म सादर कलां.

सांस्कृतिक आनी सामाजिक वावरांत सहभाग घेता.

अपुरबाय प्रकाशन